
साहित्य अकादेमी
पुरस्कार
जोडपी

चौरंग

पुंडलीक नायक

पुंडलीक नायक
पुंडलीक नायक


KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)

चौरंग

अपुरबाय प्रकाशन

पुंडलीक नारायण नायक

साहित्यरचना

नाटक –

खण खण माती
रक्तखेव
राखण
सुरींग
सूर्यसांवट (दु. आ.)
देमान्द
मुक्तताय
शबै शबै भौजनसमाज
पिंपळ पेटला
श्री विचित्राची जात्रा
दायज
चैतन्याक मठ ना
आत्मवंचना

एकांकी संग्रह –

गांवधनी गांवकार
चौरंग (ति. आ.)
आकाशमंच
दिगंत

एकपात्री –

छप्पन्न थिगळी येसवंत

नाटक समीक्षा –

रंगपाट

कविता –

गा आमी राखणे (दु. आ.)

कथा –

मुठय
पिशांतर
अर्दूक

नवलकथा/नवलिका –

अच्छेव
बांबर
वसंतोत्सव आनी दायज
गुणाजी

बालसाहित्य –

रानसुंदरी (ति. आ.)
आळशांक वाग खातलो (दु. आ.)
मनू
शिंवाचो बळी
गोंयचो पावस
गौरी आनी कल्परुख
बेकार भोंवडेकार

अणकारीत –

काजी नजरुल इस्लाम
नानालाल

संपादीत साहित्य –

वेंचीक कोंकणी एकांकी
समकालीन कोंकणी लघुकथा

साहित्य अकादेमी पुरस्कार जोडपी

चौरंग

एकांकी संग्रह

एका जुंव्यार जंय..

पावणी

मर्णकटो

आनी एक पोर नागडेंच उरता

खामसुत्रीं

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

CHOWRANG

Collection of one act Plays

by - PUNDALIK NARAYAN NAIK

प्रकाशन क्र. ४४

पयली उजवाडावणी :
नोवेंबर १९८२

दुसरी उजवाडावणी :
जानेवारी १९९१

तिसरी उजवाडावणी :
ऑगस्ट २०००

मुखचित्र आनी अक्षर रेखन :
दिगंबर शिंगबाळ

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें-गोंय
४०३ ४०१

छापपी :
हिरू नारायण नायक
रुतू ऑफसेट
वळवय, फोंडें-गोंय
४०३ ४०१

मोल :
५० रुपया

Rs. 50/-

प्रकाशकाचीं दोन उतरां

श्री. पुंडलीक नारायण नायक हांगेल्या

'चौरंग' एकांकी संग्रहाक

१९८४ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाबलो.

त्याच अदमासाक ताची पयली आवृत्ती सोंपिल्ली.

उपरांत रंगमाचयेवयल्या कलाकारांकडल्यान तशेंच वाचपी आनी ग्रंथालयांकडल्यान पुस्तकाची मागणी वाडिल्ल्यान दुसरी आवृत्ती भायर सरली. आजुनूय ही मागणी तशीच आसा. शिवाय गोवा विद्यापिठाच्या पदवी अभ्यास क्रमांत (२०००) ह्या पुस्तकाचो, पाठ्यपुस्तक म्हण आस्पाव जाला.

आयज पुस्तकाची तिसरी आवृत्ती भायर सरता.

छापणावळीच्या वाडिल्ल्या खर्चाक लागून

पुस्तकाचें मोल वाडोवचें पडलां हें जरी

खरें आसलें तरी तें बरेंच उणें दवरलां.

पुस्तकाची छापणावळ आदले परस

चडानचड बरी करपाचो

यत्न केला.

– **प्रकाशक**

प्रयोग, उजवाडावणी, वितरावणी

१. एका जुंव्यार जंय ..

लेखन : ता. १७/१/१९७८, साहित्य अकादेमी आयोजित एकांकी लेखकांचे शिबीर - पुणें.

पयलो प्रयोग :

ता. २६/२/१९७८, कला शुक्लेंन्दु, पणजी आयोजित प्रायोगिक एकांकी सर्त, पणजी-गोंय

निर्मणी-सानमाची, पणजी

दिग्दर्शक-दिगंबर शिंगबाळ

पयली वितरावणी :

ता. १८/१/१९७९, रातच्या ९.३० वरांचेर, आकाशवाणी पणजी केंद्र

२. पावणी

पयलो प्रयोग :

१९७९, कला अकादमी आंतर महाविद्यालयीन एकांकी सर्त, पणजी

निर्मणी - गोवा कला महाविद्यालय, पणजी

दिग्दर्शक - दिगंबर शिंगबाळ

पयली उजवाडावणी :

'जाग' दिवाळी अंक १९७८

पयली वितरावणी :

ता. १७/१/१९८०, रातच्या ९.३० वरांचेर, आकाशवाणी पणजी केंद्र

३. मर्णकटो

पयलो प्रयोग :

१९७९, कला अकादमी आंतर महाविद्यालयीन एकांकी सर्त, पणजी

निर्मणी - गोवा कला महाविद्यालय, पणजी

दिग्दर्शक - दिगंबर शिंगबाळ

पयली वितरावणी :
ता. १७/७/१९८०, रातच्या ९.३० वरांचेर, आकाशवाणी पणजी केंद्र. १९८० त आकाशवाणीचे अखिल भारतीय नाटकां सर्तित आकाशवाणी पुरस्कार लाबल्या उपरांत अ. भा. नाटकांचे वेळरेंतलें राष्ट्रीय प्रसारण ता. २८/५/१९८१, रातच्या ९.३० वरांचेर आकाशवाणीच्या सगळ्या केंद्रावयल्यान.

उजवाडावणी : (मराठी अणकार)
'कदंब' दिवाळी अंक १९८४
अणकारपी-लक्ष्मणराव सरदेसाय

दूरदर्शन प्रस्तुती :
१९९२ पणजी दूरदर्शन केंद्र
निर्मिती - पणजी दूरदर्शन केंद्र
निर्देशक - श्रीधर कामत बांबोळकार

४. आनी एक पोर नागडेंच उरता

लेखन : ता. १४/६/१९८०, पणजी

पयलो प्रयोग :
ता. १९/१२/१९८०, सांतेरीभाट, वळवय, गोंय
निर्मणी - रंगसांगाती, वळवय
दिग्दर्शक - पुंडलीक ना. नायक

५. खामसुत्रीं

लेखन : ता. २९/१२/१९८०, पणजी

पयली उजवाडावणी :
'जाग' दिवाळी अंक १९८१

पयलो प्रयोग :
ता. १५/२/१९८२, कला अकादमी आंतर महाविद्यालयीन एकांकी सर्त, पणजी
निर्मणी - गोवा कॉलेज ऑफ फार्मसी, पणजी
दिग्दर्शक - राजू केणी

मांडावळ

❒ प्रकाशकाचीं दोन उतरां

❒ प्रयोग, उजवाडावपी, वितरावणी

१. एका जुंव्यार जंय .. ---------------------------------- ९/२३

२. पावणी -- २४/४३

३. मर्णकटो -- ४४/७१

४. आनी एक पोर नागडेंच उरता---------------------- ७२/८९

५. खामसुत्रीं --- ९०/११३

तो

जुवान

शेतकामती

धनी

एक एका जुंव्यार जंय..

(एक कल्पनेंतलो जुंवो. जुंव्यावयल्या एका शेताधडेच्या बांदाचो देखाव. माचयेचे एके कुशीक एक उबार सुवात, जाचेर 'तो' उबो आसा. जुंव्यावयल्या लोकांचो भेस खेळांतल्या वातावरणांक फावसारको. जुंव्यार येवपी जुवान तरनाट्याचो भेस तांचेपरस वेगळो. 'तो' चो भेस ह्या दोगांयपरस वेगळो.

वगत - दिसाचो. 'तो' उबो आसा.

तो : नमस्कार! परत एकदां तुमचेमुखार उबो आसां, ह्याच जुंव्याची तीच कथा घेवन. कथेंत बदल कित्याक घडूक ना हाची जाप हांव काय दिवंक शकना. बदल घडटलो काय घडचो ना ताचीय जाप म्हजेलागीं ना. म्हज्या हातांत आसा फकत घडिल्ल्याची गवाय. बस्स! इतलेंच. भर दर्यांत बर्फाचो खडो कसो हो जुंवो उफेता. बर्फाच्या खड्यासारकें हाचे भायल्यान दिसता ताचेपरस व्हडलें आंग उदकांत दडलां म्हणपाचें कोणाक खबर ना काय! संवसारापासून तोडून कुशीक पयस दवल्लेलो हो जुंवो, कोणाचीच नदर मोखून घेना काय!

(सुस्कारता. पयसुल्ल्यान पावलांचो आवाज.)

हो पावलांचो आवाज! कितल्या तेपान! कितल्या वर्सांनी!

घडये इत्सेक फळ धरत. हीं पावलां ह्या जुंव्याक नवे वाटेन व्हरत!

(एक जुवान माचयेर येता. तो ताका तोखेता.)

वा! सगळें जुवानपण हाज्या भुजांर देवलां. अळंकार कशें यौवन हाणें आपणाल्या सर्वांगार केळयलां. घडये आज ह्या जुंव्याचो इतिहास बदलून वचत. तूं ह्या जुंव्यार कसो आयलो असो प्रश्न हाका विचारप म्हळ्यार हाज्या जुवानपणाचो अवमान केल्लेवरी जातलें.

(जुवानाचें उलोवप आपल्या भितरूच. 'तो' कडेन कोणाचो संबंद ना.)

जुवान : म्हजे जबर इत्साशक्तीन म्हाका ह्या जुंव्यार ओडलो. ह्या जुंव्यार नदर पडनाफुडें, म्हाकां दैवी शक्त आशिल्ली जाल्यार हांव ह्या ल्हारांवयल्यान चलून वतलों आसलों, असली गळीतगात्र भिजूड भावना हांवे काळजांत रिगून घेतलीना. तीं दर्याची ल्हारां म्हाका तशीं वगी बसूंक दीत? खिणांआदीं भुजां आशिल्ले म्हजे अवयव, वले जाले. म्हजे कुडीचें तारूं जालें आनी हो जुंवो म्हज्या दोळ्यांत तीर जावन आयलो.

तो : आनी जुंव्यार पावल दवरीनाफुडें ताचो सगळो शीण, आळवा पानावयल्या उदकासारको निस्तून गेलो. ही भोवतणची पाचंवीचार शेतवड ताच्या मनांत देंवतांच काळजांत थंडाय पातळ्ळी. आपूण खंय आसा म्हणपाचो विसर घातलो ताका ह्या प्रसन्न वातावरणान. पूण खिणभर!

('तो' च्या उलोवपावेळार जुवान विसव घेता, तेन्ना मंद सुरावट. उपरांत अकस्मात एक वाऱ्याची झोत. तेसरशीं शेतांत जोतां आमुडटात ताचो आवाज आयकूंक येता. तातूंत न्हिन्नळप, खरस. जुवान चक्रावता. आवाजाची सुलूस घेता.)

तो : ह्या प्रसन्न वातावरणांक चिरपी हो आवाज हाका सहन जालोना, हातूंत कसलें अजाप! हाणें हेरकडेन खूब पळयलां म्हण हाका हें सहन जायना काय हो आपले जिणेंत पयलेच खेप हें पळयता!

जुवान : भरलेल्या घरार भीक मागपी भिकाऱ्यांचो हो आवाज, काय नजो जावन वळवळटल्या गुलामांचो हो आवाज? हो आवाज म्हजी स्वस्थताय चाळयलेबगर कसो रावत? (जुवान बांदार चडून पळयता.)

तो : ताचे नदरेच्या अस्करांत आयलें तें, देंगणांसकयल शेकानशेक पातळिल्लें शेत. थंय चल्ल्या वायंगणाची कमाशी. एके हारीन चल्ल्यांत जोतां. नांगर ओडटात, तासां पडटात. हीं जोता.... गोरवांची.... (तो आडखळटा.)

जुवान : (कासावीस जावन.) हांव कितें पळयतां! हांव जागो आसा? सपनांत आसा? काय धर्तरेभायल्या खंयच्या गिन्यार आसा? म्हजे दोळे म्हाका फटयनात मू? हे चल्लां ते जोतपण काय मनीसपणाचें पतन!

तो : ताचें म्हणणें लटीक न्हय. जोतां चलतात पूण तांका पाडे नात, रेडे नात. जोताक बांदल्यात मनशांक. दादलो आनी बायल. तीं नांगर ओडटात. नांगर ओडपी तांका

बडयां : शिट्टयानीं बडयतात, शेपलायतात. सोसूं नज जावन ते किळांचतात, हुयेली मारतात. तांचे ते न्हिन्नळप सगळो वाठार कवचेची वस्त कशी फोडून चुरो करता. (खीणभर शांतताय.)

जुवान : (निर्धारान) ना. हें म्हज्यान सोसूंक जावचेंना. ह्या म्हज्या सळसळपी रक्ताकडेन हांव बेमान कसो जांव? ह्या पेट्ट्या स्वासांक हांव पालोंव कशें? ही पायांत संचारलेली वीज निखळांव कशी? आतां हड्डें फुटलें तरी पर्वा ना. हो आवाज थांबोवपाकूच जाय.

तो : मागीर कळाव कित्याक?

जुवान : (आड्डून - शेतकामत्यांक) रावात.
(शेतांतलो आवाज थारता.)

तो : तांचे नदरेंत पळयल्यो हाणे सवंकळीच्यो वेदना. खिणभर ताणीं जोतपण थारायलें पूण खांदावयलीं जुवां भिरकावपाक ते कशे राजी जायत? तीं ताणीं भंयान अदीक आवळून धरलीं. एक जाणटेलो शेतकामती बांदार येता. ताची बागवल्ली मान ह्या जुवानाक कुवाडें घालता.
(बांदावयल्यान एक शेतकामती येता. ताच्या खांदार जुंवाभशेन खोरें आडवें आसा.)

जुवान : आरे, हें कितें चल्लां?
(शेतकामती कांचवेता.)
आंगार फातर बशिल्लेभशेन असो काचाबूल जांव नाका.
(शेतकामती ताका नियाळटा.)
दुबावी नदरेन म्हाकां असो नियाळू नाका, सांग, ह्या मनशांक जनावरांप्रमाण वावराक जुपपी हो जुलमी पातशाय कोण?

शेतकामती : (नमळायेन) जुंव्याचो धनी.

जुवान : धनी?

शेतकामती : हें धनयाचें शेत आनी आमी ताचे कामदार. हांव वतां.
(बेगोबेग वचपाक पळयता.)

जुवान : राव.
(जुवान ताका आडायता, ताच्या खांदावयलें खोरें काडून घेता आनी कुशीक शेंवटीता.)

जुवान : असलें काम बंद करात.

शेतकामती : धनी वगी रावचो ना. पोटाक दिवचो ना.

जुवान : पोटाखातीर कितेंय करशात?

शेतकामती : कितें जाता?

जुवान : कितें जाता तें तुमकां आजून कळूना?
(शेतकामती नेणारपणान ताका पळयता.)

जुवान : (तिडकून) बंद करात हो वावर.

शेतकामती : ना - ना. अशें घडचें ना. धनयान फर्मायिल्लें काम फकत धनयानूच बंद करूं येता.

जुवान : अशें? खंय आसा तो धनी?

शेतकामती : तोऽऽ थंय वावराकडेन आसा.

(शेतकामती कूस मारता.)

तो : धनी! ह्या वेळार हाच्या नदरेच्या अस्करांत आयल्यार जळून गोबोर जायत इतलो हो इंगळो कसो रसरसता. जांव, नवे कथेक सुरवात जाल्या. ह्या जुंव्याचो इतिहास काळखाकडसून उजवाडाकडेन पावली मारता अशें आतां जायतेजाण म्हणटले. आतां हांव हांगा आसलो वा नासलो सारकोच. कारण गवाय म्हण निमाणो हांव उरतलोच. नमस्कार.

(तो वता. बांदावयल्यान जुंव्याचो धनी येता.)

धनी : अनामिक वाटसुऱ्या! ह्या जुंव्याचो धनी तुकां येवकार दिता. हांव जाणांच आसलो तूं येतलो म्हण.

जुवान : अशें?

धनी : आयज दर्याच्या ल्हारांची फडफड वाडिल्ली, मोडाची सुलूस लागिल्ले भशेन. जुंव्यापलतडच्यान आयला?

जुवान : तुजे मुखार उबो रावपी जुंव्यापलतडच्यानूच आयिल्लो आसूंक जाय.

धनी : कित्याक आयिल्लो?

जुवान : आयलेबगर रावूं नजो जालें.

धनी : हांव वाट पळयतालों.

जुवान : कोणाची?

धनी : हांव वाट पळयतालों तो तूं न्हय.

जुवान् : मागीर?

धनी : तूं म्हळ्यार म्हजी सावळी. पडवेरसून आंगणांत पडिल्लें म्हजें पडबिंब.

जुवान : म्हाकां म्हजें व्यक्तिमत्व आसा.

धनी : तरीलेगीत तूं म्हजी सावळी. वा अशें समज, तूं म्हळ्यार कांय वर्साआदींचो हांवूच.

जुवान : हांव तुजे कल्पनेतलें राकेशी जनावर न्हय. हांव अन्यायाचो प्रतिकार करपी.

धनी : कितलो तेप मेरेन?

जुवान : हड्डें फुटसर. जंय अन्याय रूजवणां आयला थंय सावन ताचीं पाळांमुळां हुंमटील्याबगर म्हजी पावलां मुखार पडूना.

धनी : तुवें पळयल्यां जायत अन्यायाचीं झोपां. अन्यायाची रुखां पळोवंक ना.

जुवान : आयज ह्या जुंव्यार पळयतां तीं सादी रुखां न्हय. म्हारूखां.

धनी : झोपां हुंमटावन वडोंव येता. म्हारूखां न्हय. नसत्यो लटापटी केल्यार हड्ड्यार कोसळत.

जुवान : म्हाकां म्हज्या जिवाची पर्वा ना. हांवे हो जुलूम संवसारांत हेरकडेन खंयच पळोवंक ना.

धनी : तुज्या नेणारपणान संवसार मोटवो करूं नाका.

जुवान : जोताक बांदतात गोरवांक. तुज्या जुंव्यार बांदतात मनशांक.

धनी : म्हज्यां जुंव्यार म्हणपा बदला म्हज्या राज्यांत म्हटल्यार म्हाका अदीक बरें दिसतलें. ह्या जुंव्यार हांव एक राजा कसो जियेतां. हांगासल्लो कारभार एकाद्र्या राज्याभशेनूच चलता.

जुवान : जुलमी पातशायासारको.

धनी : तूं रागान रसरसता आनी तुकां सारकीं उतरां फुटनात. म्हज्या वाड्यांत बसून सवकासायेन उलोवया म्हळ्यार तूं राजी जावचो ना.

जुवान : ना जावचो.

धनी : तानेन तुजो ताळो सरडलो, उदक - पाणयावीण तुजो जीव वतासो जालो तरी हांगच्या थेंब्यान तूं ओंठ ओले करचोना. न्हय?

(जुवान वग्गी.)
तूं परती जाप दिना हाचोच अर्थ हांव तुज्या मनातलें उलयलों.

जुवान : म्हाकां तुज्या मनातलें समजून घेवपाचें आसा.

धनी : थार धर.

जुवान : (अथीरतायेन) जमचेना.

धनी : हांव जाणां, तुजें तरणे रगत तुकां थार धरूंक दिना.

जुवान : ह्या जुंव्यावयलो अन्याय म्हाकां थार धरूंक दिना.

धनी : सुण्यांत आनी हांगासल्ल्या मनशांत कितें फरक आसा जाणां? म्हाकां खबर आसा, तांची सुण्यांवांगडा केल्ली तुळा तुका मानवचीना.

जुवान : कित्याक मानवत?

धनी : पूण तीं खरेपणानिशी जनावरांचो वावर करता थंय ही तुळा कांयच न्हय.

जुवान : तांचेकडसून जनावरांचो वावर तूं करून घेता.

धनी : तीं करता म्हण करून घेतां. सुण्यांतलो आनी तांच्यातलो फरक आयकतलो?

जुवान : सांग.

धनी : सुणें पयलीं भोंकता, पूण भाकरेचो कुडको फुड्यांत पडटकच वग्गी पडटा. पूण हे लोक भोंकीना. कित्याक जाणां? मागीर मेळटलो तो भाकरेचो कुडको तोंडातलो सुटत म्हण.

जुवान : हांव ह्या जुंव्याक जाग हाडटलों. तांचेर चलिल्ल्या अन्यायाची तांका जाणीव करून दितलों.

धनी : तुकां सांगल्यार पटचेंना. तूं दुसरो तिसरो कोणूच न्हय. तूं म्हजेच पंचवीस वर्सांफाटलें पडबिंब.

जुवान : म्हाकां एक सांग, तुवें हें कित्याखातीर आडायलां? आयज संवसार खंय पावला! हो अन्याय चलप म्हळ्यार मनीस जातीक केदी ल़ज! तूं ह्या जुंव्यार गोरवां कित्याक हाडिना? गोरवांचीं जोतां कित्याक बांदीना? तुकां ह्या मनशांची काकूळट येना? तुका मनशाचें काळीज ना? मनीसपण

म्हणटा ती वस्त तुका रचणाऱ्यान केन्ना तुकां दिलीना?

धनी : तुज्या एकान एक प्रश्नांच्यो जापो म्हजेलागीं आसात. तुज्या प्रश्नाभायले आनीकय जायते प्रश्न निर्माण जांव येतात. तांच्योय जापो हांव तुकां जरूर दीन.

जुवान : कळाव नाका.

धनी : हांवे ह्या जुंव्यार जे कितें आडायलां आनी तुजे नदरेतल्यान तें म्हावायट जावन आसा, तें काम हांवे त्याच लोकांच्या बऱ्याखातीर आडायलां म्हण सांगल्यार तुजो कुस्कुटभर लेगीत विश्वास बसचोना.

जुवान : ना.

धनी : संवसार खंय पावला हें तुजेवरी म्हाकांय एकदा कळिल्लें. पूण त्या कळपाक खूब शीमो - मेरो आशिल्ल्यो. झणझणीत सत्यापरस तें कळप खूब पयस आशिल्लें. ह्या जुंव्यार गोरवां हाडपाची गरज म्हाका भासना. गोरवांत आनी मनशांत फरक पडटलो तेन्नाच ही गरज भासतली. गोरवां ना म्हण हांव गोरवांची जोता बांदीना हें आपसूक आयलेंच. जोतांची आनीक एक खबर आसा.

जुवान : कसली?

धनी : दर जोताक एक दादलो आनी एक बायल बांदतां. तीं दोगांय घोव बायलां.

जुवान : ताजे फाटलो दुश्ट हेत कितें?

धनी : दुश्ट हेत तूं म्हण, हांव कित्याक म्हणूं? घोवाक चड काम पड्चें न्हय म्हण बायल बेगीन नांगर ओडटा. आनी बायलेक चड त्रास जावंचे न्हय म्हण घोव चड भार आपूण घेता. परिणाम? काम खूब खूब बेगीन जाता.

जुवान : कितलें मनीसपण आसा त्या मनशांत!

धनी : तूं हुतहुतेपणां करता. तुज्या तरण्या रगताचो दोश तो. फुडें आयक, वावराचीं सुट्टकच घोवाक जर भाकरी दीत आनी बायलेक उपाशीं दवरीत जाल्यार बायल हिरांट्याभशेन

झुडोन वता घोवाच्या आंगार आनी झोपय मारून भाकरी खाता.

जुवान : तुवें ह्या जुंव्यार कोंबड्या-कुंकडाचे झुजीचो खेळ मांडला.

धनी : तुज्या आनीक कांय प्रश्नांच्यो जापो उरल्यात. म्हाका ह्या मनशांची काकळूट येना. येता ती तीडक. मनीसपण म्हणटा ती वस्त म्हाका रचणाऱ्यान विसरनास्तना दिल्या आनी ती खंय आनी खंयच्या वेळार वापरपाची बेस बरी बुध्दय दिल्या.

जुवान : हो जुंवो न्हय. हो नरक! हांव ह्या जुंव्याक ह्या नरकातल्यान मुक्त करतलों.

धनी : हांव तुकां तशें करू नाका म्हणना. कारण हांवें ना म्हळ्यारूय तूं तसो यत्न केलेबगर रावचोना. पूण तातूंत तुज्या हाताक कांयच लागचेंना. तूं हारतलो. सांवरपाक जमना इतलो तूं हारतलो. तांचे मुक्तीचो मार्ग म्हज्या नाशांतल्यान सुरु जांवये., अशें तुकां दिसप सभावीक आसा.

जुवान : वगत आयल्यार हांव ताकाय फाटी सरचो ना.

धनी : ह्या मार्गान तूं गेल्यार तांचो मार्ग मेकळो जातलो ही आशा खरी न्हय. तुजे हे करणेन ह्या जुंव्याचो कांयच आवशिल ना. म्हाका ना करपाचो जाल्यार ताणी करप. तुवें म्हाका आनी हांवे तुकां काबार करप हातूंत तसो कांयच फरक ना आनी उपेगूय ना. कारण आमी दोगूय हे भुंयेचे न्हय. कितलेंय कळवळ्ळे तरी उखलापे. हांव जाची वाट पळयतां ताची वाट ते पळयनात. खरें म्हळ्यार गरज आसा ती तांकाच.

जुवान : तांका ताची जाणवीक ना.

धनी : तांका जाणवीक जावची म्हण हांव म्हजेपरीन यत्न करीत आसां. पयलीं रस्त्यांचेर तांका गाडे ओडूंक लायतालों. आतां जोतां बांदपाक लायल्यांत. फुडले खेप नवो यत्न. ह्या जुंव्यार मदीं एक तळें आसा. तळ्यार आनी पुलाची कसली गरज? पूण हांव पूल बांदतलों. कसलो जाणा? तळ्यांत

गळोभर उदक जाता. गळोभर उदकांत आलतडच्यान पलतडीं जोडयेन शंबरेक मनीस उबे करप. तांच्या भुजांर लाकडाच्यो पाटयो दवरप. मदीं कोंडे दाटावन माटी घालप. ह्या पुलावयल्यान लोकांनी येवप वचप. चोवीस वरां एक एकल्याक भुजांर पाटयो पेलून रावपाचें काम. तुका कशी लागली कल्पना?

(जुवान रागान रसरसता.)

म्हजी इत्सा आसा, म्हजेकडसून हें काम पुराय जालेंना जाल्यार तें तुवें पुराय करचें. म्हाका खात्री आसा, ह्या पुलाच्या कामांक एकलोय मनीस उणो पडचो ना.

जुवान : (रागान) तूं - तूं मनीस न्हय.

धनी : तुजो राग म्हाका कळटा. तो कुड्डोय आसा म्हणपाचें लख्ख बरें म्हाका समजता. (तिडकून) अविचारी मनशा, हांव मनीस न्हय अशें म्हणटाना, चोवीस चोवीस वरां भुजांर पाटयो घेवन रावप्यांक मनीस म्हणटाना तुजी जीब मातय कशी आडखळना रे?

जुवान : हांव हें घडूंक दिवचो ना. म्हजे कुडींत रगताचो निमाणो थेंब आसामेरेन हांव ह्या जुंव्याखातीर झगडटलों. तांचेवयलो जुलूम ना करतलों. तांच्या स्वातंत्र्याची तांकां कल्पना दितलों.

धनी : (हांसता.)

जुवान : तुवें म्हज्यो भगल्यो माल्ल्यो म्हण हांव मात लेगीत धील पडचो ना.

धनी : तुज्या भुरगेपणाची काकूळट करीत तितली थोडी! (उपहासान) स्वातंत्र्याची कल्पना! (कळवळून) स्वातंत्र्याची कल्पना दिवन उपेग कितें? स्वातंत्र्याचो घडूंक जाय तो दिस्टावो. दोळे झणझणटा तसलो साक्षात्कार! पिश्या, तो केन्ना घडोवंक जाता? काळखांत धडपडटल्याक चूड दाखोवपाइतलें सोपें न्हय रे तें.

जुवान : म्हाका आत्मविश्वास आसा.

धनी : हो आत्मविश्वास न्हय. ही फक्त आव्हान स्विकारपाची तरणी उमेद.

जुवान : हांव आतां स्पश्ट विचारतां, ह्या जुंव्यार चलिल्लो जुलूम तूं बंद करता काय ना?

धनी : तूं प्रश्नूच विचारताना चुकता.

जुवान : कसो?

धनी : पयली गजाल म्हळ्यार तांचेर चल्ला तो जुलूम न्हय.

जुवान : जुलूम न्हय, मागीर कितें?

धनी : तो एक प्रयोग.

जुवान : प्रयोग? गरीब धाकट्यांचें रगत घोटपाचो प्रयोग. तांचें स्वातंत्र्य झोपून घेवपाचो प्रयोग.

धनी : तांकां स्वातंत्र्यूच ना मागीर झोपून घेवपाचो प्रश्नूच येना.

जुवान : म्हाका दिसता, तांच्या स्वातंत्र्याची सुरवात हांगासूनच जातली. (हांगा थंय सोदता. ताच्या हाताक खोरें मेळटा.) ह्या दोळ्यांच्यो मुंडोळ्यो भायर पडचेआदीं ...हे म्हजे हात...शिवशिवपी विखाळे नाग...

धनी : पिश्या, तुज्या रागाक दोळे नात.

जुवान : तुजें दुसरें कांयच आयकून घेवपाक हांव तयार ना.

धनी : तुका पस्तावचें पडटलें. काळखांत रखडचें पडटलें.

जुवान : म्हाका नदरेमुखार दिसता, लख्ख उजवाडांत ह्या जुंव्याचें स्वातंत्र्य!

धनी : तुका कसो समजांव!

जुवान : म्हाका हय काय ना इतलेंच सांग. हो जुलूम बंद जातलो काय ना?

धनी : ना. तूं म्हणटा तो जुलूम बंद करपाचें काम म्हजें न्हय. हांव तें करचो ना.

जुवान : मागीर तें काम हांव करतलों.
(जुवान दोनूय हातांनी ताचेर खोरें उबारता. काळोख. धनयाची

किलांट. रोकडोच उजवाड. धनी सकयल पडिल्लो दिसता. रगताळ्ळा. खोरें कुशीक वडोवन जुवान उबो.)

धनी : (न्हिन्नळत) तूं - तूं म्हजेच जातीर गेलो.

जुवान : तुजे जातीर? थू ऽऽ तुका जात आसा? तुजे करणेचें पानवळ भोगयलें तुका. हाचेपरस सादी ख्यास्त तुका फावनासली. हांव तुजे जातीर गेलों ना. निखालस गेलों ना. हांव म्हज्या धर्मान वागलों. काळखांतल्यांक उजवाडाकडेन ओडपाचो म्हजो धर्म! हावें ताका पाळो दिलो. जिवाच्या आकांतान हावें ताका पाळो दिलो.

(नव्या आवेशान बांदार धांवून वता. आड्डता.) रावात. भावांनो, ह्या खिणांक तुमी ह्या जुलमांतल्यान मेकळे जाले. वर्सांन वर्सां चलत आयिल्लो तुमचेवयलो अन्याय आयज सासणाचो शिमे-भायरो जालो. जुंव्यार जियेवपी ह्या जुंव्याच्या बाळकांनो, तुमी जनावरां न्हय. मनां काळजां आशिल्लीं हाडांमासाचीं जितीं जागतीं मनशां तुमी. ह्यानफुडें तुमचेलागीं अधर्मीपणान आनी अनितीन वागपाचें बळगें कोणाकूच जावचें ना. (कांय वेळ थारून) भिरकावन वडयात तीं मानेवयलीं जुंवां. तुमचे मानेर गुलामकायेचीं जुंवां दवरपी तुमच्या धनयाक हावें हांगां धर्तरेर पातळ्ळा. हांगा रगताच्या कोंडांत तो निमाणे खीण वेंचीत पडला.

(बांदावयल्यान व्हदळचो शेतकामती भियेभियेत येता. धनी न्हिन्नळटा तें पळोवन काचाबूल जाता.)

शेतकामती : तुवें धनयाक खऱ्यांनीच माल्लो?

जुवान : ताचे करणेन ताका हें फाव जालें.

शेतकामती : आतां किते करप?

जुवान : पयले सुवातेर तीं मानेवयलीं जुंवां भिरकावन वडयात.

शेतकामती : पूण कित्याक? आमी तीं तशींच दवरतात.

जुवान : नाका. म्हाका सोसचें ना.

शेतकामती : पूण तांचेबगर आमचें चलचें ना.

जुवान : कशें चलचें ना? चलूंक जाय. हावें ह्या जुलमी पातशायाक धर्तरेर आड केलो म्हण तुका खोस दिसना?

शेतकामती : तशी खोस दिसून घेवं जाल्यार तूं सांग. घेतां.

जुवान : (अजापान) हांव सांगू?

शेतकामती : हय. ह्या धनयाक तुवें सोपयलो, आतां तूं आमचो धनी. आतां तुजे मर्जेर आमचीं पावलां पडपाचीं. तुजे आज्ञेर आमच्यो मानो बागोवपाच्यो.

जुवान : ना. ना. हें सगळें हावें घडोवन हाडलां तें हेखातीर न्हय.

शेतकामती : आतां आमकां काम दी आनी पोटाक पोटभर भाकरी. आमी तुजो जयजयकार करतां.

जुवान : अशीं पिशेपणां करूं नाकात. हांव तुमचो धनी न्हय. एका काळार आशिल्लो तुमचो धनी इतिहासांत जमा जालो. तुमचो तसो धनी आसुंकूच शकना. तुमचे धनी तुमी. तुमचें काम तुमी सोदपाचें आनी तुमची भाकर तुमी जोडपाची.

शेतकामती : अशें कशें! धनी नासतना हो जुंवो चलुंकूच शकना. आमचे फाटिचो कणोच मोडिल्लेवरी जातलो. आमकां धनी जायच. तूंच आमचो धनी. तुवें तुज्या बळग्यान धनीपद मेळयलां. आदल्या धनयानूय तें अशेंच जोडिल्लें. तुज्या पराक्रमाचीं आमी तुस्तगीतां गायतात. (घोशणा दिता.) नव्या धनयाचो जयजयकार जांव! नव्या धनयाचो जयजयकार जांव!

(घोशणा दीत भितर वता. भितर घोशणांचो व्हडलो बोवाळ जाता. जुवान चक्रावता. सगळो जुंवो आपणांभोंवतणी घुंवता अशें ताका दिसता. तो गळीतगात्र जाता. धनी न्हिन्नळत, धडपडत उठून बसपाचो यत्न करता. जुवानाकडेन आपुलकायेन पळयता. जुवान लजेन मान बागयता. धनी ताका आपयता.)

धनी : हांगा यो.

(जुवान सवकासायेन ताचेम्हऱ्यांत येता.)

म्हजो पूत तो. (ताका वेंगेंत घेता.) अणभवान कळटा ती

गजाल वायट न्हय. म्हज्या माथ्यावयलें वजें तुवें आपूण जावन आपणाल्या माथ्यार घेतलें.

जुवान : जुंव्याच्या धनया, हांव चुकलों.

धनी : आतां धनी तूं.

जुवान : अशें म्हणू नाका.

धनी : तशें ना म्हणून कांयच फरक पडना.

जुवान : हांवें अशें करूंक फावनासलें?

धनी : तुका आडावपाक हांव असमर्थ आसलों. हांवें सांगिल्लें तें तुजे बाबतींत कुसान कूस खरें उतरलें, जशें काय तें सगळें घडपाकूच हांवें तुका आदीं सांगिल्लें. दुस्मानांचे वध करून प्रश्न सुटूं येतात, पूण बऱ्या मागत्यांची हत्त्या करून प्रश्न सुटनात. तशेच उरतात वा वाडटात तरी. (कासावीस जाता.)

जुवान : तूं प्राण सोडचे आदीं म्हाका सांग, हांव आतां कितें करूं?

धनी : हांव सांगतां म्हण न्हय, तुका तें करचेंच पडटलें. आतां म्हजेसारकोच हांगा वाट पळयत बस पूण मेल्ले वारीसारको अशे हातपांय गळसणावन न्हय. (विश्वासान) येतलो, आयज नातर फाल्यां, फाल्यां नातर परवां तो येतलोच येतलो. पूण मतींत धर, जो येवपाचो आसा, तो तुजे म्हजेसारको हो दर्या पेंवून येवचो ना. तो हे मातयेच्या बोंबलेंतल्यान रूजवणा येतलो. स्वतंत्रतायेची घुडी घेवन ह्या जुंव्यार ता थै नाचतलो. आनी त्यावेळार मानेवयलीं जुंवां, बावक्यो पाकळ्यो कश्यो आपसूक झडून पडटलीं. पूण हें सगळें घडपाक.... (धांप लागता) म्हज्यान आनीक उलोवं नजो. म्हजी निमाणी इत्सा! तो येवपाचो आसा - ताचेखातीर म्हजें दायज फुडें चल्लें हें म्हज्या दोळ्यांनी म्हाका देखचें आसा.

(जुवान ल्हवू ल्हवू उठटा. संगीताची लय वाडटा. शेतांतल्या घोशणांचो आवाज व्हड जाता. जुवानांत आतां धनयाचो

अवतार संचारूंक लागता. धांवत तो बांदार वता आनी व्हडल्यान आड्डून उलयता.)

जुवान : बंद करात हो आवाज. तुमचो धनी तुमकां फर्मायता. (अकस्मात आवाज थारता.) आयजपासून, हे घटकेपासून हो जुंवो म्हजे आज्ञेन चलतलो. म्हजे आज्ञेन धोलतलो. एका आंगळाचे चुकीक वांवभर ख्यास्त भोगतली. पोटच्या पोरावरी म्हजे आज्ञेचें पालन हांगा घडूंक जाय. म्हजी पयली आज्ञा - ह्या, मुखार दिसता त्या तळ्यांत, आलतडच्यान पलतडीं, एके हारीन उबे रावन, खांदार पाटयो घेवन पूल तयार करूंक जाय, आयचे आयज.

(जुवान राजाच्या झेतान उबो रावता. धनयाचेर नदर मारता. धनी समाधानान प्राण सोडटा. जुवान बांदार थीर. बेगीबेगीन 'तो' धांवत येता. आपणाले आदले सुवातेर उबो रावन उलयता.)

तो : माफ करात! ह्या जुंव्याचो इतिहास परत एकदां त्याच सांच्यांत रीगलो. हो खेळ हांगा सोंपपाचो. पूण सोंपना, सुरू जाता. म्हजो नाइलाज आसा. तो येसर म्हाका हांगा मान सकयल घालून वाट पळयत रावुंकूच जाय.

('तो' मान बागयता. काळोख.)

(सोंपता.)

तो
स्वातंत्र्य झुजारी
मावशी
समाज सेवक
बापूय

पूत
पयलो
दुसरो
धाएक लोक

दोन पावणी

(एका गांवांतलो तिठो. तिठ्याची एक उंचेली सुवात. 'तो' (कालपुरूश) आनी उबांतर पडिल्लो एक स्वातंत्र्यझुजारी. 'तो' न ताका गचेक धरला आनी ताची पावणी करता. आशी-कुशीक लोक बोवाळटात. 'तो' चें संभाशण फकत स्वातंत्र्यझुजाऱ्याकडेन. लोकांचे नदरेन तो अदृश्य.)

तो : ह्या तिठ्यार, आमोरेच्या वेळार बोल्सांत बाळगून पैशांचो उबारो, हांगाथंय हेडपी हाच्या देशभावांनो, पळयात मातशो नदरो वळोवन, हो हावें हाडला माजराचो पिलो कसो गचेक धरून.
(धाएक लोक कुशीक येवन फुतफुततात.)
: माजराचो पिलोसो दिसता खरो.
: शे! ल्हंव झडिल्लो बुकलो.
: कित्याक माजराचे जातिचो अपमान करता?
: ही ऽऽ ही (हांसो)
: देशभाव खंय!
: कोणाचो? आमचो?
: आमचो कित्याक? देशाचो.
: हालीं देशाच्या नांवार कितेंय खपता.
: (ताका बोट दाखोवन) हें दिसताच न्हय.
: विक्र्याक कांय कितें?

तो : गळचे आदीं हाच्या दोळ्यांच्यो मुंडळ्यो, तुमचेमुखार करतां हाची पावणी. तुमी घालात लास. पयली खेप...दुसरी खेप...
(परत लोकांचें उलोवप)

: एक एक अजाप.

: हेंच एक अजाप घडपाचें उरिल्लें.

: मनशाची पावणी!

: मनशाचे पदवेक तरी पाविल्ल्याची जावंक जाय आसली.

: (एक वेवहारी सूर) कित्याकूच उपकारचो ना म्हणटा?

: गोरवां राखपाक? गोरवांनी सोबत.

: फळीं चिरपाक?

: हो फळीं चिरतलो? हाचीं चिरल्यार जायत.

: फळीं? जोळवाक कांपट्यो लेगीत पडच्यो नात.

: जोताक?

: जोत धरूंक? काय जोताक बांदूंक?

: दोनाकूय उपकारपाचो ना.

: मागीर पावोवन व्हरून म्युझियमांत दवरपाचो?

: तसो कर्तुबी आसल्यार आख्ख्याचो आख्खो दवरूं येतालो.

: आंगण घराची कळा सांगता. तोंडावयल्यान दिसता कर्तुब!

: एका काळावयलो आसूं येता.

: मागीर इतलो तेप खंय गोबराखाला कुरंगुटी करून आसलो?

: वळखिचो दिसता ?

: कांय कळना.

तो : समेस्तांनो, वळखतात मू तुमी हाका? वळखना जाल्यार ताची लज जावंक जाय हाकाच, न्हय तुमकां कुस्कुट लेगीत. पावणेच्या नेमाप्रमाण घडूंक जाय हाचें मेजमाप. पडूंक जाय ताच्या पदरांत ताचें खरें माप. हाजी वळख घडटकच आंगां आखडावन काडूं नाकात शिरशिरी. भावांनो, हो एक स्वातंत्र्यझुजारी.
(चोम्यांतले दोगजाण उलयतात. बाकिचे हयकार दितात.)

पयलो : स्वातंत्र्यझुजारी खंय! स्वातंत्र्य मेळटकच तें एक बरें जालें. उठटा सुटटा तो सांगत सुटलो, आपूण स्वातंत्र्यझुजारी.

दुसरो : झुजारी जाल्यार असो हातपांय गळसणावन कित्याक?

पयलो : स्वातंत्र्यझुजारी! झुजपाखातीर स्वातंत्र्य सवाय आसलें.

दुसरो : झुजारी जाल्यार आतां कित्याक झुजना? आतां घडना अन्याय? अधिकारी लांच खाता, पसरकार फसयता, धनीक नाडटा, दिसा धवळ्या चोर मेळत तें सुतलायता, सरकार बासता, हो अन्याय न्हय? तेन्ना हांच्या तोंडाक गुड्डे कित्याक?

पयलो : कसले कर्माचे झुजारी? झुजारी म्हणटा ताची लागणूक झुजपाची मू? काय बायल भुरग्यांक घेवन संवसार थाटपाची?

दुसरो : तांकां कोणेतरी आपणाल्या कर्तव्याची जाणवीक करून दिवंक जाय.

पयलो : ती तांकां केन्नाच जावपाची ना. तांची जातूच वेगळी.

दुसरो : पावणी आनी खंय! खंय कित्याक मोल दिवचें ताचेंय आमकां धंगण ना.

पयलो : असल्या गजालीनी पडप म्हणजे मुद्दम शेणांत फातर वडोवन आंग भश्टावन घेवप.

दुसरो : लास घालचेआदीं कळ्ळें तें नशीब!

पयलो : नाजाल्यार विकतें श्राद्ध येवपाचें वांट्याक.

दुसरो : कडसरुया हांगासल्ले.
(सगळे वतात.)

तो : (स्वातंत्र्यझुजाऱ्याक) पळयलें? तुजें अशुभ नांव पडनाफुडें कानांर, ताणी उखल्लीं पावलां साबार.

स्वा.झुजारी : तूं कित्याक म्हजे फाटीक लागला? हावें जें कितें केलें, म्हजें कर्तव्य म्हणून केलें.

तो : हेंवूय कर्तव्यूच म्हजें. कळूंक जाय तुका प्राण दोळ्यांत दाटचेआदीं, तुज्या वावरासकट तुजें मोल कितें.

स्वा.झुजारी : समजून घेवपाचें ना म्हाका म्हजें मोल.

तो : समजून घेवपाचें आसा म्हाका.

स्वा.झुजारी : कित्याक?

तो : म्हाका विचारपी आसा संवसार, तेखातीर तयार आसूंक जाय जाप म्हजेलागीं तिनूय त्रिकाळ.

स्वा.झुजारी : पुसून वडय म्हज्या कर्तुबांची रेग.

तो : हेंवूय न्हय थोडें, समजता तूं कर्तुत्वी आपलो आपणांक.

स्वा.झुजारी : पुसून वडय म्हज्या जिवितांत जें जें कितें घडलां तें.

तो : वगत आयल्यार बांदिल्लो आसा हांव तेंवूय करूंक. पूण न्हय अशें सहजतायेन ...कुड्डेपणान.

स्वा.झुजारी : नाका, म्हाका इतिहासांत सुवात नाका.

तो : पयली गजाल, जे भुंयेर आसा तूं उबो, ती भूंय मानता तो इतिहास? नियाळचें पडटलें.

स्वा.झुजारी : ते मानूं वा ना मानूं.

तो : तांची तुका पर्वा ना?

स्वा.झुजारी : ना.

तो : मागीर मांडिल्लो कित्याक तो स्वातंत्र्ययज्ञ? न्हय ह्याच लोकांखातीर?

स्वा.झुजारी : हय.

तो : अदमास चुकलो तुजो?

स्वा.झुजारी : कसलो?

तो : केलें एक आनी घडलें दुसरें! अशें कितें पदरांत पडलें तुज्या?

स्वा.झुजारी : (आडखळून) ना.

तो : तूं समाधानी ना?

स्वा.झुजारी : आसा.

तो : पुराय ना. नाजाल्यार असो पिरंजळचो नासलो.

स्वा.झुजारी : (वग्गी)

तो : एक विचारूं? तुवें झुजून हाडिल्ल्या स्वातंत्र्याचो उद्देश कितें आसलो?

स्वा.झुजारी : विधायक!

तो : कसरत उतरांची! जडला आसूंक जाय तुका वसो, आतांच्या राजकारणी मनशांचो. उतरांच्या बोमाड्यांनी लोकांची फसगत!

स्वा.झुजारी : म्हज्या स्वातंत्र्याचो उद्देश आसलो मेकळपण, समृद्धी.

तो : सांगशीत, तुजें मेकळेपण, समृद्धी कोणाखातीर?

स्वा.झुजारी : सगळ्यांखातीर.

तो : सर्वसामान्यांखातीर?

स्वा.झुजारी : अर्थात.

तो : मावशेखातीर?

(काळोख. उपरांत उजवाड. स्वातंत्र्यझुजारी आनी मावशी गावांतल्या एका मार्गार.)

मावशी : अपेशी रे बाबा तूं!

स्वा.झुजारी : मावशे, कितले फावट म्हणशीत अशें?

मावशी : कितले फावट म्हणजे? हे उतळताप जितले फावट सोंसचे पडटात तितले फावट. तूं अपेशी जितले फावट दोळ्यां दिश्टी पडटा तितले फावट.

स्वा.झुजारी : खऱ्यांनीच तुका दिसता, म्हजेखातीर हें सगळें घडूंक पावलें?

मावशी : हो प्रश्न विचारताना लज कशी दिसना तुका? तुजेखातीर न्हय जाल्यार कोणा आमचेखातीर हें दळीद्र हुमरो हुपून भितर आयलें?

स्वा.झुजारी : सगळ्या अनर्थाक हांवूच कारण?

मावशी : तूं एकलो न्हय. तुजेसारखे धील तकलेचे कितलेशेच आशिल्ले त्या तेंपार. म्हण हें स्वतंत्र काय परतंत्र म्हणटा तें आयलें.

स्वा.झुजारी : स्वतंत्र मावशे, परतंत्र म्हणटा तें आदलें.

मावशी : तेंच म्हणटां हांव. तें आदलें कितें वायट आसलें म्हण तुमी ताका शिमे भायरें केलें? आनी हो आतां कसलो भुतांखेळ मांडला?

स्वा.झुजारी : आमी कसो मांडला?

मावशी : तुमी ना तातूंत. पूण तुमचेखातीर उठली ना ही भुतावळ? तुमी मेकळें करून दिलें ना तांकां मळ, असो अच्छेव मांडपाक?

स्वा.झुजारी : तेबाबतींत आमचो नाईलाज.

मावशी : तेन्नाच अशेंच म्हणटालो - मावशे, ह्या जुलम्यांआड झुजूंकच जाय. हांकां कशेयभशेन धांवडावंकूच जाय. हें काम केलेबगर रावं नजो. कित्या कित्याची पर्वा ना. म्हजो नाईलाज. म्हणटालो मरे अशें?

स्वा.झुजारी : हय.

मावशी : आनी आतांय तशेंच म्हणटा. काळ बदल्ला. तुजीं उतरां तशींच आसात. आदीं रगत सळसळावन म्हणटालो. आतां खऱ्यांनीच इलाज ना म्हण म्हणटा.

स्वा.झुजारी : मावशे. स्वातंत्र्य म्हणटा ताचो अर्थ तुका खबर ना.

मावशी : तूं कितें समजलो? तुका तो बेस बरो खबर आसा म्हण? भ्रम रे पोरा तुजो तो.

स्वा.झुजारी : स्वातंत्र्य म्हळ्यार मेकळेपण. आपले भुंयेंत, आपले मठयेंत मेकळेपणान जगप.

मावशी : आपल्या घरांत मेकळेपणान म्हणजे कशें? उपाशी पोटान धर्तरेक पोट तेकोवन मरे? मेकळेपण म्हळ्यार मेकळ्या पोटान मेकळें वारें गिळप मरे?

स्वा.झुजारी : मावशे, तूं परिस्थिती समजून घेना.

मावशी : म्हाका परिस्थिती-बिरिस्थिती समजून घेवपाची कुस्कुट गरज ना. दोळ्यांक दिश्टी पडटा तें हांव उलयतां. तुगेलें

स्वातंत्र्य : मेकळेपण म्हणटा त्यो गजाली फकत मतां मागूंक येता तेन्ना बोंबलेच्या देंठापासून आड्डून सांगपाच्यो. सगळीं तड्डकां. एकान एक फकांणां. स्वातंत्र्य म्हळ्यार कितें तें हांव सांगतां तुका. स्वातंत्र्य म्हळ्यार तांदूळ सवाय मेळप. आनी दुसरें तिसरें कांय न्हय.

स्वा.झुजारी : स्वातंत्र्याचो संबंद फकत पोटापुरतो ना. पोट कोण भरिना? सुणीं लेगीत भरता!

मावशी : तूं बंदखणीत गेलो तेन्ना तुगेलीं पोरां कशीं भरतालीं? सुण्यांपरस तांची गत वेगळी नासली. तुज्या जिवार उठिल्लो तो उठिल्लो,

पोरांची क्त्याक वाट लायली?

स्वा.झुजारी : तेदेवेळार दुसरो उपाय नासलो.

मावशी : उपाय जायते आसले. पूण तुका एकूय मानवलो ना. तुज्या वेळावयले भुरगींबाळकार तेन्नाय सुखान जियेताले, आतांय जियेतात. तांच्याच नशिबार कितें सुखाचो चाप मारला आनी तुज्या कट्टुलार सदासर्वकाळ दुःखाचें आकटें चडयलां?

स्वा.झुजारी : पूण हांव तसो दुःखी नाच.

मावशी : कित्याक आपली आपूणच फसणूक करून घेता?

स्वा.झुजारी : खऱ्यांनीच सांगतां, म्हजेकडेन पैसो आडको ना ताचें दुःख म्हाका केन्ना भोगलें ना.

मावशी : असो कितें फातरा काळजाचो तर तूं?

स्वा.झुजारी : तुका कशें सांगूं?

मावशी : समजुया, तुका भोगना दुःख, जायना खेद. पूण तुज्या भुरग्यां बाळांकूय भोगना? कसले पदवेक पावयल्ल्यां तांकां? हांव तुजी कोण न्हय. पूण ल्हानपणापासून पळयला तुका. म्हाकाय भोगना?

स्वा.झुजारी : हो म्हजेवयलो मोग तुमी उक्तायतात.

मावशी : मागीर त्या मोगाखातीर तुवें कितें केलें रे? म्हजेखातीर नाका. भुरग्यांखातीर जोडून दवरचें तेदेवेळार त्या उज्यांत पडलो. आख्खें जिवीत हुल्पावन घेतलें आनी मागीर जोडपाकूय असमर्थ जालो. आतां? भुरगीं वाऱ्यार, संवसार उबांतरा. आनी तूं? पिशांतर.

स्वा.झुजारी : मावशे, तुका कशें समजांव?

मावशी : कसो समजायतलो? समजावंक मुद्‌लाक तुजेकडेन आसा कितें? आनी मतींत धर, म्हाका समजावंक शकना जाल्यार कोणाकूच समजावंक शकचो ना.

(काळोख. उपरांत उजवाड. तो स्वातंत्र्य झुजाऱ्याची पावणी करता.)

तो : समेस्तांनो, हाचेर घालचे आदीं लास, कळूंक जाय तुमकां

हाचें मुदलचें मोल. हांव वाजयतां - हाचें मोल शून्य. तुमी चडयात मन मानता तशें, जितलें हाच्या पदराक आसा पुण्य. हाचें मोल शून्यच कित्याक? उप्रासूं येता एक प्रश्न तुमच्या दोळ्यांमुखार. शुन्यांपरस आंकडो उणो ना दुसरो देखून आनी हें ब्रह्म निर्माण जालां शुन्यांतल्यान. (लास वाजयता.) हो झुजारी एका शुन्याक पावता पयली खेप. एका शुन्याक पावता पयली खेप. (कांय वेळ थांबून) पळय अभाग्या, ह्या तिळ्यार गोरवां-वासरांचे पावणेक पड्टा गिट्टी-खेटी. मारीत हालेटी, जोरगतीन चडटा लास. पूण आतां हालयनात कोण मानो, वळयनात कोण कान-दोळो. सगळ्यांनी काडले कानांर केंस. न्हय ते ह्या गांवचे अशे ताणी पांगुल्ले भेस.

स्वा.झुजारी : म्हजी अशी विटंबना कित्याक करता?

तो : हांव करीना दुर्भाग्या! ही तुजे विटंबनेची जाणविकाय तुका. नाजाल्यार उरशीत तूं तुजेच गुर्मेंत गुल्ल, आपणाल्या कर्तुबांचीं मिरयत फितां.

स्वा.झुजारी : हें सगळें घडलां तातूंत मिरोवपाचो भाग निखालस नासलो.

तो : मिरोवपी थोडे नात.

स्वा.झुजारी : खोलाय नाशिल्ल्या उदकाक खळखळ चड. ते तातूंतले.

तो : तेन्नाय अशी आसली वर्गवारी?

स्वा.झुजारी : तशें करपाक फुरसद नासली कोणांक.

तो : नासली जायत तुका. जायते जाणांक आसली. घेतलो ताणी लाव, तेन्ना आनी आतांय बी.

स्वा.झुजारी : व्हांवत्या पाणयांत हात धुवन घेवपी जायते आसात.

तो : आसातूच साबार. पूण तुजे हात म्हेळे कशे?

स्वा.झुजारी : म्हज्याच रगतान भरिल्ले हे हात! व्हांवत्या उदकांत हात धुवन घेवपाचे शुद्र मनाचे वृत्तीचो नासलों हांव. आमी व्हांवत्या उदकांत जिवाची पर्वा करिनासतना उडी घेतली. तिवूय व्हांवतेंत न्हय. व्हांवतेच्या उरफाटी.

तो : जिखले?

स्वा.झुजारी : जिखले! जिखले म्हणजे? जिखपाखातीरूच हें सगळें केल्लें.

तो : जिखतले हाची पुराय आसली खात्री?

स्वा.झुजारी : आशिल्ली.

तो : नाशिल्ली जाल्यार खात्री, रावतलो आसलो उतरले बगर?

स्वा.झुजारी : फायद्या लुकसाणेचो हिशोब मांडपाक स्वातंत्र्य हो धंदो नासलो.

तो : भौशीक सभेंत ताळयांचें हें वाक्य.

स्वा.झुजारी : त्या काळार त्या जुलमाआड वगी कशें बसूं येतालें?

तो : इतलो जुलूम चलतालो त्या काळार?

स्वा.झुजारी : जुलूम? जुलमांचो कळस! जनावरांपाश्ट लेखताले मनशांक. अत्याचार चलताले मनीसकुळयेचेर.

तो : अशें?

स्वा.झुजारी : हयच.

तो : आतां उणे चलतात?

स्वा.झुजारी : (वग्गी)

तो : (ताका गचेक धरून व्हिंजळटा.) वगी कित्याक?

स्वा.झुजारी : मतींत धर, हावें एक जुलूम ना केला; पूण ते सुवातेर दुसरो निर्माण करूंक ना.

तो : मावशीबायक समजावंक शकलो ना, आनी तिणे सांगलां तशें - आपणाक समजावंक शकना जाल्यार कोणाकूच समजावंक शकचो ना.

स्वा.झुजारी : सगळें म्हज्याच माथ्यार मारूंक सोदता?

तो : न्हय हांव, लोक.

स्वा.झुजारी : म्हाका तांची पर्वा ना.

तो : काळजाच्या देंठांतल्यान सुटना उतरां, वाजेवन म्हणटा वयलेदरा, पूण तरी लेगीत दुखता देंठ काळजाचो. न्हय खरें?

स्वा.झुजारी : (वग्गी)

8511

तो : (उपहासान) पूण भाग्यवंता, समजूं नाका व्यर्थ गेले तुजे उतळताप; कश्ट, सोंशिल्ले हाल उपाद्रे, हो समाज, हो देश, तूं समजता तितलो न्हय कृतघ्न! पळयतात तुज्या मर्णाची वाट सगळे दोळ्यांत घालून तेल. समाजसेवकाचीं आंगवस्त्रां चडोवन भुजांर. तुका दिसतलें, आपलें शुद्राचें मरण! न्हय पिश्या, तें एक निर्वाण ... महानिर्वाण! व्हाऱ्यार घडिल्लें म्हण कितें जालें! तूं मेल्या उपरांत भरतली एक जाहीर सभा. मसंडेंत. शोकसभा एका महानिर्वाणाची. जातली हुकमी दुकांची शिस्तबद्ध परेड. तुज्या मड्याक गवाय दवरून झडटलो तुजेर श्रद्धांजलीचो शिंवर.

(काळोख)

(आकाशवाणी वयल्यान खबरेपत्राची वितरावणी चल्ल्या.) ...तांच्या मर्णाची खबर आयकून आपणांक आकांताचें दुःख भोगलें अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळां.. ताणी राजकी मळार केल्लो अमोल असो वावर, ह्या देशाच्या फुडल्या कितल्याशाच पिळग्यांक उपकारा पडटलो. अशें ताणी मुखार म्हळां. शिक्षणमंत्र्यांनी म्हळां, तांच्या मर्णान देश एका म्हान सुटकेझुजाऱ्याक अंतरला. तांच्या मर्णान समाजसेवेच्या मळार एक व्हडली पोकळी निर्माण जाल्या. ती भरून काडपाची जापसालदारकी आयच्या तरनाट्यांचेर आसा. अशें शेतकामत मंत्र्यांनी म्हळां. तांचो वावर जर आमी सहकारान मुखार व्हेलो जाल्यार ती तांकां खरी श्रद्धांजली जातली, अशें सहकार मंत्र्यांनी म्हळां. देशांतल्या वेगवेगळ्या भागांतल्यान तांच्या मर्णाचेर दुःख प्रगटावपी संदेश येत आसात. तांचे पयले पुण्यतिथी दिसा सरकारान तांचो पुतळो तांगेल्या गावांत उबारचो अशी मागणी ग्रामपंचायतीन एकमुखान सरकारालागीं केल्या. ग्रामपंचायत आपणाले कचेरेंत तांगेलें तैलचित्रूय लायतली अशी खबर आमगेलो स्थानीक वार्ताहर कळयता. कांय शिक्षणीक संस्थांनी तांच्या

नांवान शिष्यवृत्त्यो जाहीर केल्यात. फाल्यां दनपारच्या अडेच वरांचेर तांची अंत्ययात्रा भायर सरतली. स्मशानभुमींत शोकसभा जातली. सभेंत सामाजीक, राजकी, सांस्कृतीक, शिक्षणीक आनी उद्येगीक अशा सगळ्या थरांतल्या फुडाऱ्यांचीं, तांच्या कार्याचो गौरव करून तांकां श्रद्धांजली ओंपपी भाशणां जातलीं. जांकां संस्थेचे वतीन आनी वैयक्तीक रूपान स्वातंत्र्यझुजाऱ्याचे पवित्र कुडीक हार घालपाचे आसात ताणी आपणालीं नांवां फाल्यां दनपारां दोन वरांमेरेन अंत्यविधी समितीलागीं दिवचीं अशें समितीन मागलां. ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीवयल्यान आयकतात.

(स्वातंत्र्यझुजारी मरतकच मसंडेंत अंत्यविधी वेळार जी शोकसभा जातली तिचो देखाव. हार-फुलांनी सजयिल्लें स्वातंत्र्यझुजाऱ्याचें सरणावयलें मडें अर्दकुटें दिसता. धवे मुस्तायकेंतलो समाजसेवक एके कुशीक लोकांक उद्देशून आपणालें पारंपारीक भाशण करता.)

स. सेवक : भावांनो आनी भयणांनो, (भयणां नात तें पळोवन काचाबूल जाता. पूण सरायतपणान तोल सांवरता.) आयज आमी ज्या मनशाक अंतरल्यात तो मनीस सामान्य आशिल्लो जाल्यार सकाळधरयां आमच्या दोनूय दोळयां अश्यो मांडवी-झुवारी व्हांवच्यो नासल्यो. (सुक्या पातकड्यांक नवो करकरीत लेंस लायता.) ह्या म्हामनशाच्या निर्वाणान आयज मळब लेगीत. अशें दाटून आयलां. ताका केन्ना रडें फुटत म्हण सांगूंक येना. (झगझगीत सुर्यप्रकाश फांकता.) आयज वारो लेगीत दुःखान खंयतरी कुरंगटी करून बसला आसतलो. (वाऱ्याची कळसारकी झोत सुटटा.) सर्गांत आमचीं पितरां लेगीत, हो मनीस धर्तरी सोडटा म्हण दुकांधारांनी रडल्यां जायत. असो हो मनीस. खरें म्हळ्यार ताका देवमनीसूच म्हणपाक जाय. हो मनीस आसलो कोण? पूण हांव तुमकां विचारीन, हो कोण नासलो तें सांगात. ताच्या कर्तुबांचीं

वर्णनां करपाक उतरां उणी पडटात. आनी आशिल्लीं नाशिल्लीं दुःखाच्या लोटान व्हांवून वतात. हो मनीस बरो राजकर्णी आसलो. तागेलीं राजकर्णां हावें सांगचेली गरज ना. तीं जाहीरजग (जगजाहीर) आसात. शिक्षणाच्या मळार ताणे केल्लो वावर पळयल्यार ताका एक व्हडलो शिक्षणतज्ञ म्हणपाक जाय. ताणे केल्लीं भाशणां जाणे जाणे कान भरून आयकल्यांत ते ते ताका एक उत्तम वक्तो म्हण वळखतात. समाजसेवा तर ताचें ब्रीदूच. ताची समाजसेवा पळयतकूच आमचेसारख्या मनशांक लेगीत मानो बागोवच्यो पडटाल्यो. परिस्थितीन गरीब आसले तरी लेगीत ते एक उद्देगपती आसले, हें आमी विसरूंक फावना. कर्मण्ये वाधिकारेस्तु मां फलेषु निष्कांचन्म ही संत तुकारामाची उक्ती तांकां जुस्ताजुस्त लागू पडटा. तांच्या वावराचो नियाळ करताना, ते गुणांचे म्हामेरू आनी अष्टपैलू आशिल्ले, अशेंच म्हणूंक जाय. आनी एक विसल्लों, ते एक स्वातंत्र्यझुजारीय आशिल्ले. हांव जरी धावो उलोवपी आसलों तरी म्हजेफाटल्यान आनीक जायते उलोवपी आसात ते तांच्या कार्याचेर विशेश उजवाड घालपी भाशणां करतले. तुमी म्हाका हीं चार उतरां उलोवपाची संद दिली म्हण हांव तुमचे उपकार मानतां आनी तुमची सेवा घडपाक अश्यो संदी मदींमदीं मेळच्यो म्हण देवालागीं प्रार्थना करतां.

(काळोख. उजवाडांत स्वातंत्र्यझुजारी आनी 'तो' त्याच तिठ्यार.)

तो : हो आशिल्लो तुका आहेर श्रद्धांजलींचो. दुबावतलो तूं, हो आपूणच राजकरणी धुरंधर, शिक्षणाच्या मळावयलें नक्षत्र, समाजसेवकांचो आदर्श, धनी उद्देगपतिंचो! काय दुसरो कोण! हय, सभाग्या तूंच - तूंच तो. म्हणूक नाशिल्लें हांवें? न्हय हे कृतघ्न लोक. जोडीनासताना तुवें दमडी, जालो तूं करोडपती. हुपनासताना राजकारणाचो हुंबरो, तूं राजकारणी

खांपो. घडपाक हें सगळें सभाग्या तुका मरचें पडलें.

स्वा.झुजारी : नाका, असलें मरण नाका म्हाका.

तो : मागीर हे धर्तरेर रावंक सोदता अज्रंवर?

स्वा.झुजारी : ताणी उबी केली ती जीण म्हजी न्हय. निखालस न्हय.

तो : न्हय, ताणी उबी केल्या. सासणाची आडवी. पूण ती तुजीच जीण, तुवें न्हयकारली तरी.

स्वा.झुजारी : हो म्हजो गौरव निखालस न्हय. म्हाका तो नाकाय बी. ही चल्ल्या ती म्हजे जिणेची विटंबणा.

तो : अशें म्हणटा तूं. तांच्या राज्यांत समजतात हाकाच गौरवाचे मुकूट. मानाचे तिबे. तुज्या कार्याचें फळ घालतात तुज्या पदरांत, हे भुंयेचे जागृत नागरीक. माग, तांच्या हातापांयांक बरें माग. कारण तांकांच पेलचो आसा हो देशाभार आपणाल्या भुजांखांदार.

स्वा.झुजारी : हे कर्मकट्टे! देश जाळून वडयतले म्हज्या सर्णावांगडा. ना, म्हाका मरपाचें ना.

तो : (खोंचून) आसक्ती! परत एकदां जिणेची जबर आसक्ती.

स्वा.झुजारी : म्हाका जगपाचेंय ना.

तो : मरपाचें ना, जगपाचें ना. तुजेसारको दुर्दैवी मनीस ना दुसरो ह्या खिणाक धर्तरेचे फाटकुळेर. हे संवसारा, एक मुक्तिदातो स्वतःचे मुक्तीखातीर हे धर्तरेच्या एका कोनशाक तडफडटा. नदर मारून पळय ताका. ह्या तिळ्यार वाजना ताची पावणी. घडना ताचें मोल शुन्यापरस अदीक. दुर्भाग्या, विधात्याक होराय. घाल म्हणजे भीक एका मुक्तीच्या खिणाची, ज्या खिणांत सगळी खंत वितळून वतली बर्फासारकी. ज्या खिणांत, ब्रिण्ण काळोख विरतलो तुज्या काळजांतलो... ज्या खिणांत तुजे कुडींतले पंचप्राण अचळय विलीन जातले अनंतांत.

(काळोख. उपरांत उजवाड. वाटेर एक बापूय आनी तागेलो चलो. चलो बापयक सतायता.)

बापूय : पुता, पळय कितलो कळाव जालो. चल घरा.
पूत : हांव घरा येवचो ना.
बापूय : तुका जालां तरी कितें?
पूत : म्हज्या प्रश्नांच्यो जापो मेळ्ळेबगर हांव हांगचो हालचो ना.
बापूय : तुवें तुजे प्रश्न शाळेंत मास्तराक कित्याक विचारले नात?
पूत : विचारले.
बापूय : मागीर ताणें जापो दिल्यो नात?
पूत : दिल्यो त्यो पट्ट्यो.
बापूय : (उशण्या रागान) आर्रे! येद्या व्हडल्या भुरग्याक पट्ट्यांचो मार?
पूत : म्हाका दुखूंना. म्हजी दुख वेगळी.
बापूय : कसली?
पूत : म्हज्या प्रश्नाक जाप ना ही.
बापूय : (विशय बदलून) तूं आयज खेळूंक वचना?
पूत : ना.
बापूय : गेमीक?
पूत : ना.
बापूय : आयज दर्यार न्हावंक गेल्यार लेगीत हांव तुका उलोवचो ना.
पूत : हांव वच्चों ना.
बापूय : दोंगरार काण्णा-चुन्नांक लेगीत गेल्यार जाता.
पूत : ह्या तेपार काण्णां-चुन्नां खंयचीं?
बापूय : मागूस आसूं येता.
पूत : आसल्यारूय म्हाका नाका.
बापूय : म्हणटकूच तुका म्हजो जीव खावापचो आसा तर! आरे, पूण तूं तुजे प्रश्न तुजे आवयक कित्याक विचारिना? तिकाच तुज्या प्रश्नांची चड जाण आसतली.
पूत : ती तुमचेकडेन बोट दाखयता.
बापूय : अशें?

पूत : हय.

बापूय : (मनाची तयारी करून) बरें! विचार तुजे प्रश्न.

पूत : फट सांगचे नात मू?

बापूय : जल्मदात्याचेर अविश्वास? लक्षणां बरीं दिसनात तुजीं विचार.

पूत : ह्या देशाच्या स्वातंत्र्याचो इतिहास सांगात.

बापूय : (एकदम वग्गी) स्वातंत्र्याचो इतिहास?

पूत : हय. स्वातंत्र्याचो इतिहास. आतां ह्या देशाक सुटका मेळ्ळ्या आदीं कितें आसलें?

बापूय : (फकाणांवरी व्हरून) हो प्रश्न? हाची जाप शेंबडें पोर लेगीत दीत.

पूत : तुमी दियात. स्वतंत्रताय मेळचेआदीं हांगा. कितें आसलें?

बापूय : स्वतंत्रताय मेळचेआदीं हांगा स्वातंत्रताय नासली. (हांसता.)

पूत : बाबा, फकाणां करूं नाकात.

बापूय : तुजो प्रश्नूच फकाणांचो. खरेंच हांगा स्वतंत्रताय नासली.

पूत : म्हणजे कितें आसलें?

बापूय : म्हणजे (आडखळटा) म्हणजे आतां पळय तूं असले प्रश्न विचारता तसले प्रश्न तेन्ना विचारपाक मेळनासले. तुका जाय थंय, जाय तें उलोवपाक मनाय आसली. फटूय उलोवपाक आनी सतूय उलोवपाक.

पूत : कितें जातालें?

बापूय : कितें जातालें? पातशायाचे शिपाय धरून व्हरताले.

पूत : मागीर?

बापूय : एकदां धरतकूच तुजो गुन्यांव शाबीत जातालोच.

पूत : उपरांत?

बापूय : बंदखण. बंदखणींत बसचें पडटालें. स्वतंत्रताय हें उतर बोंबलेच्या देंठापासून न्हय, जिबेच्या तोंकार लेगीत हाडपाक मेळनासलें. सपनांत लेगीत ना.

पूत : कोणांक स्वतंत्रतायेचीं सपनां पडनासलीं?

बापूय : (दुबावान) सोंपय तुजे प्रश्न.

पूत : फुडें सांगात बाबा, मनीस कशे जियेताले?

बापूय : सुखान! पोट फुटसर, धेंकर सुटसर खावंक, जेवंक मेळटालें.

पूत : कोणांक उस्तऱ्यां वचनासलें?

बापूय : (तिडकून) तुजे पिरायेक सोबनाशिल्ले प्रश्न तूं विचारता. कोणांक उस्तऱ्यां वचनाशिल्लें म्हणजे?

पूत : सगळे हातूंत समाधानी आसले?

बापूय : समाधान हें मानपाचेर आसता. कांय थोडे असमाधानी आसले.

पूत : कोण ते?

बापूय : तांच्या नावांची वळेरी घेवन बसलां हांव? त्या काळार तांचीं नावां लेगीत घेवपाकं भिरांत दिसताली.

पूत : कित्याक?

बापूय : तांचीं नावां घेतात तांकांच धरून भितर बसयताले.

पूत : पूण बाबा, ते असमाधानी कित्याक आसले?

बापूय : तुकां सांगलें न्हय, समाधान हें मानपाचेर आसता. तांच्या मतान ह्या देशांत पोटाक पोटभर मेळटा खरें पूण फाटल्यान भोंकार खोंट पडटा.

पूत : अशें?

बापूय : हय.

पूत : पूण तशी खोंट पडटाली?

बापूय : (अस्वस्थ) तुजें चड जालें. नाका आशिल्लीं अवचिन्नपणां नाकात रस्त्यार, चल घरा.

पूत : बाबा, म्हाका सारकें सांगात. त्याकाळार पोटभरं खातकच फाटल्यान खोंट बसताली ही. सत खबर?

बापूय : पोटाची खळय भरतली जाल्यार फाटीर मोन्यांनी थोडे वळ उदेवन घेवचे लागतात, अशी त्याकाळार सगळ्यांची वेवहारी समजिकाय आसली.

पूत : आनी हाकाच तुमी सुखाचें जिणें म्हणटाले?

बापूय : म्हणटाले म्हणजे? हांव एकलोंच म्हणनासलों. सगळेच म्हणटाले.

पूत : सगळे न्हय. कांय कांय थोडे म्हणनासले.

बापूय : हय. कांय थोडे.

पूत : बाबा, विचारतां म्हण रागार जावं नाकात. विचारूं?

बापूय : (वग्गी)

पूत : त्यावेळार तुमचेर कितल्यो खोंटो पडल्यो? एकूय पडली ना? अशें कशें जायत! पडल्यो न्हय बाबा?

बापूय : म्हजेरूच न्हय. सगळ्यांचेर पडटाल्यो.

पूत : न्हय. सगळ्यांचेर न्हय. त्या - त्या असमाधानी मनशांचेर पडनासल्यो.

बापूय : ताणी केन्ना घेतल्यो नात. पूण तांकां तेपरस खर ख्यास्त भोगली. पातशायान तांकां जिणूच नाका केली. शिपाय हात धुवन तांचे फाटीक लागले. तांकां तांचे मठये भायरे केले. देशोधडेक लायले. त्यो फाटल्यो गजाली. विसरपाच्यो.

पूत : विसरपाच्यो? कश्यो? ते फाटीर पडटाले ते मार तूं विसरशी?

बापूय : (वग्गी)

पूत : बाबा, त्या मनशांनी कांयच केलें ना अशें तुमकां दिसता?

बापूय : खंयच्या मनशांनी?

पूत : त्या पातशायच्या दुस्मानांनी... तोंडांतलो घांस आनी फाटीवयलो मार जाणीं न्हयकारलो त्या मनशांनी.

बापूय : कांयच केलें ना अशें कशें म्हणप! ते झुजले म्हण तर आमकां ही स्वतंत्रताय पळोवंक मेळ्ळी.

पूत : नाजाल्यार मेळची नासली?

बापूय : तेन्नाची जुलमी शक्त पळयल्यार नाच म्हणचें पडटलें. ताणी, त्या मनशांनी देशाखातीर खूब केलें.

पूत : बाबा, तुमी देशाखातीर कितें केलें?

बापूय : (आकांताचो कांचवेता.) हांवें...हांवें देशाखातीर कितें केलें? एक पूत हो प्रश्न आपणाल्या बापायक विचारता? खरेंच,

हांवें कितें केलें काय ह्या देशाखातीर? म्हणजे तशें दर एकल्यान कितेंतरी करचेंच पडटा? ही नैतीक जापसालकी ताका उखलचीच पडटा? आपणाल्या देशाखातीर? म्हजो देश! मागीर हांवें म्हज्या देशाखातीर, कांयच करूंक ना अशें कशें? हांवें म्हज्या बापायखातीर, आवयखातीर, भांवडांखातीर, भुरग्यांबाळांखातीर कितें ना कितें तरी केलें. पूण देशाखातीर? आपल्याच रगताचो पूत असो प्रश्न केन्नातरी विचारतलो अशी सुलूस आदींच लागिल्ली जाल्यार, कितें तरी करूं येतालें. अवश्य करूं येतालें. पुताखातीर. म्हजी जीण - सगळी जीण ह्या पारतंत्र्याच्या सांवटाखाला पोसली. जायतेदां झिडपली. पूण केन्ना हाय म्हळें ना. सोंशीकपणान न्हय, भिजूडपणान. स्वस्तताय ना जातली म्हण धास्तावलों. उबांतरा पडटलो म्हण संवसार, भियेलों. म्हजेपुरतो विचार केलो हावें. आपसुवार्थी विचार, पुरूशार्थाक लाशें लावपी, कोंडांतल्या किड्याचो हीण विचार. पारतंत्र्यांतले किडे आमी, स्वतंत्रतायेंत पांखां फुटिल्लीं पिसोळीं जालीं आनी कोंडांतले जिणेक विसरून गेले. देशाखातीर, पुता, देशाखातीर तुज्या कर्मदळिद्र्या बापायन कांयच केलें ना. रगतेल्ल्या खिणांबगर म्हजे हे हात अशे निवळ उरले.

पूत : निवळ न्हय बाबा, सासणाचे म्हेळे उरले. बाबा, देशाखातीर केलें ना, जाणीं देशाखातीर सगळ्याचेर उदक सोडलें तांचेखातीर तरी तुमी कितें केलें?

बापूय : ना पुता.

(कांय वेळ पूत वग्गी. बापायक ताचें मोनेपण असह्य जाता.)

बापूय : उलय, उलय पुता.

पूत : बाबा, तुमी म्हजे बापूय म्हण कसल्या उजळ माथ्यान भोंवूं हांव?

बापूय : म्हज्या पातकांचो हिशोब मांडपाक तूं म्हगेर जल्मांक आयला.

पूत : बाबा, ते स्वातंत्र्यझुजारी खंय आसतात?

बापूय : कोणाक खबर! आतांच्या सरकाराक लेगीत खबर ना.

पूत : ते कितें करतात आसूंक जाय? कशे जियेतात आसूंक जाय?

बापूय : कोणांक खबर!

पूत : बाबा, म्हज्या प्रश्नांक अश्यो जापो दिवपाबदला तुमी कित्याक सांगनात, ह्या देशाक इतिहासूच नासलो. हांगा केन्ना कोणाचेर अन्याय जालोच ना. कोण चेपलोच ना. कोणाचें रगत सांडलेंच ना. कोणाचें गठ्ठण जालेंच ना. पारतंत्र्याचो काळोख हांगा केन्नाच नासलो. सुर्या चंद्राचें ज्या दिसा धर्तरेक दर्शन जालें त्या दिसा सावन ह्या देशार स्वातंत्र्याचो लखलखीत उजवाड पडटालो तो आजून मेरेन पडत आसा. (काळोख. उपरांत उजवाड. आदल्या तिठ्यार स्वातंत्र्यझुजारी आनी तो आसात. स्वातंत्र्यझुजारीक आतां नवो नेट आयला. तो थीर.)

स्वा.झुजारी : तुवें पळयलें? म्हजे मुक्तिचो खीण कॅण कसो लख्ख जावन गेलो. आतां मरन हांव. खंतीविरयत मरन. हांवें जें केलें तें फुकट गेलें ना. जांचीं बियां आमी मोखलीं तीं, तीं खंयचेतरी पिळगेच्या काळजांत रूजलीं. जातलो, त्या बियांचो एकदीस मळबाक भीडपी म्हारूख जातलो. खूब जालें! म्हजे सारकिल्ल्याक माथ्या-बोडावयल्यान पुरो जालें! म्हज्या कर्तुबाची जाप दिवपाक हे धर्तरेर खंयच्यानतरी एक आवाज उठटा हें थोडें न्हय. ना, ही भूंय अशी नीसू नपुंसक केन्नाच जावंची ना. हे भुयेंचो तो वांजुडो धर्म न्हय. आतां चलता त्या अधर्माच्या तळाक एक धर्माचो झरो आसा. एक ना एक दीस ताची न्हंय जातली, दर्या जातलो, सागर जातलो. म्हज्या मुक्तिच्या खिणान तुजें तोंड बंद केलें. खूब खूब व्हांवलो तूं. हिसपाभायर व्हांवलो. उलय आतां. कवड्यापोराक कसो पिसूड म्हाका. नाचय म्हजेमुखार म्हज्या पातकांच्यो घुडयो. हुबय म्हजी जीण वाऱ्यार. पातळय उत्ताडार. वाजय,

वाजय म्हजी पावणी. शुन्याक. शुन्याक? हय. हें विश्व, हो संवसार निर्माण जाला त्या शुन्यांतल्यान. तेंच म्हजें मोल. दुसरें आसूंक शकना. हांव कुस्कुट मोलाचोय न्हय? ह्या देशाच्या शिरंतरांतलो हांव एक रगताचो थेंबो. म्हजें अस्तित्व न्हयकारतलो तूं? अधिकार ना तुका. तोंड ना. तुजें तोंड बंद. म्हजेखातीर, सासणाखातीर. हांव जिखलों. आरे, जिखपाखातिरूच हें सगळें होमखण पेटयिल्लें. सगळ्या अन्यायांचो लासून धूप करून जैत जोडपाक.

(भावनावेगांतल्यान भानार येता.) न्हय, पूण हें सगळें मिरोवपाखातीर न्हय. (ताचे पांय धरता.) चूक जाली म्हजी. भोगशीय म्हाका. हे धर्तरेचो सोपूत घेवन सांगतां, हें सगळें केलें - न्हय, घडलेंच तातूंत मिरोवपाचे भावनेचो सुपुल्लो अंशूय नासलो रे. निखालस नासलो. ही सेवा. निस्वार्थीपणाची सेवा, रुजू करून घे.

(काळोख)

(सोंपता)

तो बापूय
धनी पयलो
मॅनेजर दुसरो
ती

तीन मर्णकटो

(एके न्हंयेधडेर उबार असो कटो दिसता. होच मर्णकटो. उदकाचो खळखळ, सुकण्यांचो आवाज. कट्याकुशीक कट्याचो धनी बसला. कांयवेळान कुशिच्यान पावलां वाजतात. तो येता. घामेला.)

तो : हांव आयलां.

धनी : येवपाचोच.

तो : हांवें तुजी पेपरांतली जायरात वाचली.

धनी : सगळेच वाचतात.

तो : म्हाका दिसलें, तुमी म्हाका वाट दाखयत.

धनी : अवश्य. म्हजो धंदोच तो.

तो : धंदो?

धनी : हय. आयच्या काळांत धंद्याच्यो मर्यादा खूब विस्तारल्यात. गरजेप्रमाण नवे नवे धंदे तयार जातात.

तो : हांव जिणेंत खूब निरशेलां.

धनी : तुजी पिराय कितली?

तो : पंचवीस वर्सां.

धनी : तुजी तोखणाय करूंक फाव.

तो : कित्याक?

धनी : ह्या संवसारांत वीस वर्सां भितरूच मनीस निरशेतात. पंचवीस

वर्सां म्हळ्यार तुवें खूब तग माल्लो.

तो : खरेंच. म्हाकाय तशेंच दिसता. हांव आजून मेरेन कसो जितो आसां, ताचेंच अजाप दिसता.

धनी : ताचो उपाय म्हजेलागीं आसा.

तो : तेचखातीर तर हांव इतली वाट माड्डून हांगा आयलां.

धनी : तुजी फावट फुकट वचची ना.

तो : एके फावटीन जातलें? काय परत येवचो पडटलो?

धनी : परत परत फावटी मारूंक लावपाचे धंदे दोतोर आदवोगादांचे. हांगासर पयली फावट तीच निमाणी फावट.

तो : तूं खांपो धन्वंतरी दिसता.

धनी : प्रभुची लीला!

तो : फी आसतली न्हय?

धनी : दर एकल्याक पोट आसता.

तो : हय. ह्या पोटानूच म्हाका हो मार्ग दाखयलो.

धनी : ना. पोट मार्ग दाखयना. पोट निर्माण करता प्रश्न.

तो : हय, ह्या पोटानूच जगचें काय मरचें हो प्रश्न निर्माण केलो.

धनी : बेकार?

तो : सामको बेकार. दुःख विसरपाक सिगरेटचें पोंतेर ओडटलों जाल्यार दमडी ना. पूण तुगेले फिची वेवरथा केल्या हांवें. कितले जातले?

धनी : सवकासायेन. धंदो जरी आसलो तरी पैसो होच म्हजो उद्देश न्हय. पिडेस्तांचें समाधान हीच म्हजी खरी जोड!

तो : आयच्या काळांत ही गजाल मेळपाक खूब कुस्तार. वचत थंय फटींगपणां!

धनी : तूं चड फटावलो?

तो : जिणेंत सामको नागवलों. सगळे धोंगी. दिसता, एक एकल्याचें रूपडें टराटर पिंजून वडोवचें.

धनी : मागीर खंय अडटा?

तो : हात मोटवे पडटात.

धनी : हात लांब करूंक मेळनात?

तो : हात लांब करूंक मेळटात-खोमसाचे.

धनी : तूं खऱ्यांनीच म्हजेकडेन येवपाक योग्य आसलो. तुका कोणे कोणे फटयलो?

तो : कोणा कोणाचीं म्हण नांवां घेवं? पयले सुवातेर ह्या संवसारांत जल्मांक घालून म्हाका आवयन फटयलो.

धनी : खरेंच ह्या संवसारांत तुका जल्मांक घालपाचोच न्हय.

तो : आतां एकूच भरवंसो आसा. तुजेकडसून. तूं म्हाका फटोवचो ना हाची खात्री आसा.

धनी : तुजी खात्री पटली हेंच म्हज्या धंद्याचें व्हडपण. तुजेखातीर हांवें दुसऱ्या संवसाराची तजवीज केल्या.

तो : फी आदीं दिवपाची?

धनी : अर्थांत आदीं पूण इतली ताकतीक नाका.

तो : इतलीं स्पश्टपणां लेगीत ह्या संवसारांत पळोवपाक मेळनात.

धनी : तुजेखातीर ह्या दुश्ट संवसाराचीं दारां सासणांखातीर बंद करूया.

तो : ह्या पाडंग संवसारांत म्हजेखातीर कोणेंच दार काडलें ना.

धनी : शिक्षणाचीं दारां तुजेखातीर बंद आसलीं?

तो : तीं उक्तीं आसून फायदो कितें? संडासाच्या दारांचो उपेग जालो तितलो लेगीत जिणेंत शिक्षणाच्या दारांचो उपेग म्हाका जालो ना.

धनी : बरोच दुखावला.

तो : दुःखाबगर दुसरें कितें आसा ह्या संवसारांत?

धनी : मागीर सुख म्हणटा तें खंय रावता?

तो : तेंच तुका विचारपाक आयलां हांव.

धनी : बरे भशेन. सासणाखातीर त्या सुखाचें दार हांव तुका उक्तें करून दीन.

तो : म्हाका उमळशीक लागल्या.

धनी : तुका मातसो थार धरचो पडटलो.

तो : चड वेळ?

धनी : ना.

तो : जाय जाल्यार चड फी दिवपाक हांव तयार आसा.

धनी : ताची गरज ना.

तो : सगळ्याक अशेंच चलता.

धनी : जाणा हांव. पूण हांगा तशें चलना. हें जिणेचें निमाणे तोंक.

तो : निमाणे तोंक?

धनी : हय. सामकें निमाणे. हांगा सगळ्या दुःखांचो अंत जाता.

तो : आनी सुखाची पालय दिसता, न्हय?

धनी : तुजो पुनरजल्माचेर विश्वास आसा?

तो : ना.

धनी : मागीर हांगा दुःखाचो अंत जाता हेंच निमाणे सत्य.
(तो दुबावता.)

धनी : तुज्या काळजांतली ती आशेची निमाणी कीट पालोवन वडय. ते किटीवांगडा तुजें दुःखय वाडीक लागतलें.

तो : तूं कितें सुचोवंक सोदता?

धनी : तुज्या भल्याचें.

तो : हांवें कितें करप?

धनी : (कट्याकडेन बोट दाखोवन) म्हजो कटो तुजेखातीर सज्ज आसा.

तो : कटो?

धनी : हय. मर्णकटो!
(तो कांचवेता.)

धनी : कसले जीवनाचे आसक्तीन इतलो कांचवेलो?
(तो कडेक वचून कटो नियाळटा.)

तो : हे न्हंयेधडेर हो कटो कित्याखातीर बांदला?

धनी : दुःखी जिणेंतल्यान मुक्ती जोडपाक.

तो : जीव दिवपाक?

धनी : हय.

तो : तुज्या धंद्याचें स्वरूप कितें?

धनी : खंयच्याय धंद्यापरस हो धंदो उत्तो. हेर धंद्यासारकीं तातूंत फटींगपणां नात.

तो : ह्या कट्यावयल्यान जीव दिवप?

धनी : हय. पूण तेआदीं म्हजी फी फारीक करप.

तो : दुडू फारीक करून जीव दिवप्याक एकतर पिशें लागूंक जाय.

धनी : हय. मनशाक मर्णाचें लेगीत पिशेंच लागता. तुंवूय ताका आडवाद ना.

तो : हांव हांगा जीव दिवपाक येवंना.

धनी : हांगा आयिल्लो दर एकलो हेंच सांगतालो.

तो : आनी मागीर?

धनी : आनी मागीर आपखोशयेन ह्या कट्यावयल्यान जीव दितालो.

तो : जीव दिवपाचोच जाल्यार कितले उपाय आसात. वीख खावं येता. बांयत घालून घेवं येता. रेल्वेच्या रूळाचेर मान दिवं येता.

धनी : पूण तातूंत धोको आसा. समजा, तुवें वीख खाल्लें जाल्यार पयल्याच धपक्याक तूं सोंपतलो म्हण कितें भरवंसो आसा? आयच्या काळांत विखांत लेगीत भेसळ आसता. बांयत घालून घेवप सोपें, पूण तेचप्रमाण बांयतल्या मनशाक वांटोवपूय सोपें. अशा वेळार बुडटल्याक वांचोवपाचो लोकांक मोटो किंवाटो येता. आनी रेल्वेच्या रूळार मान दिवप म्हणटा तें एक फकाण. ह्या देशांतल्यो ट्रेनी अमूकच वेळार येतल्यो म्हणपाचो कितें भरवंसो आसा? ह्या सगळ्या उपायांत रिस्क आसा. हांगा तशें ना. ह्या मर्णकट्यावयल्यान एकदां उडी घेतली कीं खलास. मर्ण हो एक पवित्र खीण. तो खीण जोडटना कुडीक वेदना भोगप योग्य न्हय. मर्णकट्यावयलें मर्ण खरेंच भाग्याचें. म्हण चडशे मर्णकार हांगाच येतात. आनी तातूंत, उडी मारतकूच उदकाक तेंकचेआदींच तुजो

जीव गेलो जाल्यार तुजेसारको भाग्यवान तूंच.

तो : मागीर मेल्याउपरांत कितें?

धनी : मेल्या उपरांत कितें? ह्या प्रश्नाक मरतल्याचे नदरेन कसलें म्हत्व आसा?

तो : मड्याचें कितें?

धनी : तें जिते आशिल्ले मनीस पळोवन घेतात. तूं भियेवं नाका. मर्णकट्यावयल्यान जीव दिल्ल्या मनशाचें मडेंच मेळना.

तो : मेळना म्हणजे?

धनी : सकयल न्हंयेंतल्या उदकांत भुकेल्लें नुस्तें आसा. हाडां लेगीत ना करता.

तो : इतली लक्तुबाय करून वाडयिल्लो हो देह नुस्त्याच्या तोंडांत दिवप?

धनी : हांगां उपाशी देह सुण्याचे भकीक घालचेपरस मेल्या उपरांत नुस्त्याच्या तोंडांत दिल्यार कितें वायट? आनी देहाक विटिल्ल्या मनशान?

तो : हांव ह्या संवसाराक विटलां.

धनी : अर्थ एकूच. ह्या संवसारांत तुज्या देहाक सुवात ना. मागीर त्या देहाचें मेल्या उपरांत कितें जातलें हाची चिंता कित्याक? त्या म्हाकवीची गजाल तुका सांगतां. ताणे जिवितभर नुस्त्याचो मोग केलो. (खालें ह्या अर्थान) निमाणे मरताना लेगीत नुस्त्याचो कांटो गळ्यांत आडखळिल्ल्यान मेलो. ताच्या मृत्युपत्राप्रमाण ताचें मडें न्हंयंत नुस्त्याचे भकीक घालें. केदो व्हड विचार! जांच्या मासार आपली कूड पोसली तीच कूड अखेर तांकांच ओपली. आनी अजाप म्हळ्यार ते न्हंयेंतलें नुस्तें जाणी जाणी खाल्लें ते ते कवी जाले.

तो : त्या प्रसिद्ध कविचें नांव कितें?

धनी : कविच्या जीवनांतल्यो फकत असल्योच घटना मतींत दवरपाच्यो आसतात, तांचीं नांवां आनी कविता न्हय.

तो : तूं कितेंतरी कल्पनेभायलें सांगता.

धनी : देखूनच इतले पयस सावन लोक हांगा येतात.

तो : पेपरांतले तुजे जायरातिचो अर्थ कितें?

धनी : तुवें जायरात सारकी वाचिल्ली दिसना.

तो : बेसबरी वाचल्या. तुमकां जीव दीन दिसता? आमकां मेळात.

धनी : मागीर?

तो : म्हाका दिसलें, तूं जीव दिवंक सोदतल्यांक कसलो तरी मार्ग दाखयतलो.

धनी : तुका आदींच सांगलां, म्हजो धंदो उत्तो. सामको उत्तो.

तो : तुज्या धंद्याक लायसन्स आसा?

धनी : लायसन्स नाशिल्ले अशे कितले धंदे चलता.

तो : कायद्यान आत्महत्या करप हो गुन्यांव हें तुका खबर ना?

धनी : आत्महत्या करताना वांचलो जाल्यार गुन्यांव, मेलो जाल्यार मुक्ती.

तो : तुजेर खुनाचो आळ येवंचो ना?

धनी : कसो?

तो : पुलीसांक कळ्यार?

धनी : पूण पुलीस हांगा पावतलेच कशे? इतले पयस येवन खुनाचे धागेदोरे उस्तुवपाक पुलीसांक घरदार, संवसार कांय ना म्हण समजला तूं? आनी वचत थंय संप, मोर्चा, हरताळ चलताना पुलीसांक हांगा आडवाटेन येवपाची गरजूच कितें? आनी आयलेच जाल्यार बोल्स घट करून वतले. तांकां तरी नितिचो पातसो कित्याक बादचो?

तो : हय. तें म्हज्या दोळ्यांनी देखलां हांवें.

धनी : अणभव आसा मरे? मागीर असो कूळ खबर आसून खूळ कित्याक पागुरता? आनी म्हाका एक सांग - आत्महत्या हो गुन्यांव हें कोणे थारायलें? तांकां केन्ना आत्महत्त्येची गरज भाशिल्ली? जीव दिवपाचें म्हत्व पटिल्लें? समजुंया, त्या कायदेपंडितांच्या जाग्यार तूं आशिल्लो जाल्यार कसलो निर्णय घेतलो आसलो?

तो : हांव आत्महत्त्येक चडानचड उत्तेजन दितलो आसलों.

धनी : म्हणटकच जीव दिवप गुन्यांव हो कायदो काळाभायरो जालो ना?

तो : ह्या संवसारांत जल्मांक येवपूय गुन्यांव आनी मरपूय गुन्यांव.

धनी : आतां फाटले उगडास काडून चित्तांत अशांती निर्माण करूं नाका. मन नितळ कर. आतां तूं एका नव्या संवसारांत पावल दवरपाक मुखार सरला.

तो : (कांचवेवन) ना. ह्या कट्यावयल्यान जीव दिवपाक म्हज्यान जावचें ना.

धनी : पिसो! हो कटो सादो न्हय. नव्या संवसाराचें प्रवेशद्वार. माथ्यावयलें उत्कें मळब, तुका निमाणो आशिर्वाद दितलें. न्हंयचे देगेवयलीं झाडां, तुका खांदयो हालोवन निमाणो निरोप दितलीं. झाडांवयलीं सुकणीं तुजेखातीर निमाणी प्रार्थना म्हणटलीं. आनी सकयली खळखळटी निळी न्हंय, संवसारांत तुजे आवयन तुका घेतलो ना तितल्या मोगान तुका अचळय गोपांत घेतली.

तो : (गोंदळून) ना!
(कांय वेळ दोगूय वग्गी.)

तो : जाय जाल्यार हांव तुजी फी फ्रारीक करतां पूण म्हाका मर्णाचो फोर्स करूं नाका. म्हाका मरपाचें ना. तुजी फी घे.

धनी : शिकनासताना लेगीत टर्म फी फारीक करची पडटा ती कॉलेजची. मर्णकट्यार असलीं नाडंगपणां चलनात. तुका मरपाचें नासल्यार तुज्यान परत वचूं येता.

तो : खऱ्यांनीच?

धनी : हय. हांवें तुका बांदून थोडोच घातला!

तो : (वचपाक वता. थारून) पूण तुका भिरांत दिसना?

धनी : कसली?

तो : हांव तुजी गजाल सगळ्यांक सांगत म्हणून?

धनी : तातूंत भिवपाक कित्याक जाय? म्हजी फुकटांत जायरात

जातली.

तो : तरीपूण कायद्याचे वाटेन?

धनी : तेविशीं तुका हांवें आदींच सांगलां.

तो : तशें न्हय, हांव एक जुवान, तरनाटो. तुवें चलयिल्ल्या ह्या अन्यायाआड आवाज उठयन म्हणपाची भिरांत तुका दिसना?

धनी : (हांसत) तुजें कट्टें तरनाट्याचें, काळीज जड्ड्याचें! तूं कसलो जुवान? आनी अन्यायाआड आवाज उठोवपाचो आसल्यार तूं हांगां म्हाका सोदीत कित्याक येतलो आसलो? तूं जियेतालो थंय अन्याय थोडो आसलो? थंय अन्यायाचो उजो पेटिल्लो. मोन्यानी तो हुलप तुवें सोसलो. आरे, जाचो आवाजूच बसला तो आवाज कसलो उठयतलो कर्माचो? आनी तुजेसारके तरनाटे जल्माक येवंक नाशिल्ले जाल्यार हो मर्णकटो बांदपाची म्हाका कसली गरज आसली?

तो : (निरशेवन कूस मारता.) हांव वतां.

धनी : बरेभाशेन. जंयसावन आयला थंय चल. सुखान राव.

तो : सुखान? थंय सुखाचो विलय जाला.

धनी : शे! शे! थंय सुखाच्यो खणी आसात.

तो : सुखाच्यो न्हय. विखाच्यो.

धनी : थंय तुजेखातीर मान आसा, प्रतिष्ठा आसा.

तो : फट! थंय मनशाक प्रतिष्ठा ना. पैशांक आसा. जनावरांक आसा. फॉरेन सुण्यांक हांडीर मारून वचपी बायलेक वालेतींत पडिल्ल्या सुण्यापाश्ट मनशाची काकूळट येना. अशा देशांत सुखान नांदतलो जाल्यार फॉरेन सुण्याचो जल्म मेळपाक जाय.

धनी : थंय जाय तसल्यो चाकऱ्यो आसात. जाय तश्यो मेळटात.

तो : हेंवूय फट! चाकऱ्यो आसात पूण त्यो जाय तांकां केन्नाच मेळनात.

धनी : मेळटात.

तो : (तीडकून) मेळनात. म्हजेपरस अदीक तूं जाणां? हांव वर्सांचीं

वर्सां त्या चक्रांत भङ्डत आसां.

धनी : लायकी लागता.

तो : न्हय, नालायकी लागता.

धनी : अपेशी जाला जायत!

तो : कितले फावटीं? कट्टुलार अपेशाचो शिक्को मारूनच आमी जल्मल्यात!

धनी : जोतीं चड झरलीं?

तो : एक्कूय झरले ना. कारण पांयांक घालपाक जोतेंच नासलें. पांयांचे तळवे मात झरले.

धनी : एक अणभव तरी सांग.

तो : काणयो दिसतल्यो.

धनी : काणयेंतल्या राजकुंवरा, एका इंटरव्ह्यूची काणी सांग.

तो : तो आयुश्यांतलो निमाणो इंटरव्ह्यू. निमाणो म्हण थारावनूच गेल्लों. पयलेंच नांव आयलें. भितर गेलों. मुखार कोण नासलो. बसलों. कांय वेळान मुखार येवन बसलो - मॅनेजर नांवाचो सुटाबुटांतलो प्राणी. ताका हांवें कसो चक्रावचो! (फाटलो प्रसंग. 'तो' न वळून उलयिल्ले संवाद धनयाखातीर, पूण मॅनेजराक लेखून.)

मॅनेजर : तुजें नांव?

तो : (वळून) मस्णो!

मॅनेजर : कितें शिकला?

तो : (वळून) बॉड!

मॅनेजर : तुका आयकूंक येता न्हय?

तो : (वळून) कानांत घालूंक भिण्णेल आसल्यार दी!

मॅनेजर : गांवान खंयचो?

तो : (वळून) तुगेल्या मावोडचो!

मॅनेजर : रावता खंय?

तो : (वळून) तुज्या बेडरूमांत!

मॅनेजर : सद्याक काम कितें?

तो : (वळून) तुजे बायलेचें समाधान करप!
मॅनेजर : एकाय प्रश्नाची जाप तूं दिना.
तो : (वळून) तुका म्हजे सर्विसेचें पडूंक ना तशें तुज्या प्रश्नांचेंय म्हाका पडूंक ना.
मॅनेजर : तूं हांगा आयला तरी कित्याक?
तो : (वळून) हेर सर्विसांसारकी हिवूय सर्विस म्हाका नाका हें सांगपाक!
मॅनेजर : ह्या कामाचो कितल्या तेपाचो अणभव आसा?
तो : (वळून) णव म्हयन्यांचो. आवयच्या पोटांतसून शिकून आयलां.
मॅनेजर : हे सर्विसेक ट्राय करपाफाटलें कारण कितें?
तो : (वळून) फॉल्ग!
मॅनेजर : सद्याक भारताचे प्रधानमंत्री कोण आसात?
तो : (वळून) तुजो बापूय!
मॅनेजर : सद्याचें आमचें परराष्ट्र धोरण कितें?
तो : (वळून) हांगा परराष्ट्रमंत्र्याची व्हॅकन्सी आसा?
मॅनेजर : भारत-पाक संबंदाविशीं सांगशी?
तो : (वळून) तुज्या म्हज्या संबंदाविशीं सांगूं?
मॅनेजर : आमच्या तिरंगी बावट्यांत कितले रंग आसात?
तो : (वळून) सात.
मॅनेजर : तूं हांगा इंटरव्ह्यू दिवपाक आयला काय आमचीं फकाणां करूंक? एकाय प्रश्नाची जाप तूं दिना. येवन बसला घुगमो कसो. तुजेसारके बेकार ना हांगा कोण! इतले लोक भायर लायनींत रावल्यात ते दिसना? फुटल्या दोळे? सादे मॅनर्स नात. सर्विसो फुकट मेळटात? फालतू गजालीखातीर वेळ ना हांगा. चल.
तो : (मॅनेजराक) वचना.
मॅनेजर : तोंड आसा तर तुका.
तो : हय. तुजे गंवटेक घांस मारपाइतलें आसा.
मॅनेजर : फकाणां बंद कर.

तो : ते पयलीं तुजें तोंड बंद कर. कोण करता फकाणां? हांव? काय तूं? इंटरव्ह्यू घेता! तुज्या ह्या रूपड्यापोंदा कितें दडलां तें खबर ना म्हाका? म्हजेसारको बेकार ना तूं न्हय? हांव आसाच बेकार. कितलीशींच वर्सां बेकार म्हणून तर ह्या ऑफिसाचीं सोपणां झरयतां. तूं दिता म्हाका सर्विस? आसा तुजेकडेन? खंयची आसतली? ती कोणाक दिवपाची तें आदींच थरलां. सर्विसो फुकट मेळनात! आमकांय खबर आसा. तेखातीर बोल्सां भरचीं पडटात. गुड्डे घालचे पडटात. सांगात, सरळ सांगात - एक एक गुड्डो कितल्या रूपयांचो? बोल्सांत कोणाच्या घालपाचें? वाडी कोणाक दवरपाची? हें सगळें आदीं सांगात. ताकता जाल्यार आमी तशें करता आना मागीरच येतां इंटरव्ह्यूक. हें इंटरव्ह्यूचें नाटक कित्याक? कोणाच्या दोळ्यांक उदक लावपाक? समाजाक, सरकाराक फटोवपाक? आमचे सोंशिकतायेचो अंत पळोवपाक? आमच्या निलाजऱ्यापणाच्यो भगल्यो मारपाक? प्रश्न विचारता! नांव, गांव, शिक्षण! अर्जाचेर बरयलां तें कितें? डिग्रीचीं सर्टिफिकेटां जोडल्यांत तीं धुवंक घालपाक? विचारपाक जाय म्हण तोंडाक येता तें विचारप! तिरंगी बावट्यांत कितले रंग आसात? तिरंगी बावट्यांत तीन रंग आसात. एक म्हज्या सांडूंक नाशिल्ल्या रगताचो, दुसरो म्हज्या फुलूंक नाशिल्ल्या शेताचो, आनी तिसरो म्हज्या पडूंक नाशिल्ल्या उजवाडाचो.

मॅनेजर : गेट आवट.

तो : यू गेट आवट फस्ट.

(मॅनेजर रागान उठून वता.)

(फाटलो प्रसंग सोपता. आसा तशे तो आनी धनी.)

धनी : मॅनेजराक तुवें बरोच चक्रायलो.

तो : उपेग कितें? सर्विस दिना जावन ताणे म्हाका चक्रायलो.

धनी : झगडलेबगर कांय मेळना.

तो : हांव झगडलों. म्हाका खंय कितें मेळ्ळें?

धनी : एकोडो झगडून उपेग कितें?

तो : थंय आपलेशिवाय कोणांक कोणाचें पडूंक ना. आपणाल्या घराक उजो पेट्टा तेन्ना भायर सरून बोबो मारतात पूण दुसऱ्याचेर आकांत कोंसळटा तेन्ना आपणालीं दारां धापून भितर रावतात.

धनी : हाका तूं आडवाद आसलो?

तो : हांव कित्याक आसतलों?

धनी : (हांसता)

तो : तूं हांसता?

धनी : मागीर कितें रडूं?

तो : आपणाल्या दुःखाचो चुरको दुसऱ्याक येना हेंच खरें.

धनी : म्हाका तुजें दुःख कळटा.

तो : मागीर हांसता कित्याक?

धनी : हांवें एकदां आयकल्लें,

तो : कितें?

धनी : हांसतकूच मनशाची पिराय वाडटा खंय.

तो : सरणाचेर पोळी भाजून खावप्याची जात तुजी.

धनी : तुका जाय तें म्हण.

तो : खरें म्हळ्यार म्हाका धीर दिवपाचो तुवें.

धनी : हांवें तुका मार्ग दाखयिल्लो.

तो : कसलो मार्ग?

धनी : (बोट दाखोवन) मर्णकट्याचो.
(दोगूय कांय वेळ वग्गी.)

धनी : चल, परत चल तुज्या संवसारांत. सर्विस नासूं, ती तरी आसतली.

तो : ती कोण?

धनी : तुजी मोगिका - लव्हर.

तो : तुका कशें कळ्ळें?

धनी : अणभवान.

तो : तुवें केन्ना मोग केल्लो?

धनी : हांव फक्त दुसऱ्याच्या मर्णाचो मोग करतां.

तो : मागीर तुका कशें कळ्ळें?

धनी : हावें आयकल्लें - कॉलेजचें एक सोपण चडनाफुडें तरनाटे मोगाचीं दोन सोपणां हुपतात.

तो : खरें तुजें. (फाटल्या सुखदिण्या जिवितांत वचून) आमचें कितें जालें जाणा?

धनी : हिंदी सिनेमा जालो.

तो : बंडल.

धनी : कितें?

तो : सिनेमा बंडल. आमचो मोग खरो.

धनी : सांग.

तो : पयलीच भेट! कॉलेजच्या ऑफिसाचो कावंटर! ऍडमिशन फॉर्म भरपाक चल्याचलयांची झुंडी. जो तो आपणाल्या विचारांत. हांवूय एका कोनशाक उबों, गर्दी केन्ना उणी जायत हाची वाट पळयत. इतल्यान एके चलयेन अचळय म्हज्या भुजाक बोट तेंकोवन म्हळें,

धनी : ऍक्स्क्युज मी, वील यू प्लीज गीव मी ए पेन?

तो : एक्झेक्टली. तुका कशें कळ्ळें?

धनी : सोपी गजाल. पेन सोडून चलयांकडेन हेर सगळ्यो वस्तू आसतात.

तो : हांवें झट् करून पेन काडून ताका दिलें.

धनी : काळीज काडून दिवचें तशें!

तो : तूं बरोच रंगेल दिसता.

धनी : प्रेमस्य कथः रम्यम!

तो : पेन दिलें. पूण काळजांत खपखप! पेन लागना जाल्यार?

धनी : नवें आसलें?

तो : नवेंच, पूण वापरूं नासून पोरणेच आसलें. ताणे बकल काडलें. काळजाचें धाकणे उकतें जालें. नीब फॉर्मार तेकयली.

हांव मातसो बागवलों. आरे कर्मा! पेन लागना. एकदां फापुडलें. दोनदां फापुडलें - मदींच म्हजेकडेन पळयलें. ती नदर! म्हाका लजेक म्हारग जालें. पेन तिसरे फावट फापुडलें. आनी अजाप! पेन लागलें. आनी तूं जाणां? तेन्नासावन हांव कसलेय गजालींत तिसरो चान्स घेतां. पयल्याच वर्सा फेल जालों. दुसऱ्याय वर्सा तशेंच. निरशेलोना. तिसऱ्या वर्सा बसलों आनी तेंच अजाप. सहजतायेन पास जालों. पूण हें म्हत्वाचें न्हय. पेनाची गजाल सांगतालों. ताणे म्हगेल्या पेनान आपणालें नांव बरयलें. हांव धन्य जालों. सार्थक जालें अशें दिसलें.

धनी : कसलें?

तो : पेनाचें. अक्षर व्हडलेंशें सुंदर नासलें.

धनी : सुंदर चलयांचें अक्षर वायट आसता.

तो : हां, हां, तेंच. आनी तूं जाणा? त्या दिसा हांवें ताका सर्वस्व दिल्लें.

धनी : म्हणजे तुज्या सर्वस्वाचो खंयचो पार्ट?

तो : फकाणां न्हय. तेन्ना म्हजेकडेन तें पेनूच एक वस्त म्हजी आसली. बाकी मुस्तायकी, पुस्तकां सगळीं बापायचे जोडिचीं. आनी तूं जाणा? एका श्रेष्ठ धर्माच्या संस्थापकान कितें म्हळां तें? नांव खबर ना म्हाका ताचें. ताणे म्हळां - जो आपणालें सर्वस्व दिता तो खरें दान करता.

धनी : ताणे पेन परत केलें ना?

तो : तीच तर मजा! पेन दिवपाचें तें विसरून गेलें आनी कितें विसरलें तेंच ताका कळ्ळें ना.

धनी : कितें विसरलें?

तो : आपणालें काळीज म्हजेकडेन विसरून गेलें. फुडली सगळी प्रेमकथा त्या पेनानूच बरयली.

धनी : पेनाची शाय खंय सोपली?

तो : म्हळ्यार कितें?

धनी : प्रेमभंग!

तो : (निराशेन) प्रेमभंग म्हजो जालो.

धनी : प्रेम दोगांयनी केल्लें.

तो : हय. तरीलेगीत प्रेमभंग म्हजो एकल्याचोच जालो. त्या दिसा सद्च्या जाग्यार आमी दोगांय मेळ्ळीं.
(फाटलो प्रसंग. तो ती एकामेकाक मेळटात.)

ती : इंटरव्ह्यूचें कितें जालें?

तो : सदांसारकें.

ती : इतले सहजतायेन सांगता?

तो : मागीर कितें हामेल मारूं?

ती : तुजेकडेन उलोवपासारकें ना.

तो : उलोवं नाका.

ती : उलयनासून प्रश्न सुटना.

तो : मागीर उलय.

ती : तरी फकाणां. हांव सिरीयस जालां.

तो : हांव कितें करूं?

ती : तुंवूय सिरीयस जा.

तो : जालों.

ती : म्हज्या घरांत म्हज्या लग्नाचीं उलोवणी चलतात.

तो : मागीर?

ती : मागीर कितें? बापायन म्हाका विचारलें, म्हज्या मनांत कितें आसा काय म्हणून.

तो : तुवें कितें जाप दिली?

ती : तुजे नदरेन कितें जाप दिवपाची सांग?

तो : बापायक म्हजें नांव सांगपाचें.

ती : हावें सांगलें ना.

तो : कित्याक?

ती : कित्याक म्हण म्हाका विचारता? तुज्या मनांक विचारून पळय.

तो : पूण आजूच म्हज्यांत अशें कितें उणे जालें?

ती : आजूच कित्याक? सदांच आसा.

तो : कितें?

ती : तुजी बेकारी.

तो : लग्न म्हजेकडेन जातलें.

ती : आनी खातलें कितें? मुक्ताफळां?

तो : हें कळपाक तुका इतलीं वर्सां लागलीं?

ती : गिन्यानाचो दिस्टावो एका खिणांतूय घडटा.

तो : हें गिन्यान काय वेवहार?

ती : वेवहारी गिन्यान.

तो : आमी घेतिल्ले ते सोपूत?

ती : खंयचे सोपूत?

तो : तेमयेवयल्या मोडक्या देवळांत घेतिल्ले सोपूत - एकामेकाक सोडचींना म्हणून.

ती : तेन्ना तेमयेर आशिल्लीं. आतां मुळसांत पावलीं. आनी तूं नकळो, तें आतां मोडकें देवूळ उरूंक ना. ताची बांदावळ सिमेंट कोंक्रिटान केल्या.

तो : म्हजेखातीर तें मोडकें देवूळच उरलां.

ती : तुजे विचारूच पोरणे.

तो : हें तुका आतां कळटा?

ती : तेन्नाय कळटालें आसुंये.

तो : मागीर सांगलें ना कित्याक?

ती : तेंच कळना.

तो : म्हाका सगळें कळटा.

ती : कितें?

तो : तूं उदेत्या सुर्याक नमस्कार करूंक सोदता.

ती : मागीर तुगेलो सुर्या उदेना ताका हांव कितें करूं?

तो : तुका मातूय धेक ना?

ती : कसलो?

तो : आमी इतलो मोग केलो.

ती : मागीर तुका धन्य दिसूंक फाव.

तो : कित्याक?

ती : एका बेकार मनशावांगडा हांवें इतलो तेप मेरेन मोग तिगून दवरलो.

तो : मजनू बेकारूच आसलो.

ती : तेन्नाची हवाच वेगळी. हवा गिळ्ळयारूय पोट भरतालें.

तो : खरें तुजें. तेन्नाची हवा वेगळी. नितळ. आतांची दुशीत. कोणाच्या उस्वासांत कसलें विखयाळेपण आसत म्हणपाचो भरवंसो ना.

ती : नाच.

तो : हांव तुका लेखून म्हणटां. तुवें म्हाका फटयलो.

ती : केद्यान आड्‌डता रे?

तो : आतां काळजी नाका म्हजी.

ती : तुजी न्हय, म्हजी काळजी घेतां हांव.

तो : आपसुवार्थी!

ती : तसो तुंवूय आपसुवार्थीच.

तो : कसो?

ती : बेकार आसून म्हजेकडेन लग्न जावंक सोदता हो आपसुवार्थ न्हय?

तो : पुरो कर. बेकार! बेकार! बेकार म्हळ्यार अस्पृश्य! बेकार म्हळ्यार पिडेस्त! म्हारोगी! समाजाक लागिल्ली कीड! बेकार म्हळ्यार नालायक! नपुसंक!

ती : हांवें तुका नपुसंक म्हणूंना आं.

तो : कशें म्हणटलें?

ती : वचूं हांव?

तो : विचारता कित्याक?

ती : परत आनीक केन्नाच विचारचें ना म्हणून.

तो : अशें उलोवन काळजाक परत मोयपासाचे दोर बांदूं नाका.

ती : काळीज घट कर.

तो : तितलें तरी म्हजेखातीर माग.

ती : अवश्य मागन. हावेंय तुजेर एका काळार मोग केल्लो. पूण तो वेवहाराचे फास्केंत बसलो ना. आय ॲम सॉरी. (वता.) (फाटलो प्रसंग सोंपता. आसा तशे तो आनी धनी.)

धनी : आदले मनीस आतां उरूंक नात.

तो : खरें तुजें. मनशाच्या मनीसपणाची घसरण जायत आसा. आदली आसा फकत धर्तरी, दोंगर, झाडां -पेडां.

धनी : आनी उदक.

तो : म्हाका तान लागल्या.

धनी : कसली?

तो : कसली म्हणजे? उदकाची तान लागल्या.

धनी : हांव समजलों, मरणाची तान लागल्या. ती तान सामकी खर.

तो : हांवें तुका आदींच सांगलां, म्हाका मरपाचें ना.

धनी : जगून कितें करपाचें आसा?

तो : खबर ना.

धनी : जिविताची इतली आसक्ती हांवें पळयली ना.

तो : हांवें संवसारांत भोगलां कितें?

धनी : दुःख!

तो : हय, फक्त दुःख. तेभायर आनीक कांयच पळोवंक ना.

धनी : आनी तें केन्ना मेळपाचेंच ना.

तो : कित्याक?

धनी : नाच तें खंय सोदूंक भोंवतलो?

तो : मागीर हांवें करप तरी कितें?

धनी : (कट्याकडेन बोट दाखयता.)

तो : ना.

धनी : निलाजरो! समाजान तुका हीण लेखलो. शेंकड्यांनी ऑफिसाचीं सोपणां झरयलीं पूण कोणेंच तुका चाकरी

दिली ना. तुज्या दुःखान कोणाचें काळीज मात लेगीत हाल्लें ना. जीव तोडून मोग केलो ते मोगिकेन तुका कितें दिलें? तिगेल्या वेवहारांत तुगेल्या मोगाची हार जाली. अखेर प्रेमभंग तुजो एकल्याचोच जालो. सर्विस नासून तुजे भुकेक मोल ना. आनी मोग आसून तुज्या काळजाक मोल ना. आनीक उल्लें कितें ह्या संवसारांत? मनीस आनीक ह्या संवसारांत दुसरे कसले गजालीखातीर जियेता?

(कांय वेळ दोगूय वग्गी.)

धनी : जिणेवयली तुजी आशा फक्त एके गजालीखातीर वाडूं येता.

तो : (खंयचे?)

धनी : अशा वेळार आपणालें रगतूच पावता. आवय आसा?

तो : ना.

धनी : बापूय?

तो : आसा.

धनी : मागीर बापायखातीर तुजें काळीज फाटीं सरता.

तो : ना.

धनी : जावं येता. अशा वेळार तोच तुजीं दुकां पुसपी आदार.

तो : उगडास काडूं नाका ताचो.

(फाटलो प्रसंग. तो आनी बापूय)

बापूय : ही तरी सर्विस मेळपाची आस्त आसा?

तो : ना. निखालस ना.

बापूय : कितल्यावी खेप ही?

तो : उगडास ना.

बापूय : मागीर कसलो उगडास आसा?

तो : (वग्गी.)

बापूय : घरा परत येवपाचो ब़रो उगडास उरलो.

तो : कितें करपाचें?

बापूय : एका बेकार मनशाक हें हांवें सांगचें पडटा? कसलोय धंदो कर.

तो : ताका भांडवल लागता.

बापूय : पयलीं अक्कल लागता.

तो : कोणाक नागोवं?

बापूय : कोण बदचो ना तुका. तुवें नागोवापचो म्हाका.

तो : सकाळीं बोल्सांतले दोनूच रूपया काडिल्ले.

बापूय : सगळे काडिल्ले.

तो : न्हय, फकत दोनूच रूपया.

बापूय : हय. दोनूच रूपया. तितलेच आशिल्ले बोल्सांत. आतां हांव कोणांक नागोवं तें सांग. कितलें म्हण सोसूं रे हांव? म्हजे जोडीर तुवें जियेवपाचें रे? तूं जल्माक आयला त्या दिसा कितली खोस जाल्ली! घराक दिवो आयलो. बापायक पोसपाक पूत आयलो. फुडाराचो परजळ आयलो. कसल्यो कसल्यो कल्पना केल्ल्यो! तुवें सगळ्यो मातयेंत भरशिल्यो. तुज्या पडट्या पावलाक जैतूच ना. इतलो दळडिरो मनीस हांवें उबे पिरायेंत पळयलो ना.

तो : तुजोच पूत हांव.

बापूय : तें न्हयकारपाक येना हें दुर्दैव म्हजें.

तो : तुज्यो वेदना म्हाका समजतात.

बापूय : वेदना समजून उपेग कितें? गरज आसा वेदनेवयल्या उपायाची. तुका शिकयलो हें बरें केलें ना.

तो : कित्याक?

बापूय : घडये शिकना जाल्यार कसलेंय मेळटा तें काम करतलो आसलो. कसली पाडी बुद्ध जाली आनी तुका शिकयलो. आनी तुका डिग्री मेळ्ळी थंयच कपल फुटलें म्हजें.

तो : ते डिग्रेक खाता कोण?

बापूय : देखूनच नाका आशिल्ली ती. पुताक डिग्री आसा हें सांगपाक तोंड ना म्हाका. डिग्री जोडली ती जोडली, मोग आनी केलो.

तो : ना, तें प्रकरण मिटलें आतां.

बापूय : म्हणजे प्रकरण जायसर मोग केलो?

तो : तशें न्हय, मोग सोडलो हांवें.

बापूय : मोग सोडलो काय ताणे तुका सोडलो?

तो : तुमकां कशें कळ्ळें?

बापूय : बापूय म्हण दुर्दैवान तुज्यो सगळ्यो गजाली कळटात म्हाका. बरें केलें ते चलयेन. अकलेन वागलें. आयच्या काळाक सोबशें पावल उबारलें ताणे.

तो : म्हाका चाळयता?

बापूय : हांव न्हय, परिस्थिती.

तो : ताचें बरें जांव!

बापूय : जातलेंच. ताचें लग्न लेगीत थारलां.

तो : कोणाकडेन?

बापूय : काल तूं जे सर्विसेच्या इंटरव्ह्यूक गेल्लो, ती सर्विस जाका मेळ्ळ्या त्या चल्याकडेन.

तो : म्हणजे सर्विस पयलींच मेळिल्ली?

बापूय : हय. आनी सर्विस मेळटकूच चली मेळपाची आशिल्ली.

तो : नशीब एकएकल्याचें.

बापूय : तूं नशिबाचेर पातयेवन राव. लोक हांगा नशिबां बदलून वडयतात.

तो : म्हज्या नशिबाची जातूच वेगळी. तें बदलपाचें ना.

बापूय : पीडा बऱ्याची न्हय जाल्यार दुसऱ्यापासून त्या पिडेस्ताक पयस दवरतात.

तो : हांव कितें करूं?

बापूय : परत परत हो प्रश्न म्हाका विचारून म्हजी तकली बेजार करूं नाका.

तो : निमाणे एकदांच सांगात, हांव कितें करूं?

बापूय : म्हाका पोसून तुज्यान संवसार चलोवंक जायना हें तर सिद्ध जालेंच. आतां खंयचेय परिस्थितींत म्हज्या माथ्यावयलें तुजें वजें सासणाखातीर काडून घे. जायते उपाय आसात.

जायते उपाय आसात. (बापूय वता.)

(फाटलो प्रसंग सोपता. आसा तशे तो आनी धनी)

धनी : थू ऽऽ थू ऽऽ तुजे जिणेचेर! खंयच, कोणेच तुका जगपाखातीर आस्त दाखयलीना. तरी लेगीत ते दळडिरे जिणेचेर मोग करता. त्या रेब्यांत कसलें सुख? 'कसली ओड ते घाणिची? तेन्नाच कुशीक सरपाचो तूं. दुबळो तूं. शक्तिहीण देखून असो फाटीं रावलो. मरपाच्यो कितल्यो संदी वगडायल्यो तुवें. खरो दुर्भागी तूंच. म्हाका दिसता, ही तुका निमाणी संद. तुज्या रगताच्या बापायन लेगीत तुका मर्णाची वाट दाखयल्या. ते वाटेकडेन आडनदर केल्यार तुजेसारको कपलफुटको तूंच.

तो : म्हाका तान लागल्या. म्हाका मातसो विचार करूं दी.

धनी : असल्या निमाण्या वेळार विचार कसलो कर्माचो करता? हो खीण हातांतसून गेल्यार जल्मभर पस्तावतलो. कपल फोडीत आनी दुकां गळयत ह्या संवसारांत राती सारच्यो पडटल्यो. किड्याचे अवतिकायेन जियेवचो पडटलो.

तो : (फाटीफुडें जाता.) म्हाका तान लागल्या.

धनी : चल, सर मुखार. हे भांगरासंदिचो लाव घे. पळय, म्हजो मर्णकटो तुका येवकार दिवंक तयार आसा. आयक, न्हंयेच्या ल्हारांचो आवाज आयक. तीं ल्हारां आपणालीं भुजां वावडून तुजेखातीर तिश्टत रावल्यांत. पळय, पळय तीं न्हंयेदेगेवयलीं झाडांपेडां तुजेखातीर धोलूंक लागलीं. आयक, सवण्यांनी तुजेखातीर निमाणी प्रार्थना सुरू केली. पळय, पळय वयर नक्षत्रां, घणघणीत सुर्या तुज्या माथ्यार रकलो. ह्या सगळ्यांचे गवायेन तुजे प्राण ओंप. मेळय मुक्ती! खरेंच तूं भाग्यवान! आयच्यासारको इतलो प्रसन्न दीस ह्यानपयलीं केन्नाच उदेलो ना. आयज जे जे प्राण ओंपतले ते ते सुखाक पावतले. आयज मर्णकट्यार मर्णकारांची दाटी जातली. आयज पयलो मान तुका मेळटा. अशी संद आयुश्यांत एकदांच येता. ही

संद वगडावं नाका. हारतलो, सामको हारतलो.

(एकलो धावत येता. ताणे दोळे धांपल्या.)

पयलो : कट्याच्या धनयां, कट्याच्या धनयां.

धनी : कितें जालां?

पयलो : हांव मरपाक आयलां. म्हाका मुक्ती जाय.

धनी : आदीं दोळे उक्ते कर.

पयलो : ह्या दुश्ट संवसाराचेर नदर घालपाची म्हाका इत्सा ना. आतां कुडींतल्यान प्राण गेलेबगर दोळे उक्ते करचों ना.

धनी : तुका मातसो रावचो पडटलो.

पयलो : ना. मात्तूय थार धरपाक म्हज्यान जावचें ना. हांव तुज्या पांयां पडटां. (जळपून) खंय आसा तुजे पांय?

धनी : पांयां पडपाची गरज ना.

पयलो : हांव तुजी फी दितलों.

धनी : ती सगळेच दितात.

पयलो : चड दितलों.

धनी : तीं नाडंगपणां हांगां नात.

पयलो : तुका कसो समजांव?

धनी : तुवें हो उपाय कित्याक आपणायलो?

पयलो : आनीक दुसरो कसलोच उपाय नासलो. आनी जिणेंत जेन्ना जेन्ना निरशेलां, तेन्ना तेन्ना मर्णाचोच हो उपाय म्हाका बऱ्याक पडला. तुजी फी कितली?

धनी : हो धंदो फकत पैशांखातीर न्हय. गिरायकाक ताच्यावंगडा समाधान मेळूंक जाय आनी तें लेगीत समानतायेन. हांगां तसली गुड्डेगिरी ना. चिनी भाशेंत एक म्हणणी आसा - जो पयलीं येता तो पयलीं दळण दळूंक पावता.

पयलो : म्हाका चिनाचें पडूंना. म्हाका म्हज्या मर्णाचें पडलां.

धनी : थार धर. मातसो थार धर.

पयलो : हे धर्तरेवयलो एख एक खीण म्हळ्यार एक एक युग. म्हाका ह्या दुःखान असो युगाचीं युगां तिश्ठत दवरूं नाका. हांव

विनयतां तुका म्हाका मातसो आदीं आविंयार कर.
(दुसरो मनीस दुसरे वाटेंतसून येता.)

दुसरो : तुमचेमदलो कट्याचो धनी कोण?
धनी : कोण कसो दिसता?
दुसरो : पळय, फकाणां मारून घेवपाक म्हाका वेळ ना. म्हजें ताचेलागीं काम आसा.
धनी : सांग.
दुसरो : हाचे हुजरा?
धनी : धंद्याबगर आनीक कसलीं कामां करपाक म्हाका फुरसत ना. आनी म्हजो धंदो तर सामको उत्तो.
दुसरो : हांव कानांत सांगतां.
धनी : सांग.
दुसरो : (धनयाच्या कानांत) म्हाका मरपाचें आसा.
धनी : हातूंत लिपोवपाचें कितें आसा? मरपाचें सगळ्यांकूच आसा.
दुसरो : पूण म्हाका मातशी ताकतीक आसा.
धनी : ताकतीक सगळ्यांकूच आसा.
पयलो : हांव हांगां पयलीं आयलां.
दुसरो : तुंवूय मरपाक आयला?
पयलो : मागीर कितें गजाली मारपाक आयलां?
दुसरो : तूं गजाली मारीत बस, ते म्हणसर हांव मरून येतां.
पयलो : फकाणां करूं नाका आं. दोळे धांपल्या म्हण वगी आसां.
दुसरो : तुवें दोळे कित्याक धांपल्या हें लेगीत विचारपाची म्हाका इत्सा ना.
पयलो : आनी म्हाका सांगपाचीय ना.
दुसरो : धनया, म्हाका पयलीं निबाय.
पयलो : ना, पयलीं म्हाका.
दुसरो : ए ऽऽ कुड्ड्या कुशीक सर.
पयलो : कोण कुड्डो? दोळे फुटूंना म्हजे.
दुसरो : दोळे फुटले आनी धांपले एकूच.

पयलो : दादागिरी करता?

दुसरो : तुजेवांगडा झांकपाक म्हाका वेळ ना.

पयलो : हांवूय रस्ताद ना.

दुसरो : रस्ताद ना? रस्ताद ना जाल्यार जीव दी वचून.

पयलो : जीव दिवं मरे? मागीर तूं कुशीक सर.

दुसरो : ना, ना. पयलीं हांव.

पयलो : पयलीं हांव.
(दोगूय झगडटात.)

धनी : झगडूं नाकात. तुमचेमदीं थारायात आदीं कोणे जीव दिवपाचो तो.

पयलो : अशें कित्याक? हांव पयलीं आयिल्लों, म्हाका पयलीं मरूं दी.

दुसरो : (धनयाक) तुज्या हाताक जाल्यार हांव कितेंय लायतां. म्हाका पयलीं मरूं दी. घरचीं मनशां म्हाका सोदपाक आयल्यार मागीर सगळोच बेत फिसकट्टलो.

पयलो : तशें जाल्यार दोगूय वांगडाच जीव दिवंया.

धनी : ना. म्हज्या कट्यावयल्यान एका वेळार एकल्यानूच जीव दिवं येता.

दुसरो : तशें जाल्यार पयलीं हांव वतां.

पयलो : ना. पयलीं हांव.

दुसरो : म्हजे पैशे घे.

पयलो : म्हजे पैशे घे.
(दोगूय पैशे मुखार करतात. येदो वेळ 'तो' चो घुस्मटमार चलिल्लो. तो आतां मुखार येता.)

तो : ना. पयलो मान म्हजो आसा.

पयलो : कोण उलयलो? (ताका सांसपून पळयता.)

दुसरो : तूं हांगा कित्याक आयला?

तो : हांवूय मरपाक आयलां.

पयलो : मागीर इतलो वेळ वगी कित्याक आसलो?

धनी : एका गिरायकान दुसऱ्या गिरायकाचो अपमान केल्लो म्हाका सोंसना.

दुसरो : हो सांगता तें खरें?

धनी : हय.

तो : (पैशे काडून) तुजी फी कितली? म्हजेलागीं फकत पन्नास रूपया आसात.

धनी : बोलाफुलाक गांठ म्हणटा ती अशी. म्हजी फी पन्नासूच रूपया आसा. (पैशे घेता.)

तो : येतां हांव.

(तो मर्णकट्यार वता. तो उडी मारता तो आवाज आयकुपाक सगळे उमळशिकेन रावतात. निमाणें न्हंयेंत उडी मारिल्ल्याचो आवाज.)

दोगूय : (भंयान) हा ऽऽ हा ऽऽ

पयलो : ना, ना. म्हाका मरपाचें ना.

दुसरो : म्हाकाय मरपाचें ना.

पयलो : हांव चल्लों.

दुसरो : हांव चल्लों.

(दोगूय पळून वतात. कांय वेळान तो परत येता. सगळो भिजला.)

तो : हांव आयलां.

धनी : आं? तूं?

तो : संवसारांत म्हाका सगळ्यांनी फटयलो. पूण तुवें एकल्यानूच म्हाका खरो मार्ग दाखयलो. फकाणांनी म्हणना. खऱ्यांनीच सांगतां. तुजो हेतू कितेंय आसूं. असाध्य पिडेक काजऱ्याचे फळ पारचें तशें घडलें. उडी मारचेपयलीं आशिल्लों हांव, उडी मारतकूच ना जालों. म्हजो पुनरजल्म जालो. दोंगराचे दोणीतल्यान वाट काडीत व्हांवपी हे न्हंयेन म्हाका आडखळीचेर जैत जोडपाची स्फूर्त दिली. त्या ल्हारांनी म्हज्या कानांत जियेवपाचो मंत्र फुंकलो. तीं झाडां म्हाका नवी नदर दिती

जालीं. त्या सवण्यांनी म्हाका प्रेरणा दिली. त्या सैमान म्हाका नवी जीण दिली.

धनी : तूं आतां खऱ्यांनीच जगपाक लायक आसा. मर्णाचेर तुवें जैत जोडलां. सामान्य मनशाचो थर तुवें हूपला. आतां संवसारांतल्यो कसल्योच आडखळी तुका बादच्यो नात. तूं असामान्याचे पदवेक पावला.

तो : हांव तुजो उपकारी आसां. (दिमी मारून उपकार आठयता.)

धनी : असोच जैतिवंत जा.

(सोंपता)

मुखेलमंत्री	चंचलाबाय	खेळगडी
संचलक	एस. पी. कामत	नर्स वो दोतोर
सरपंच	तरनाटो	म्हालो
कवी	जाणटेली	संतू विनू कामत
धाकणकार	देवस्थानचो प्रतिनिधी	अिस्क्रिव्हांव
जनार्दन नायक	एक बायल मनीस	आठ धा लोक

चार आनी अेक पांवट नागडेंच उरता

(मुखेलमंत्र्यांक पन्नास वर्सां जातात देखून तातोडें ग्रामपंचायत तांचो सुवर्ण महोत्सव मनयता.

माचयेर एक मेज. कांय कदेली. एक मायक मेजार शिवाय एक मायक संचलकाक तयार दवरला. माचयेर कदेलींचे मांडावळी फाटल्यान कपड्याचो एक बॅनर बांदला. बॅनरावयलो मजकूर असो -

।। श्री खाप्रो रवळनाथ मायभूमका प्रसन्न ।।

सुवर्ण महोत्सव

मुखेलमंत्री नामदार दत्ता रावजी गांवकार

पेंटर : श्री गजानान साळगांवकार

आयोजक,
तातोडें ग्रामपंचायत

संचलक : (मायकार येवन) श्री खाप्रो रवळनाथ आनी मायभूमका हांकां नमन करून आमी आयच्या सुवाळ्याक आरंभ करतां. आयज आमी हांगासर व्हडा खोशयेन आनी उपाट उमेदीन कित्याक जमल्यात. तें हांवें सांगल्यार पिशेपणांच जातलीं.

आयज आमी आमचे मुखेलमंत्री नामदार दत्ता रावजी गांवकार हांचो सुवर्ण महोत्सव मनोवपाक जमल्यात. खरें म्हळ्यार आमचे तातोडें ग्रामपंचायतीन तांचो सुवर्ण महोत्सव दोन वर्सांआदींच मनोवपाचें थारायिल्लें. पूण सुवर्ण महोत्सव मनोवपाक पन्नास वर्सां पुराय जावपाक जाय ही गजाल आमचे मतींत आयिल्ल्यान तो सुवाळो आयज आमी हांगां घडोवन हाडला. हांव हांगां चड उलयल्यार नमनाक घडोभर तेल खर्चिलें अशें तुमीच म्हणटले.आतां हांव आमच्या तातोडें गांवच्या सरपंचांक विनंती करतां, ताणी मानादीक मुखेलमंत्र्यांक वेदीर हाडून बसोवंचें.

(प्रेक्षकांत मुखार बशिल्ल्या मुखेलमंत्र्यांक सरपंच माचयेर हाडून बसयता. कुशीक आपूण बसता.)

सरपंच : आनी आतां तातोडें गांवचे सरपंच, मानादीक मुखेलमंत्र्यांक उर्बेभरीत येवकार दिता आनी तांची तुमकां वळख करून दिता.

(सरपंच मायकार येवन उलोवप करता.)

सरपंच : अध्यक्ष महाशय, मानादीक मुखेलमंत्री आनी बंधु भगिनीनो, आयज एक व्हड काम म्हजे मानेर आसा. खरें म्हळ्यार जायत काय ना हाचो म्हाका भरवंसो नासलो. पूण विचार केलो, आमचे मुखेलमंत्री येदीं व्हड कामां कांय न्हय करून करतात मागीर हांवें येदेशें काम करपाक इतलो कित्याक कांचवेवंक जाय?आनी मागीर ते काम म्हळ्यार दाव्या हातिचो चिखोल अशें म्हाका दिसलें. आतां तें काम म्हळ्यार मुखेलमंत्र्यांची तुमकां वळख करून दिवप. तांची वळख हांव कितें म्हणून करून दिवं? म्हजेपरस तुमीच तांकां चड वळखतात. आयज दोन वेंचणुको जाल्यो. दोनूय वेंचणुकांत ते भौमतान वेंचून आयले. हाचेवयल्यान तांची लोकप्रियता दिसून येता. आजूनपसून ते मुखेलमंत्र्यांच्याच हुद्दयार आसात हाचेवयल्यान तांची जिद्द आनी एकाच ध्येयाक चिकटून

रावपाची तांची चिकाटी प्रगट जाता. ह्या प्रदेशांत जायते पक्ष आसात. आसकां सांगपाक अभिमान भोगूंक जाय कीं, ह्या सगळ्या पक्षांक आमचे मुखेलमंत्री समान लेख़तात. अर्थांत ताका कारणांय आसात. खंयचीं कारणां? आमचे मुखेलमंत्री केन्ना ना केन्नातरी ह्या सगळ्या पक्षांत आशिल्लेच. ह्या प्रदेशाच्या हिताखातीर एका पक्षांतल्यान दुसऱ्या पक्षांत वचपाक ते केन्नाच अनमनलेनात. लोक कल्याणाची वृत्ती जाच्या रगतांत आसा असोच मनीस ह्यो गजाली करूंक शकता. लोकांच्या बऱ्याखातीर ताणी कायदे लेगीत सदळ केल्ल्याचीं उदाहरणां आसात. तांचे हात सर्वसामान्यांमेरेन पाविल्ले आसात. एखाद्र्या गरीब मनशाची सायकल, रातची दिवो ना म्हण पोलीसांनी धरली जाल्यार मुखेलमंत्र्यांनी इन्स्पेक्टराक फोन करून ती सायकल सोडयिल्ली आसा. सामान्य मनशांविशींचो इतलो कळवळो आनीक दुसरेकडेन मेळपाक भोव कुस्तार. ह्या देशांत बऱ्या फुडाऱ्यांक सदांच विरोधकांकडल्यान विरोध जायत आयला. महात्मा गांधी आनी जवाहरलाल नेहरू हांकांय तो विरोध सोंसचो पडला आनी आतां मुखेलमंत्रीय तो विरोध सोंसतात. विरोधकांच्या म्हणण्याप्रमाण मुखेलमंत्र्यांच्या बरें मागप्यांकूच चाकऱ्यो मेळटात. तांच्या सोयऱ्या - धायऱ्यांकूच उद्देगधंद्याक सगळे तरेचो पालव मेळटा. म्हजो विरोधकांक जाहीर सवाल आसा, मुखेलमंत्र्यांच्या बरें मागत्यांक जर नोकऱ्यो मेळटा जायत जाल्यार पापयांनो, तुमी तांचे बरें मागते कित्याक जायनात? मुखेलमंत्र्यांचें पाड चिंतून तुमी नोकऱ्यांची आस्त खंयच्या तोंडान प्रगटायतात? मुखेलमंत्र्यांनी आपल्या सोयऱ्या - धायऱ्यांक धंद्याक लायल्यात अशें म्हणपी अपुरबुद्दांक हांव विचारतां, एकदां मुखेलमंत्री जातकूच ताका सोयरे - धायरे म्हण उरतात? आमी सगळेच तांचे सोयरे - धायरे. मागीर ह्यो हुयेली कित्याक? पूण अशे जावपाचेंच. लोकशायेचे

कांय दुष्परीणाम आमकां भोगपाकूच जाय. आसूं. अशे हे आमचें मुखेलमंत्री, जिद्द, चिकाटी, लोककल्याण, देशसेवा, सहिष्णुता ह्या सगळ्या गुणांचो सोबीत असो संगम तांचेठांय जाला. अशा ह्या म्हापुरूशाचो सत्कार करपाचें भाग्य आमचे तातोडें ग्रामपंचायतीक लाबलां म्हण आमकां अभिमान भोगता. सगळ्यांचे वतीन हांव तांका काळजाथावन येवकार दितां. (ताळयो, सरपंच बसता.)

संचलक : आतां मुखेलमंत्र्यांक हार घालपाचो कार्यक्रम सुरू जाता. खरें म्हळ्यार सत्कार हे हार घालपाखातीरूच घडोवन हाडटात अशें म्हळ्यार मात लेगीत अतिताय जावंची ना. आसूं. विशयान्तर करीना. हांव हांगा संस्थेचें नांव घेतलों तेप्रमाण संस्थेच्या एका एका मुणयाऱ्यान माचयेर येवन मंत्र्यांच्या गळ्यांत हार घालचो. हार घालतल्या प्रतिनिधीक हांगां कांय चत्रायो दिवप गरजेचें आसा. तुमच्या हाराच्या फुलांत चुकून लेगीत कांटे आसचेनात हाची खात्री करून घेयात. चड करून गुलाबांचे हार जाणी हाडल्यात तांचेखातीर ही खासा सुचोवणी आसा. दुसरी चत्राय आसा ती, जाणी चंदनांचे हार हाडल्यात तांचेखातीर. कांय जाणांचे हार पोर्णे आसूं येतात. तांणी ते लीप बरे फापुडचे. कारण चड दिसांचे आसल्यार तांचेर म्हेळबी आसतलो. ताज्ज्या फुलांचे हार जाणी हाडल्यात ताणी उपकार करून खात्री करची कीं, हारांतल्या फुलांत बारीक मूस वा हुमलांबी नात. आसल्यार तीं फापुडलेबगरं घालचे न्हय. दुसरी गजाल म्हळ्यार हार जे वावळेन वा सुतान वा दोरान गुंथल्यात ते मंत्र्यांचे मानेक घासून कात्रोबी पडचोना हाची जतनाय घेवंची. उपकार करून सरयेर गुंथिल्ले हार गळ्यांत घालचे न्हय. ते फक्त हातांतूच दिवंचे. आनीक एक म्हत्वाची चत्राय म्हळ्यार जांचे हार व्हडले आसात तांणी ते पयलीं घालचे आनी ल्हान आसात ताणी मागीर घालचे. अशें करपा

फाटल्यान ल्हान - मोटे असो भेदभाव निखालस ना. तर मोट्या हाराच्या आकारान ल्हान हार लिपचो न्हय इतलोच हेत आसा. आतां हांव संस्थांचीं नांवां वाचतां.-

: श्री खाप्रो रवळनाथ मायभूमका संस्थानाचे वतीन मुखेलमंत्र्यांक हार घालता.

(संस्थानाचो प्रतिनिधी येवन हार घालता. मुखेलमंत्री हार आपणायता. मागीर उबोच रावता.)

: दुसरो हार, तातोडें ग्रामपंचायतिचे वतीन.

(सरपंच हार घालता.)

: तिसरो हार, श्री बजरंगबली महिला मंडळाचे वतीन.

(एक बायलमनीस येवन हार घालता.)

: उपरांत, जय जय गौरीशंकर स्पार्कलींग स्पोर्टस क्लब.

(एक खेळगडी दिसपी प्रतिनिधी हार घालता.)

: कुटूंब नियोजन केंद्र.

(एक नर्स वा दोतोर हार घालता.)

: दमयंती कटींग सलून.

(एक मनीस हार घालता.)

: संतू विनू कामत यांचे चहा - फराळाचें दुकान.

(एक जाणटेलो हार घालता.)

: तातोडें कोमुनिदाद.

(इस्क्रीव्हांव दिसपी एकलो हार घालता.)

संचलक : आनी आतां - जाणी हार घालपाक आदीं नांवां दिवंक नासलीं पूण जाणी हार हाडल्यात ताणी आतां माचयेर येवन मुखेलमंत्र्यांक हार घालचे. एकूच विनंती आसा, ती म्हळ्यार हार घालताना मुखेलमंत्र्यांक चड मान बागोवपाक लावची न्हय. हार घालतल्यानूच मातशें पावल उबारून हार घालचो.

(एकलो एकलो येवन हार घालता. आठ - धा लोक तेच परत परत येवन हार घालतात. हार घालपाचे पध्दतिकूच

एका मनशाच्या हाराचें स्वरूप येता. हार घालपाची गती वाडटा, माचयेवयल्या लोकांक असह्य जावपाइतली. मुखेलमंत्री आपली अडचण संचलकाक कुरवांनी कळयता. संचलक मायकार वता.)

संचलक : बंद.

(हार घालपी आसा थंय थारतात.)

इतल्यान हार घालपाचो कार्यक्रम सोंपलो.

(लोक आपापले सुवातेर वचून बसतात. मुखेलमंत्रीय बसता.)

संचलक : आनी आतां मुखेलमंत्र्यांचो गौरव करपी भाशणांची कार्यावळ सुरू जाता. पुर्विल्ल्या काळात राजाच्या दरबारंत भाट आसताले. आतां भाटा भाटांत राजा जाल्यात. तर भाट राजाचीं वर्णनां गायताले. आमच्या देशांतली ही एक व्हड परंपरा आयचे घडकेकूय चालू आसा. हेच परंपरेक पाळो दिवन आज ह्या शुभसमयार मुखेलमंत्र्यांचो गौरव एका कवी वरवीं करतां. आयचे कवी हे आदल्या भाटांचे वंशज हें काय वेगळें सांगपाची गरज ना. तर, आतां तुमचे मुखार श्री विठ्ठल रवळू पै उर्फ रवळूकुमार हे मुखेलमंत्र्यांचो गौरव करपी कविता वाचून दाखयतले. श्री रवळूकुमार हांचेविशीं हांवें सांगप म्हळ्यार ल्हान तोंडान मोटो घांस घेतिल्लेवरी जातलें. पूण आयज ते वाचतले ते कवितेविशीं चार उतरां सांगल्यार वायट जावचें ना. तांची आयची कविता णव वळिंची आसा आनी प्रत्येक वळिचें पयलें अक्षर क्रमान वाचल्यार द त्ता रा व जी गां व का र अशें नांव जाता, जें नांव तुमच्या आमच्या मुखेलमंत्र्यांचें आसा. तुमी ताची कविता आयकुपाक आशेल्यात. हांव तांकांच माचयेर येवपाक विनंती करतां. श्री विठ्ठल रवळू पै उर्फ रवळूकुमार

कवी : दत्त कशे तुमी सत्तेर आयले
त्ताता केल्ल्यांक तुमी उठोवन घाले
रामबाण कशे तुमचे निर्णय

वनवास ना भोगचे जनतेक केन्नाकाय
जीप नासताना भोंवात आमचो मंत्री
गांव तांच्या खुस्तार खाता संत्रीं
वतांत भोंवता राजा, न्हय फोल्गाक
कारखान्यांनी नोकरी दिता लोकांक
रत्नाहर कवितेचो गळ्यांत मंत्र्यांच्या घालचो.

समाप्त. आनी ही दुसरी कविता. मुखेलमंत्र्यांक पन्नास वर्सां जाल्यांत म्हण पन्नास वळिंची केल्या. तिची एक एक वळ पन्नास फावट वाचल्यार मुखेलमंत्र्यांचो योग्य गौरव जातलो. जय मंत्रीदा, जय मंत्रीदा,

(परत परत घोळयता. मुखेलमंत्री अस्वस्थ)

संचलक : (कविच्या कानांत फुतफुतता.) हे पळयात, इतली कविता पुरो. तुमकां जाय जाल्यार भितर वचून म्हणात.

(कवी कविता गायत भितर वता.)

संचलक : आनी आतां बाब धाकणकार तुमचेमुखार येता. श्री. धाकणकार-

(धाकणकार मायकार येवन उलोवपाक लागता.)

धाकणकार : अध्यक्ष महाशय, मुख्यमंत्री श्री दत्ता रावजी गांवकार, प्रतिष्ठीत नागरीक आनी माझ्या बंधुभगिनीनो, आजचा दिवस भयंकर भाग्याचा दिवस आहे. कित्याक? आयज भाग्य उजळ्ळां. कोणाचें भाग्य उजळ्ळां? पूण पयलीं भाग्य म्हणजे कितें तें तुमकां सांगतां. भाग्य म्हळ्यार नशीब न्हय. मागीर नशीब म्हळ्यार कितें? सटये दिसा तुमच्या कपलार बरयलां तें नशीब? न्हय. मागीर मनशाचें नशीब म्हळ्यार कितें? पूण तें कळपाक पयलीं मनीस म्हळ्यार कितें तें समजून घेवपाक नाका? आमी कोण? तुमी म्हणटले आमी मनीस. न्हय. तुमी मनीस न्हय. तुमी नागरीक. नागरीक अशें तोंडांनी म्हळें म्हण काम भागना. नागरीक ह्या उतराचो अर्थ कोण समजावन दितलो? नागरीक. कित्याचो नागरीक? अर्थांत

देशाचो नागरीक. देश! म्हणपाक उतर सुंदर. पूण देश म्हळ्यार कितें? भारत देश? उत्तर बरोबर. पूण भारत म्हणजे कितें? तुमी म्हणटले, आदलें उतर भरत ताचे वयल्यान भारत. हे जापेन कोणाचें समाधान जावपाचें ना. ताची जाप हांव सांगतां. पूण ताचे आदीं तुमकां लोकशाय म्हळ्यार कितें तें समजून घेवंचें लागतलें. लोकशाय म्हळ्यार कसली शाय? न्हय हुकूमशाय ती लोकशाय? तुमी भारताची राज्यघटना वाचल्या? आर्र! कित्याक वाचूना? ती वाचपाक जाय. ह्या देशांत जियेतल्या दर एका मनशान राज्यघटना वाचपाकूच जाय. तुमी घटनेचो अभ्यास करूं नाकात पूण घटनेचें कामचलाऊ गिन्यान तुमकां जायच. अखेर गिन्यान तरी म्हळ्यार कितें? कोणा बुदवंतान म्हळां,जीण जियेवपाक जें उपकारा पडटा तें गिन्यान. जिणेचो आनी गिन्यानाचो संबंद जर असो जाल्यार मागीर प्रश्न उप्रासतना जीण म्हळ्यार कितें? आनी बाटलेक गुड्डी लागची तशें हांगां तोंड बंद जाता.

(संचलक ताका बंद करपाक सांगता.)

आणि इतके बोलून मी माझे चार शब्द आटोपते घेतों. धन्यवाद! (वता.)

संचलक : आनी आतां गावांतल्या कसल्याय समारंभाक जे आपणालें उलोवप करून चुकनासताना तुमच्या गिन्यानांत भर घालतात ते श्री जनार्दन नायक.

(जनार्दन नायक येवन उलोवप करतात.)

ज.नायक : मानादीक मुकेलमंत्री नामदार दत्ता रावजी गांवकार, गांवचे सरपंच, गावांतले प्रतिष्ठीत नागरीक आनी म्हज्या भयणिनो आनी भावांनो, (वक्ल लायता. खाकेंतलें पाश्त उकतें करता आनी भाशण काडून वाचता.) आयचो दीस मोटो भाग्याचो, कारण आयज राष्ट्रपिता महात्मा गांधी हांची पुण्यतीथ (चूक लक्षांत येता. दुसरें भाशण काडटा.) आयचो दीस

मोटो भाग्याचो, कारण ह्या दिसा आमच्या देशाक स्वतंत्रताय मेळ्ळी, तोच हो दीस १५ ऑगस्ट! (तिसरें भाशण काडटा. गुणगुणटा) आयचो दीस मोटो भाग्याचो, कारण आयज बाबासाहेब आंबेडकर हांची जयंती. (परत दुसरें काडटा. गुणगुणटा.) आयचो दीस मोटो भाग्याचो, कारण आयज पंडीत जवाहरलाल नेहरू हांची पुण्यतीथ.

संचलक : (ताका ल्हवू आवाजांत समजायत) अशें करात, तुमी भितर बसून तुमचें भाशण सोदात. तोमेरेन दुसऱ्यांक उलोवंदी. (जनार्दन नायक भाशण सोदीत भितर वता.)

संचलक : तुमी म्हणटले, येद्या व्हडल्या तातोडें गांवांत मुखेलमंत्र्यांचो गौरव करपी एक्कूय बायलमनीस ना? तुमचो प्रश्न सारको. आनी तुमच्या प्रश्नाक फोवोसारकी जापूय आमचेलागीं आसा. आतां हांगची एक सुशिक्षीत बायलमनीस सौभाग्यवती चंचलाबाय भाशण करता.

(चंचलाबाय उलोवपाक येता. लोकांतल्यान एक दोन शिळोण्यो आयकूंक येतात. संचलक शिळोण्यो मारप्यांक नदरेनूच दटायता.)

चंचलाबाय : अध्यक्ष महाशय, आमचे मुखेलमंत्री आनी म्हज्या गांवभावांनो, म्हजेसारके बायलमनशेन मुखेलमंत्र्यांचो गौरव करप म्हळ्यार एका सवण्यान सुर्याच्या गुणाचीं वर्णनां गावप. आनी तेच भावनेन आयज हांव हांगां चार उतरां सांगपाक आयल्यां. खरें म्हळ्यार म्हज्या चार उतरांनी तांची तुस्त तोखणाय करून सोंपपाची ना. मुखेलमंत्र्यांनी सगळ्यांखातीर वावर केला. ताणी दादल्यांखातीरूच हाल - उपाद्रे सोंसल्यात अशें न्हय, तर आमचेसारक्या बायलांखातीरूय रातिचे दीस आनी दिसाच्यो राती केल्यात. आनी तेचखातीर म्हळ्यार बायलांखातीर ताणी कितें केलां हें सांगपाक हांव हांगां उलोवपाक आयल्यां. ते ज्या ज्या बायलांच्या उद्धाराखातीर वावुरल्यात तांच्या नांवांची वळेरी मारूतिचे शेंपडेसारखी

लांब जातली. म्हजे जिणेचें ताणी कशें भांगर केलें तेंच आयज हांव तुमकां सांगतां. म्हज्या एकट्या घोवाचे जोडीन संवसाराचो गाडो बरेतरेन ओडना जालो तेन्ना हांवें सर्विस करपाचें थारायलें. पूण सर्विस दिता कोण? कितलीं जोतीं झरयलीं, पूण उपेग ना. अखेर मुखेलमंत्र्यांच्या दारार मारलें, तेन्ना ताणे खोशयेन दार काडलें. तांच्या उतरांनीच जिवाक थाकाय मेळ्ळी. आनी तांच्याच धर्मान म्हाका सर्विस मेळ्ळी. फकत सर्विसूच न्हय, तांचेपासून आनीक जायत्या गजालिंची भर आमच्या संवसारांत पडली. आज तांचे पुण्यायेन आनी देवा दयेन आमचो संवसार बरो ऽऽ चल्ला. दोगां माणकुलीं भुरगीं आसात. तांचें पितृक्षत्र आमच्या संवसाराचेर सदांच उरलां. मोठेपणाचो आनी सत्तेचो गर्व बाळगिनासताना ताणी भर मध्यान्नेरूय आपलें दार म्हजेखातीर उक्तें दवरलें. हें म्हजें एकलेचें उदाहरण. अशा कितल्या बायलांचीं भाग्यां ताणी उजळ्यां जायत. कोणा कोणाच्या पदरांत कितें कितें घातलां जायत. ह्या प्रदेशांत बायलांचे मुक्तिची चळवळ ताणी सुरू केली अशेंच म्हणचें पडटलें. समस्त बायलांची जात तांच्या ह्या म्हान कार्याखातीर तांचो गौरव करता आनी बायलांखातीर ताणी अशेंच दीसरात झटत रावचें अशी तांकां विनंती करता. तांच्या असल्या विधायक वावरांत बायलांचो तांकां सदांच पालव मेळटलो म्हण सगळ्या बायलांचे वतीन हांव तांकां उतर दितां.

(ताळयो. चंचलाबाय वता.)

संचलक : मुखेलमंत्र्यांचो गौरव करताना सगळ्यांकूच खोस भोगता पूण वेळाचें भान उलोवप्यांनी दवरचें अशी तांकां विनंती आसा. आतां श्री. एस. पी. कामत.

(कामत येवन उलयता.)

कामत : थोड्या वेळान उलोवप करपाचें संचलकांनी सुचयलां. हांव हरशीं चड उलोवपी. पूण आयज तुमचीं फकत पंदरा मिनटां

घेतलों. उपकार करून पंदरा मिनटां उलोवपाक दिवचें.
मुखोलमंत्री, नामदार दत्ता रावजी गांवकार म्हळ्यार
- विश्वासू मनीस
- सुवार्थाचो दुस्मान
- जनतेचो इश्ट
- असत्याचो दुस्वासी
- सत्याचो पूत
- कार्यतत्पर नागरीक
- एकनिश्ठ समाजसेवक
- दुर्बळांचो कैवारी
- फटींगांचो मारेकार
- आज्ञाधारक आमदार
- कर्तव्यदक्ष मंत्री
- तत्वनिश्ठ मुखेलमंत्री
- अन्यायाचो प्रतिकारक
- मुत्सद्दी राजकारणी
- खांपो झुजारी
- स्त्री शिक्षणाचो पुरस्कर्तो
- सगुणांचो पुतळो
- सद्‌गुणांची खण
- नितिमत्तेचो सागर
- आदर्शाचो पर्वत
- गुणांचो म्हामेरू
- समाजप्रबोधनकार
- नवनिर्माणाचो रचणार
- अनंताचो यात्रीक
- लोककल्याण राजा
- जयहींद!

(वता. लोकांतल्यान एक तरनाटो उचंबळीत जाता.)

तरनाटो : बंद करात. कसलीं फकाणां चलयल्यांत? कोणाच्या दोळ्यांक

उदक लावपाक चलयल्यांत हीं संवंगां?

(माचयेर मातसो बोवाळ जाता.)

संचलक : (तिडून) विरोधकांक कितें सांगपाचें आसल्यार ताणी बरोवन निवेदन दिवंचें. भर सभेंत अशी आरड मारपाचो अधिकार कोणांक ना. आनी तशें केल्यारूय आमी ताका भीक घालीना. विरोधकांच्या कारवायांक चोख जाप दिवपाक आमकांय कळटा. विरोधकांक आमी बदना.

तरनाटो : तुमचे विरोधक कोण तें म्हाका खबर ना. म्हज्या प्रश्नाक तुमी जाप दिशात? (माचयेकडेन येता.)

संचलक
आनी
सरपंच : ना, तूं विरोधक. तुका उलोवपाक मेळचें ना.

लोक : विरोधकाक उलोवपाक दिवं नाकात.

(कांय वेळ बोवाळ. मुखेलमंत्री तरनाट्याक माचयेर येवपाक खुणायता. मायकार येवन उलोवपाक फर्मायता. तरनाटो वयर येवन उलयता.)

तरनाटो : भौमानेस्त मुखेलमंत्री अशें हांव आदरान म्हणटलो आसलों. पूण हेर उलोवप्यांसारको हांव फटींग न्हय. देखून हांव तांकां भौमानेस्त म्हणपाक तयार ना. तांच्या गुणांचीं वर्णनां गायताना उलोवप्यांनी मुयेचो दोंगर केला त्या सगळ्या फटींग आनी दांभीक उलोवप्यांचो हांव धिक्कार करतां. जनतेमुखार जर ताणी खरें चित्र दवरिल्लें आनी समाजांतल्या सत्याचें दर्शन जर आपल्या भाशणांतल्यान घडयिल्लें जाल्यार हांव तांच्या पांयांचें तीर्थ पियेतलो आसलों. पूण तशें कोणेंच केलें ना. न्हय, तशें करापक कोणांक धाडस जालें ना. तें धाडस हांव करतां. कारण हावें कोणाचें घेवन खावंना. मंत्र्याचे हात जांच्या ओंटांमेरेन न्हय, तर ताळ्यांत गेल्यात ताणी रूपडीं चडोवन गावचीं तांचीं गुणवर्णनां! चडोवचीं ताणी फातराचे मातयेक चंदनाचीं पुटां. हांव कोणाचे पांगेंत

ना. म्हाका कोणाची भंयभिरांत ना. देखून हांव हांगा सत्याचें दर्शन घडोवपाक आयलां. हांगाच्या भाशणांतल्यान फटीचें खरें करपाचो किंवाट्याचो यत्न जाला. समाजांत ज्यो गजाली अनैतीक मानतात, ताका हे नैतीकतायेचो रंग चडयतात. मंत्र्यान देवाक हार घालपाचो थंय देवस्थानाचे वतीन मंत्र्याक हार घालपाचीं निलाजरेपणां करतात. सेगीत दोन फावट उमेदवार वेंचून आयल्यार ताची लोकप्रियता सिद्ध जाता खंय! वायट मार्गान वेंचून येवपाचे हज्जार उपाय आमचे लोकशायेंत रीगल्यात. मुखेलमंत्री धा वर्सां सत्ता भोगतात हाचो अर्थ तांची चिकाटी काय सत्तेची सुटनाशिल्ली आस? केंद्रांतले सत्तेचो बदल तेळून खिणाखिणांत केल्लें पक्षांतर हें लोकल्याणाचे वृत्तींतल्यान घडटा? वा! सत्तेची आनी नितीमत्तेची येदी व्हडली हत्त्या दुसरी आनी खंयची आसूं येता? बायलांचे चळवळिचे पुरस्कर्ते खंय! ही बायलांची चळवळ ह्या प्रदेशांत केन्ना आनी कशी सुरू जाली? कोण सांगूंक शकत? आनी म्हाका दिसता, हे चळवळिचो पुरस्कार फकत रातिच्या वेळारूच जाता जांवये. आयच्या सत्काराच्या भाशणावयल्यान असो आभास जाता कीं, हांगा सगल्याक आबादीआबाद चल्लां. सगळे भल्लेल्या पोटार धेंकर दितात. अन्नाच्या गोंट्याक कोण पातिशेर ना. कारखान्यांनी नोकऱ्यो दिता खंय. खंय आसात नोकऱ्यो? हांव चार वर्सां जालीं बेकार आसां. डिग्री आसा पूण उपेग ना. जाची दाळ शिजता ताचेंच सादता. म्हजेसारके अशे कितले सुशिक्षीत तरनाटे आसतले जे नोकऱ्यो नासून बेकार हेडटात. नोकऱ्यो नासून आमी बेकार जावन रस्त्यार भोंवतात. आनी हांगा कितें काय म्हळ्यार मुखेलमंत्र्यांक पन्नास वर्सां जाल्यांत म्हण तांचो सुवर्ण महोत्सव मनयतात. भाशणां ठोकतात, सत्कार करतात. लज दिसूंक फाव अशे सत्कार करतल्यांक आनी सत्कारमुर्ती जावन सत्कार करून घेतल्यांक. हांव मुखेलमंत्र्यांक जाहीर आव्हान करतां, ताणी

म्हज्या प्रश्नांच्यो जापो दिवंच्यो आनी कापस्ताद आसल्यार म्हजें तोंड बंद करचें.
(लोकांमदी बोवाळ.)

लोक : सुबेज मरे हो!
कोणालो तो?
पुलीसांकडेन दियात.
मुखेलमंत्र्यांचो अपमान करता?
सर्विसेवयलो काडून वडोवपाक जाय.
बेकार मरे तो!
(सगळ्यांच्यो नदरो मुखेलमंत्र्यांचेर थिरावल्यात. मुखेलमंत्री ताका बशिल्लेकडेनूच आपयता. लोक भोंवतणी कंवडाळें करतात. माचयेर बोवाळ.)

संचलक : आनी इतल्या बोवाळानूय जैत आमच्या मुखेलमंत्र्यांचेंच जालें. जाणे आकांताळ्या औंवरांतल्यान तड लागीं केल्या तो मनीस असले खिणयाळे वसाडीक बदता? तो प्रश्न मुखेलमंत्र्यांनी एका खिणांत सुटावो केला. ताणी हांगा उलोवपी त्या तरनाट्याक आपले फॅक्टरींत नोकरी दिवपाचें उतर दिलां. फायच्यान ताका कामार लेगीत आपयला. ताच्या धाडसाची तोखणाय करून ताणी ह्या गावांतल्या आपल्या पक्षाच्या फांटच्याचो ताका अध्यक्ष नेमला.
(मुखेलमंत्री संचलकाक कुरवांनी सांगता.)

संचलक : आनी आतां मुखेलमंत्री, त्या तरनाट्याचे धाडसी वृत्तीखातीर हार घालून ताचो सत्कार करतात. मुखेलमंत्र्याच्या सुवर्ण महोत्सवी दबाज्यांत तांचे हस्तुकीं आमच्या गांवांतल्या एका युवकाचो सत्कार जाता ही गजाल आमच्या तातोडें गांवच्या इतिहासांत भांगराच्या अक्षरांनी कोरांतून दवरपासारकी आसा. त्या तरनाट्याचें नांव तुमकां मागीर कळटलेंच. तर मुखेलमंत्री ताका हार घालता.
(मुखेलमंत्री ताका हार घालतात. लोकांच्यो ताळयो.)

तरनाटो : (खोशयेन घोशणा दिता.) मुखेलमंत्री नामदार दत्ता रावजी गांवकार

लोक : झिंदाबाद!

(कांय जाण 'जय' तर कांय जाण 'विजय असो' म्हणटात. मुखेलमंत्री तरनाट्याक आपले कुशीक बसयता.)

संचलक : न भूतो न भविष्यती असो एक अपूर्वसो सुवाळो पळोवपाचें भाग्य आयज तातोडें गांवच्या नागरीकांक लाबलां. आतां सगळ्यांचीं गौरवाचीं भाशणां जाल्यांत. आनीक कोणांक उलोवपाचेंय आसचेंना. आनीक उलोवपां लांबल्यार हो सोबीत असो सुवाळो कांय वांट्यांनी वाजेवणो जावं येता. तर आतां - तुमचे कान जांचीं म्होवाळ आनी मोलादीक उतरां आयकुपाक आशेल्यात, तुमच्या दोळ्यांचीं निरांजनां करून तुमी जांची म्हुर्त आपणाले मनाचे घुमटेंत स्थापूंक सोदतात, जाचेखातीर तुमचे स्वास लेगीत अडून उरल्यात, उमळशिकेन तुमच्या शिरंतरांतल्या रगताक लेगीत एके तरेची गती आयल्या, त्या सर्वय गुणांचे पुतळे भौमानेस्त मुखेलमंत्री नामदार दत्ता रावजी गांवकार आपणाल्या सत्कार समारंभाक जाप दितात.

(लोकांच्यो ताळयो. मुखेलमंत्री उलोवपाक उठटात इतल्यान लोकांतल्यान एके जाणटेलेचो आवाज-)

जाणटेली : ए, गणीच्या दत्ता, रव, रव, म्हाका काय बोलुंचा आसा.

संचलक : (व्हडल्यान) आतां उलोवपाक मेळना.

जाणटेली : तूं केवांच्यान व्हांवती फोंत कशी बोलत आसा. आनी म्हाका सांगतय बोलूंक मेळना म्हणान? आपल्या वाद्याचो मरे तूं. पायणींतल्या शेकल्याचो झील मरे तूं?

संचलक : तुका कितें उलोवपाचें आसा?

जाणटेली : म्हाका तुमच्यासारकीं भाशणां करपाचीं नात. त्या भाशणांनी पोटां भरतत रे? म्हाका काय सांगूचां आसा.

संचलक : कोणांक?

जाणटेली : कोणांक म्हणजे? ताकाक येवन गाडगां कित्याक लिपयतलंय? म्हाका ह्या गणीच्या दत्ताक काय सांगूंचा आसा.

संचलक : गणीचो दत्ता कितें? मुखेलमंत्री म्हण.

जाणटेली : ह्या भाटकारा परस सुणांच अदीक भोंकता मरे. बरां म्हणतय मुकल्यामंत्री.

संचलक : सांगपाचें आसा तें मागीर सांग.

जाणटेली : मगे? कित्याक? तुमी सगळे सायब आतां बोलतत आनी हांवूच राणूल मगे कित्याक? तुमकां मतां जाय तेन्ना बरे म्हाताऱ्यांक फुडें फुडें करतत आनी आतां मगे सांग म्हणतत? मगे कोणांक कदेलीक सांगूं?

संचलक : ए म्हातारे, कुशीक सर.

जाणटेली : ए सोर्पच्या, तुजां कोणे काय घेवन खाल्लांसा? म्हाका वगी करपाक तुयां पोटलो दिला म्हाका?

तरनाटो : म्हातारे, बऱ्या बोलान कुशीक सर.

जाणटेली : हात तुज्या आवशिझवऱ्या, म्हाका कुशीक सर सांगतय? लज दिसना नाय? लजकाडो! बोंबलेच्या देंठांतल्यान आड्डी मारतालो व्हदळ. शिर्विस मेळटकच तोंड बंद जालां. आतां मार मुकल्यामंत्र्याच्या कदेलीक कदेल लावन बसलो म्हणजे काय आकाशाक हात तेंकयले तुंयां?

संचलक : तुका कितें सांगपाचें आसा तें बेगीन सांग.

जाणटेली : मीयां इकडे येतकच इतली ताकतीक कित्याक? कोणांक नाडूंक जावंचा आसा?

संचलक : तुका कितें सागपाचें आसा तें सांग. दुसऱ्यांक दुशणां लावं नाका.

(मायक तिचेमुखार दवरता.)

जाणटेली : बरो कायलीतली ल्हाय कसो उसळटा मगा. शेकल्यान बरो मातयला तुकां. (मायकाक पळोवन) ह्या काय?

संचलक : मायक.

जाणटेली : मायंक जांव नाजाल्यार मावांक जांव, तो म्हज्या सामकार कशाक?

संचलक : तुज्या तोंडांत घालपाक.

जाणटेली : म्हज्या म्हातारेच्या तोंडांत कित्याक? घाल तुज्या आवशीच्या हेतूंत. म्हाका सांगूंचां आसा तां ह्यां - (मुखेलमंत्र्यांक) आरे मुकल्यामंत्र्या, तुवें सगळ्यांचां भोव कल्याण केलंय. कोणाक शिर्विस दिलय, कोणाक आनीक कितें दिलंय. तूं जर अशें सगळ्यांक कितें ना कितेंतरी दितय जाल्यार हांयां राणेन काय मागल्यार नाय म्हणूंचो नाय. म्हाकां काय व्हयां तां डायरेक सांगतंय. म्हजो झील आसा न्हू, इट्टल. तुज्या वांगडचो मरे. तूं जालो मुकल्यामंत्री आनी तो रवलो तसोच. तर आवशिझवऱ्याच्या संवसाराक सदांच बुराक पडला. तेचां तां एकटांच अपुरबाये पोर आसा. सगुणां. फाटल्या माघांत चवथां सरून पांचयां लागलांहा. इट्टलागेर एकलांच पोर. तां सुद्धां नव-नवसांनी जाल्लां. पूण तेचे लाड करपाक सुद्धां भैझवऱ्याक जायना. तेचो म्हण गुन्यांव नाय. मानायपण करून एकलो जोडटलो आनी आमच्या चौगांचीं पोटां भरतलो. त्या पोराची मियां आजी. पूण म्हाज्यान राणेच्यान काय करूंक जातय? तर सांगूंचा आसा तां ह्यां - पार सगुणां आंगार कपड्याची फाळी नासून नागडां फिरताहा. पांच वर्सांचीं गरेस्तालीं भुरगीं कसले कसले कपडे घाल़तत. सगुण्याक पोराक आंग धांपपाक एक सुद्धां खोमची ना. तेच्या बापायक, इट्टलाक सांगून तोंडाच्यो कणयों जाल्यो. चवथीक हाडटां, दिवाळेक नाजाल्यार शिगम्याक हाडटाहा. झिलाच्या खिशाक सदांच बुराक. पोर सगुणां उगडा हिंडटा तां बगूं नजो. न्हिबरांत करपता. थंडयेंत आकुडटा. आयज बोकडेक घेवन भाटल्यांत चरयताली. लोकांचो बोवाळ आयकून हंय इलंय. थंयसून बग जाल्यार तुंयां, गणिचो दत्ता, मुकल्यामंत्री जावन वयर बसलय. आतां म्हटलं, तूं सगळ्यांक काय काय दितय, तर म्हाका दिवंक काय जालांहा? म्हाका काय काय व्हंया म्हायत आसा मरे? तुज्यां फाटीं तो रंगयलो कपडो आसा न्हय,

तोच म्हाका व्हयो. म्हाज्या सगुण्यांक तेचां याक बरांसा आंगांतलां जातलां.

(सगळ्यांच्यो नदरो बॅनराकडेन वतात. लोकांमदीं मातसो बोवाळ.)

आरे, गपसो कित्याक जालय? दितय मरे तो कपडो? म्हाका तुजी शिर्विस - बिर्विस काय नाका. फक्कत म्हाजे नातीखातीर तो तुजो कपडो दी.

(माचयेर आनी लोकांत अस्वस्थताय.)

तुमचां ह्यां चल्लांहा तां सोपतलां म्हणून कितलो वेळ वाट बघतंहय. पूण एकलो एकलो बडबडत आसा. म्हाजी बोकडी थंय भाटल्यांत कावथ्यांक तोंडबी लायत तर तो जना कामत म्हाका भाजून खातलो. मगे दितय मरे तो कपडो? असो पाठीं - फुडें कित्याक जातहय रे? त्या पोराक कसो एके घटकेंत निबायलय. तुजां घरदार भरून ओतता आसतलां. ह्या सगळ्या लोकांखातीर तिंयां इतक्यां केलंय. म्हाजे नातीखातीर इतलांय करूंक जमाचां नाय मरे? इचारसो करतयह? तुज्या मनांत दिवंचा आसा काय ना तां एकदां सांगून वडय. मगे आपलां हुंवाळून वयतां एकदांचां. पोराची काकूळट कर रे. फाल्यां तुजां पोर तसां नागडां - उगडां फिरल्यार तुज्यो आंतकड्यो पिळवटच्यो नाय? दुसऱ्यांक कपडो दान केल्यार पदरांत पुण्य पडटा खंय! चिंता त्या पोराची आनी हुस्को ते बोकडेचो. दिता मरे तो कपडो? व्हरूं काडून? देव तुजां कल्या ऽऽ ण करतलो.

(जाणटेली बॅनर काडपाक मुखार सरता. आयोजक लोक मुखेलमंत्र्याचे सुचोवणेची वाट पळयत आसात. जाणटेलेक धांवडावपाक मुखेलमंत्री कुरू करता. तेसरशीं सगळेजाण दांत ओंठ किल्लून जाणटेलेचेर धांवून वतात.)

लोक : धांवडाय ते जड्डेक.

: मोडून घालात. (आनी जायतें)

(जाणटेली काचाबूल जाता. खिणभर सगळो देखाव थीर जाता. भितरसून निवेदन - आनी एक पोर नागडेंच उरता.)

(सोंपता.)

दिग्दर्शक
लेखक
तो
ती
बापूय
प्रेक्षक
प्यून
चली
चार/पांच गुंड

पाचं स्वामसुत्रीं

(लेखक आनी दिग्दर्शक)

दिग्दर्शक : हालीं कितें बरयलां?

लेखक : अर्थात नाटक.

दिग्दर्शक : तें जालेंच. बरोवन पुराय जालें?

लेखक : (खोशयेन हयकार दिता.)

दिग्दर्शक : हे फावट कितें खास?

लेखक : आत्मतूस्त न्हय. पूण काळजांतले धडधडीवयल्यान तशें दिसता.

दिग्दर्शक : कितें?

लेखक : कितेंतरी खास आकाराक आयलां.

दिग्दर्शक : आनी आकाराक आयलां म्हणजे माचयेर येता.

लेखक : तें तुमचेसारक्या दिग्दर्शकांनी थारावपाचें. बरोवपाचें काम आमचें.

दिग्दर्शक : पूण एक गजाल खरी.

लेखक : कसली?

दिग्दर्शक : नाटक ही एक भौआंगी निर्मिती.

लेखक : खरें.

दिग्दर्शक : लेखक, दिग्दर्शक हीं तांचीं म्हत्वाचीं आंगां.

लेखक : म्हाका मान्य आसा. देखूनच तर म्हज्या नाटकाची कल्पना घेवन तुजेकडेन आयलां.

दिग्दर्शक : म्हाका दिसता तें हांव सांगन.

लेखक : म्हाका कितें दिसता तें सांगपाचो हांव सदांच यत्न करतां.

दिग्दर्शक : तुका दिसता तशें दुसऱ्यांकूय दिसूंक फाव अशें तुजें म्हणणे?

लेखक : अशेंच काय ना.

दिग्दर्शक : सांग.

लेखक : म्हाका दिसता सुरवेक ह्या विशयाचेर उलोवचेपरस आमी नाटकाचे कल्पनेचेरूच उलयिल्ले बरे.

दिग्दर्शक : पूण तुज्या नाटकाचे कल्पनेची म्हाका मातूय कल्पना ना.

लेखक : तेचखातीर तर हांवें तोंड उक्तें केलां.

दिग्दर्शक : सांग.

लेखक : सत्यघटना.

दिग्दर्शक : ती तुवें कित्याक सांगपाक जाय? तुजेपरस वर्तमानपत्र बरी सांगत.

लेखक : वर्तमानपत्र सत्यघटना सांगत. हांव तितल्यारूच रावचोना. ते घटनेकडेन पळोवपाचो दृष्टीकोण सांगतलों.

दिग्दर्शक : बरें आसा.

लेखक : दोगां एकामेकाच्या मोगांत पडटात.

दिग्दर्शक : हातूंत नवें कितें? ही तर सद्‌ची कथा.

लेखक : तेंच सांगतां न्हय, कथा सद्‌ची जायत पूण नदर वेगळी.

दिग्दर्शक : तुमकां लेखकांक दर फावटी अशेंच दिसता.

लेखक : ना. हेफावट असो अपेक्षाभंग जावचो ना.

दिग्दर्शक : दिसतलेंच. हातच्या कांकणांक हारसो नाका. मुखार सांग.

लेखक : तर तीं दोगांय सद्‌चे सुवातेर मेळटात.

दिग्दर्शक : खंय?

लेखक : खंयूय. धर हांगाच.

(तो आनी ती प्रगट जातात. कांय वेळ दोगांय वगी)

ती : ए, ए ऽऽ

तो : (भानार येत) आं ऽ

ती : उलय मरे.

तो : कितें उलोवं?

ती : आज तुजें अशें कितें घडलां? हरशीं तुका उलयतना बळजबऱ्यां थांबोवचो पडटालो.

तो : ते दीस सोंपले. तें सुखय सोंपलें.

ती : कितें घडलां?

तो : आमचे प्रेमसंबंद घरांत कळ्ळे.

ती : मागीर?

तो : मागीर कितें? घडपाचें तेंच घडलें. बापायन सगळें घर माथ्यार घेतलें आवयन रडून आकांत केलो. आतां आमचें लग्न जावप शक्य ना.

ती : (कांय वेळ थांबून) आमचें लग्न कित्याक जावपाक जाय? आमचें लग्न केन्नाच जालां.

तो : तूं कितें उलयता?

ती : काळजांतलें उलयतां. ज्या दिसा आमी एकामेकाच्या काळजांत सुवात जोडली त्याच दिसा आमचें लग्न जालें. गवाय त्या उक्त्या मळबाची, अस्तेंतेक बुडपी सुर्याची, झणझणपी वाऱ्याची.

तो : खरें! हेपरस वेगळें आमचें लग्न जावूंकच शकना. (कांय वेळ वग्गी) आतां फुडें कितें?

ती : फुडें? फुडें सगळो काळोखूच काळोख.

तो : तुज्या उतरांनी म्हाका भिरांत दिसता.

ती : आतां मनांतलीं भिजूडपणां काडून वडोवचीं पडटलीं.

तो : ना. बापायआड, आवयआड, ह्या समाजाआड हांव धिटायेन उलोवंक शकना. कांयच करूंक शकना.

ती : तातूंत दोश तुजो ना. ह्या समाजाचोच आसा.

तो : हय. ह्याच समाजान हांव उंचेले जातिचो आनी तूं सकयले जातिचें अशे वांटे घाल्या.

ती : ह्या समाजाचो धिक्कार! आमकां ह्या समाजाचेर सूड घेवपाक जाय.

तो : पूण कसो?

ती : बलिदान!

तो : कोणाचें बलिदान?

ती : आत्मबलिदान!

तो : आवय्स!

ती : हय. तोच एक उपाय. ह्या समाजाचो सूड घेवपाचो तोच एक मार्ग.

तो : कसो?

ती : आमी मोग केलो.

तो : जिवापाड.

ती : सोपूत घेतले.

तो : एकामेकांक ना सोडपाचे.

ती : आमचो मोग म्हळ्यार -

तो : आदर्श!

ती : पूण समाजाक तो मान्य ना. आमी आत्महत्या करूंया.

तो : दोगांय?

ती : हय. दोगांय.

तो : आमच्या बलिदानान कितें सादूंक पावतलें?

ती : ह्या कुड्ड्या समाजाचे दोळे उक्ते जातले. लग्नाच्या बंधनापरस मोग श्रेष्ठ आसा हें सगळ्यांक कळूंक पावतलें.

तो : हय, तशेंच घडूंक जाय.

ती : आमी मेल्याउपरांत चुटपुट्टलो हो समाज.

तो : मागीरूच कळटलें ताका खरो मोग म्हळ्यार कितें!

ती : तें कळपाक पयलीं आमकां मरचेंच पडटलें.

तो : हय. आमच्या मर्णाउपरांत जातिकातीच्या नांवाखाला कोणाचो मोग असो लासून वचचो ना.

ती : आमच्या उपरांत येवपी मोगी जिवांचें जिवीत बरेतरेन वच्चें

म्हण आमचें हें बलिदान.

दोगांय : आत्मबलिदान!

(तो आनी ती ना जातात. परतून लेखक आनी दिग्दर्शक)

दिग्दर्शक : फकाण!

लेखक : कितें जालें?

दिग्दर्शक : जावपाक् जाय आसलें तेंच जालें ना.

लेखक : तुका शेवट आवडूंकनासो दिसता.

दिग्दर्शक : आवडपासारकें कितें आसा हातूंत?

लेखक : कितें ना?

दिग्दर्शक : खरें तेंच ना. हातूंत आसा फक्त आदर्शवाद.

लेखक : आदर्शवादाक तूं हीण लेखता?

दिग्दर्शक : हांव कित्याक हीण लेखिना. जिवितांत जें ना तें गरजेभायर दाखोवप हाका म्हजो विरोध आसा.

लेखक : जिवितांत नासत पूण तें आसपाक जाय अशें दिसना?

दिग्दर्शक : अशें दिसता तुजेसारख्या लेखकाक.

लेखक : तशें दिसूं नये?

दिग्दर्शक : दिसपाक म्हजी हरकत ना. पूण तुजें नाटक हें तुजेपुरतें उरना. प्रयोगांत तें दुसऱ्याचेंय जाता.

लेखक : पूण म्हाका जें सांगपाचें आसा -

दिग्दर्शक : तुका सांगपाचें आसा तें कितल्याशाच शेंकड्यांआदीं हेर लेखकांनी सांगून वडयलां. ताणी सांगिल्लो आदर्शवाद ते जियेताले त्या काळाक सोबलो जायत. आतां तो काळ ना.

लेखक : मागीर हांवें दाखयला तो तांचो मार्ग?

दिग्दर्शक : अवास्तव. कृत्रीम. आयच्या काळांतले मोगी प्रेमभंगाखातीर आत्महत्या करीत अशें दिसता तुका? समज तांचे सुवातीर तूं आशिल्लो जाल्यार तूं आत्महत्या करतलो आसलो?

लेखक : ना.

दिग्दर्शक : मागीर तुज्या नाटकांत हें फटिचें चित्र कित्याक? अशा प्रेमाचें कितें जाता तें तुजेवरी लोकांकूय खबर आसा.

मागीर प्रेक्षकांकडेन हीं फटींगपणां कित्याक?

लेखक : पूण आदर्श उरले नात जाल्यार जीण बेसूर जातली.

दिग्दर्शक : आदर्श, आदर्श, आदर्श! सगळीं फकाणां. प्रेम म्हळें म्हणटकूच तें उदात्तूच आसपाक जाय? मनशाचे सभाव अनंत. सभावाप्रमाण प्रेमाच्यो विंगड विंगड तरा.

लेखक : हावें दाखयल्या तिवूय एका प्रेमाची तरा अशें कित्याक समजना तूं?

दिग्दर्शक : तें खरें न्हय देखून.

लेखक : मागीर तुजे नदरेन ह्या नाटकाचो शेवट कसो आसूंक जाय?

दिग्दर्शक : वास्तव.

लेखक : सुखान्त?

दिग्दर्शक : ना. शेवट दुखान्तूच जाय. कारण जिणेंत असल्या अणभवांत सुखापरस दुखूच चड वांट्याक येता. आनी एक गजाल, शेवटाक तुज्या नाटकांतलीं दोनूच पात्रां प्रेक्षकांक बोअर करतात.

लेखक : आनीक कोणांक दाखोवं येता?

दिग्दर्शक : सांगतां - तीं आत्महत्त्या करचीं नात.

लेखक : कित्याक?

दिग्दर्शक : तांकां वास्तव जीवन जगपाचें आसा देखून.

लेखक : वास्तव जीवन? पळोवया तरी तांचें वास्तव जीवन.

दिग्दर्शक : पळय.

(तो आनी ती परतून प्रगट जातात.)

दोगांय : आमी आत्महत्त्या करची न्हय.

तो : आत्महत्त्या म्हळ्यार चंचळवृत्तीचें दर्शन.

ती : आत्महत्त्या म्हळ्यार अटूक मनोवृत्तीची दाखवण.

तो : आत्महत्त्या करप म्हळ्यार घराक उजो पेटला म्हुण उदकांत बुडून रावप.

ती : आत्महत्त्या म्हळ्यार असत्याक दिल्ली पोसवण.

तो	:	आत्महत्त्या म्हळ्यार जिणेंतल्या दुःखाक शरण वचप.
ती	:	आत्महत्त्या म्हळ्यार प्रवाहाच्या आड वचूंक जायना म्हण आपणायिल्ली शरणागत!
तो	:	आत्महत्त्या म्हळ्यार झुजामळार शस्त्र गळसाणावन मारिल्ली धांव.
ती	:	आत्महत्त्या म्हळ्यार -
तो	:	भिजूडपणां!
ती	:	फटींगपणां.
तो	:	फकाणां.
दोगांय	:	आमी आत्महत्त्या करची न्हय.
ती	:	मागीर कितें करप? हें लग्न तर कशेंच शक्य ना.
तो	:	पूण कित्याक?
ती	:	तें म्हजेपरस तुजो बापूयच बरेतरेन सांगत. (बापूय येता.)
बापूय	:	हय. हांवूंच सांगतां, हें लग्न जावप शक्य ना.
तो	:	मोग करप हें पाप?
बापूय	:	पुण्य! साताजल्मांच्या पुण्याची गांठ पदराक आसली म्हण मोग करपाक पावलो अशें दिसता तुका?
तो	:	कित्याक दिसूं नये?
बापूय	:	तशें जाल्यार तूं कुड्डो.
ती	:	म्हजेखातीर तुमच्या पुताक बोल लावं नाकात.
बापूय	:	हें तुजेकडल्यान म्हाका आयकुचें पडटा हाची खंत भोगता.
ती	:	हांव तरी कितें करूं?
बापूय	:	तूं विचारता म्हण सांगतां. सांगूं?
ती	:	सांगात.
बापूय	:	हांव सांगतां तें मानून घेतलें म्हण वचन दी.
तो	:	नाका. तूं वचन दिवं नाका.
ती	:	कित्याक?
तो	:	तो कितें सांगतलो हें हांव पुराय जाणां.

ती : कितें सांगतलो?

बापूय : हांवूच सांगतां. तूं आपले सकयले जातिची जाणविकाय दवरून ताचे जिणेंतलें पयस जा.

ती : तेपरस तुमी आत्महत्त्या करपाक कित्याक सांगनात?

तो : तो बरो सांगत पूण तूं ताचें आयकूं नाका.

बापूय : ताचेखातीर म्हजो अपमान घडटा हाचें तुका भान ना.

तो : पुराय आसा.

बापूय : मागीर हें सगळें चल्लां तें म्हाका मान सकल घालूंक लावपाक?

तो : तुमकां मान सकल घालची पडचाना हाची हांव जतनाय घेतां.

ती : हय. आमी तसो यत्न करीन.

बापूय : यत्न बीत्न म्हाका नाका. हय वो ना ह्या एकाच उतरान म्हाका जाप जाय.

तो : तुमचो प्रश्न परत विचारशात?

बापूय : तूं सकयले जातिंतले चलयेकडेन लग्न जातलो?

तो : ना.

ती : आं?

तो : हांव हाचेकडेन लग्न जावंचोना आनी हेर कोणाले चलयेकडेनूय लग्न जावंचोना.

ती : अशें करूं नाका.

तो : तूं म्हजेबगर हेर कोणांबराबर नंदशी?

ती : ह्या जल्मांत तरी ना.

बापूय : मागीर दोगांय करतलीं कितें?

तो : आजल्म आंकवार रावतलीं. तुज्या दोळ्यांदिश्टी म्हजी जुवान जीण करपून वडयतलों. म्हजे हाल पळोवन तुज्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळसर तुजेमुखार झरत रावतलों. हीच तुका ख्यास्त! एक फुलतें जिवीत दोळ्यांसांमखार करपून वता तें पळोवपाची ख्यास्त तुकां भोगयतलों. पळोवनी ह्या तुज्या समाजाक

आमचे हाल. आमचें किस्मुरलेलें जीवन. जावंदी ताका धादोशी. जातिच्या वंटींनी बांदून घेतिल्ल्या ह्या तुज्या समाजाक पळोवनी आमचे जिणेची विटंबना. तातूंत वाडूंदी तुमची जात मिरयतल्यांची मिरास!

ती : ह्या यत्नांत म्हजेय जिणेची आहुती दीन हांव.

तो : जालें समाधान?

बापूय : हय. तुमच्या ह्या आंकवार जिवितापरस म्हाका म्हजी जातूच व्हड.

(तो आनी ती ना जातात. परतून लेखक आनी दिग्दर्शक)

दिग्दर्शक : हावें केल्लो शेवट कसो लागलो?

लेखक : वायट ना. पूण हांव मातसो विचार करतां.

दिग्दर्शक : तातूंत विचार करपासारखें कांय ना. हे कथेचो शेवट असोच जावपाक जाय. हाचेपरस दुसरे तरेन जावपाकूच शकना.

लेखक : म्हजो शेवटूय कितें सामको वायट नासलो. पूण हांव येवजितां तें वेगळेंच.

दिग्दर्शक : कितें?

लेखक : ह्या दोन शेवटांपरस आनीक तिसरो शेवट हे कथेचो जांव येता व्हय?

दिग्दर्शक : ना. जावंचो ना.

प्रेक्षक : (पयसुल्ल्यान) जातलो.

(लेखक आनी दिग्दर्शक पळयतात. प्रेक्षक माचयेर येता.)

दिग्दर्शक : कोण?

प्रेक्षक : एक प्रेक्षक. लेखकान बरयिल्लीं आनी दिग्दर्शकान बसयिल्लीं नाटकां नेमान पळोवपी.

(लेखक, दिग्दर्शक खुश जातात.)

प्रेक्षक : म्हजेविशीं इतलो आदर दाखोवपाची गरज ना.

दिग्दर्शक : ना, प्रेक्षकाक आदर दाखोवपाकूच जाय.

प्रेक्षक : पूण असो आदर दाखोवन कांय उपेग ना.

लेखक : कित्याक?

प्रेक्षक : तुमी आमकां शींगां लायतात.

दिग्दर्शक : तुकां कितें म्हणपाचें आसा?

प्रेक्षक : तुमी प्रेक्षकांचो आदर करतात पूण प्रेक्षकांक जाय तें मात दिनात. तुमकां जाय तें दितात. दितात म्हणचेपरस आमचेर थापतात म्हळ्यार जाता. आमी बाबडे सभावान गरीब. सगळें मोन्यानी पळयतात.

लेखक : तुमकां नेमकें कितें जाय?

प्रेक्षक : तेंच सांगपाक आयलां. नाटक ही भौआंगी कलाकृती. म्हणटकूच प्रेक्षक हें ताचें म्हत्वाचें आंग, हें तुमकां मान्य आसा?

दोगूय : मान्य आसा.

प्रेक्षक : मागीर त्या म्हत्वाच्या आंगाक जाय तें म्हत्वाचें न्हय?

दिग्दर्शक : हय. म्हत्वाचें.

प्रेक्षक : आतां तुमी ज्या नाटकाच्या शेवटाचेर चर्चा करतात, तोच शेवट घेवंया.

लेखक : तुकां खंयचो शेवट मानवलो? पयलो? तो हांवें लेखक ह्या नात्यान केला.

प्रेक्षक : ताचेरूच पयलीं सांगतां. तुजो शेवट म्हळ्यार रडकथा. तुमचे भाशेन ताका ट्रेजेडी, शोकांतिका असलीं नकसूद नांवां तुमी दियात. शिवाय एके भरड कथेची ती निमाणी रडकथा. आतां म्हाका सांग, आमकां संवसारांत दुःखा थोडीं आसात् म्हण आमी पैशे फारीक करून थेटरांत बसून रडप? हरशीं म्हण हे जिणेंत रडपाचेंच आसा न्हय? मागीर ही तुजी विकतची रड आमकां कित्याक? दुसरी गजाल. प्रेमाचो आदर्श! तो आमी रामायण, महाभारतांत पळयला. तो आमकां माथ्याबोडावयल्यान पुरो. तो तुज्या नाटकांनी आनी कित्याक?

दिग्दर्शक : पळयलें? अखेर हांवें सांगिल्लें तशेंच जालें. म्हाका आवडूंक नाशिल्ल्यो गजाली प्रेक्षकांकूय आवडनात म्हणपाचें सिद्ध

जालें. (प्रेक्षकाक) ह्या नाटकाक म्हजोच शेवट योग्य आसा अशें तुका दिसना?

प्रेक्षक : ना. तुजोय शेवट म्हाका आवडूंक ना. लेखकापरस तुवें व्हडलोसो फरक करूं ना. अखेर रडकथा ती रडकथाच उरल्या. लेखकान तरी आत्महत्त्या सुचोवन दुःख एकदांचें सोपयिल्लें. पूण तुवें निमाणे शेण कालोवचें तशें दुःख किचमीत दवरलां.

दिग्दर्शक : पूण जें दाखयलां तें वास्तव. सामकें खरें.

प्रेक्षक : तें वास्तव देखूनच तर म्हाका आवडूंक ना. आरे, जशें आसा तशें दाखोवपाक नाटक कित्याक जाय? आमी लोकांचे संवसार पळयतात ते जशाक तशे नाटकांत पळोवन आमकां फायदो कितें?

दिग्दर्शक : मागीर तुमकां जाय तरी कितें?

प्रेक्षक : जें आमच्या जिवितांत ना पूण तें आमकां जायशें दिसता तें दाखयात. आमी गरीब. श्रीमंतांचीं वर्णनां दाखयात. आमी नाटकाचो वेळमेरेन आमचे गरीबीक विसरून श्रीमंत जावन जियेतात. रस्त्यावयलो कुस्कुट मोलाचो मनीस गिरेस्ताले चलयेच्या मोगांत पडून तिका वश करता तें दाखयात. तीं साहसां आमीच केल्लेभशेन आमी तीं रंगून पळयतात. आमकां दुखान्त नाका, निखालस नाका. दर एखे कथेचो सुखान्त जावपाकूच जाय. मागीर तो अशक्य जांव, तुमी तो नाटकांत शक्य करून दाखयात. अशक्यता तुमकां खबर आसा. आमकांय खबर आसा. तरी ती दाखयात कारण तातूंतच आमकां खरें सुख आसा. त्या सुखाक आमी आशेल्यात. तेच अपेक्षेन आमी नाटक पळयतात. केन्ना केन्ना पोटाक चिमटो घेवन नाटकां पळयतात. खरें म्हळ्यार नाटक खऱ्या अर्थान आमच्या पोटाचो प्रश्न आसा. तुमी त्या प्रश्नाच्या अश्यो बकच्छायो करूं नाकात. साहित्यीक मुल्यांबी म्हणटात त्या गजालींची तुमी आनीक कसल्याय साहित्यांत चर्चा

करात. आमचेखातीर आशिल्ल्या नाटकांत नाका. आमकां आनंद दियात, खोस दियात, स्फूर्त दियात, शौर्य दाखयात, मोग दाखयात, फोगूय दाखयल्यार जाता. आसलें नासलें सगळें दाखयात पूण उपकार करून दुःख दाखोवं नाकात. प्लीज, आमकां दुःखाची ॲलर्जी आसा.

दिग्दर्शक : म्हणटकूच तुजे नदरेन ह्या नाटकाचो शेवट कसो?

प्रेक्षक : तो सांगपाची तर सामकी उमळशीक लागल्या. पळयात. (ती आनी चल्याचो बापूय.)

ती : म्हाका इतले पयस कित्याक आपोवन हाडलां?

बापूय : (तिका फसयिल्ल्याच्या भावान हांसता.)

ती : तुमी... तुमी कितें चलयलां? हें कितें चलयलां?

बापूय : होच प्रश्न हांव तुका विचारतां, तुवें हें कितें चलयलां?

ती : हावें कोणाचें कांय वांकडें करूंना.

बापूय : केलां. म्हजें पाड घालपाचे यत्न चलयल्यात तुवें. तूं भानार आसा न्हय?

ती : पुराय आसां.

बापूय : मागीर तुजे सकयले जातिचो तुका विसर पडलोसो दिसता.

ती : (वग्गी)

बापूय : आतां वगी कित्याक? म्हज्या चल्याचेर मोग आसा खंय तुजो?

ती : हय.

बापूय : आनी लग्नूय जावपाक सोदता खंय तुमी? गिरेस्ताली सून म्हण मिरोवपाची तुका बरी उमळशीक लागल्या आसतली.

ती : हावें ताच्या पैशांचेर मोग करूंना.

बापूय : दळडिरे लोक पैशांचे आशेन खंयच्याय थरार वतात.

ती : आमचे गरिबिचीं फकाणां करूं नाकात.

बापूय : तुजी जात आनी दळडिरेपण विसरून म्हजे गिरेस्तकायेचीं फकाणां करूं नाका.

ती : तुमी म्हाका हांगा कित्याक हाडलां?

बापूय : (हांसता.)

ती : तुमच्या मनांत कितें आसा तें सांगात

बापूय : तें तुका पुराय खबर आसा.

ती : तुमच्या पुताक विसरपाक जावचें ना.

बापूय : म्हणजे तागेले गिरेस्तकायेक विसरपाक जावचें ना, न्हय?

ती : पैशांचो माज मारिल्ल्यांक अशेंच दिसपाचें.

बापूय : ताचे जिणेंतलें कुशीक सर. मागता तितले दुडू मेळटले.

ती : परत सांगतां, हांवें ताचेर मोग केला, दुडवांचेर न्हय.

बापूय : म्हज्या प्रश्नाचो जबाब म्हाका मेळूंक ना.

ती : ताचे जिणेंतलें कुशीक सरून हांव कितें करूं?

बापूय : आत्महत्त्या कर.

ती : आत्महत्त्या करूंक हांवें कसलें पाप करूंक ना.

बापूय : मागीर ते हत्त्येचें पाप म्हाकाच करचें पडटलें.

ती : निश्ठूर मनशा, तूं कितें उलयता?

बापूय : तुवें म्हाका निश्ठूर म्हळांच न्हय, मागीर हरकत ना. म्हजीं निश्ठूरपणां सिद्ध करपाक हे म्हजे दोनूय हात पुरो. (तिच्या गळ्याक धरपाक हात मुखार करता.)

ती : राकेसा! तूं कितें करपाक सोदता?

बापूय : तुजो खून! (तिका रागान पळयत रावता आनी मागीर ताच्या रागाचें शृंगारांत रूपांतर जाता. हांसता.) पिसो हांव. फूल किस्मुरूनच वडोवपाचें आसा जाल्यार आदीं वास घेवनूच मागीर किस्मुरचें. (नियाळून) वा! वा! हें रसरसतें यौवन लुटप म्हळ्यार तुजे पिरायेइतको तरणो जावप. पयलीं तुका भोगतां आनी मागीर तुज्या अंताक कारण जातां. (तिका धरपाक वता. ती हांगा थंय धांवपाक सोदता. तो तिच्या हाताक धरता. तिचेर बळजबरी करपाक सोदता. प्रसंगानुरूप भडक संगीत. ती हुयेली मारता. बळजबरीच्या एका उंचेल्या खिणाक तिचो मोगी, तो येता.)

तो : पापा! हात फाटीं घेयात.

(बापूय तिका सोडटा. ती तो चे बगलेक धांवून वता आनी हुंडकेवन रडटा.)

ती : योग्य वेळार तुमी देव कशे उदेले. नाजाल्यार हो राकेस म्हजी अब्रू लुटून म्हाका सासणांचो काबार करतलो आसलो.

तो : पापा, असली करणी आदारताना तुमकां मातूय लज कशी दिसना?

बापूय : लज तुका दिसपाक जाय तेन्ना दिसली ना आनी आतां म्हाका विचारता?

तो : लज दिसपासारखें म्हजें पावल पडूंना.

बापूय : तूं लजेक भौमान समजता जाल्यार समाजाचे नेमूच बदलचे पडटले.

तो : बदलूंकूच जाय. ज्या समाजाक लज खंयची आनी भौमान खंयचो हें पारखुपाची नदर ना तो समाज बदलपाकूच जाय. वयलेदारा न्हय. मुळापासून बदलपाक जाय.

बापूय : तूं म्हजें आयकुचो ना?

तो : तुमी सांगतात तें खासा परमेश्वरान जरी सांगलें तरी आयकुचो ना.

बापूय : परमेश्वराचीं फकाणां करशी. पूण बापायचीं फकाणां परवडपाचीं नात.

तो : ती तयारी केन्नाच केल्या हांवें.

बापूय : आतां तुका तुजो जीव सांबाळपाची तयारी करची पडटली. तुजो आनी हे तुजे मोगिकेचो. (धारेचो सुरो काडटा.) म्हाका जाय तें आजवेर घडलां. ह्या संवसारांत जर म्हाका म्हजो पूत उरिल्लो नाकां जाल्यार तो एक खिणभरूय उरचो ना.

तो : आनी हांवूय तुमचोच पूत. तुमचो सभाव म्हज्याय रगतांत रीगला. म्हाका जाय तेंच जातलें. म्हज्या बापायन जर नाक हातांत धरून म्हजें आयकुचें अशें म्हाका दिसता जाल्यार तशेंच जातलें.

बापूय : तशें जाल्यार पळोवया, हे आडवाटेन तुका आनी तुजे प्रियेक

कोण वांटावपाक येता तो.

तो : पापा, तुवें जिवीतभर लाखांनी दुडू जोडल्या जायत पूण जिवितांत लाख मनशांतलो एक्कूय मनीस तूं केन्ना जोडूंक पावूं ना. उदक कसो दुडू तुवें सांठायला जायत पूण निमाणे घडकेक उदकाचो एक थेंबो तोंडांत घालपी एक मनीस तुवें जोडूंना.

बापूय : म्हणटकूच हावें जोडूं ना तें तुवें जोडलां तर! वगीच तोंडाची वाफ कित्याक वडयता? पळोवया तुजे संकश्टाचे वांटेकार.

ती : ('तो' क) हांव लोकांक सादयतां.

बापूय : मात जाग्यावयलीं हालशात जाल्यार हो सुरो दोगांयच्यो आंतकड्यो भायर काडटलो.

तो : कोणाच्यो आंतकड्यो कोणाच्या गळ्यांत पडटा तें कळपाक आतां कळाव लागचो ना. (हात वयर उबारून खुणा करता. कांय वेळान चार पांच मनीस, गूंड कशे हातांत दांडे, सुरे घेवन येतात. एकलो गूंड बापायचे मानेक सुरो तेंकयता.)

गूंडः१ : हातांतलो सुरो सकयल वडय. नाजाल्यार तंवशाची पिपरी कशी तुजी मान तुटून तुज्याच पांयाचेर पडटली.
(बापूय सुरो वडयता. एक गूंड तो सुरो उबारता.)

बापूय : (सगळ्यांक पळोवन) आरे, तुमी तर सगळे म्हजे कामदार. म्हज्याच पयशांचेर तुमी संवसार उबारल्यात आनी आयज म्हजेरूच हात उबारता?

गूंडः२ : आमी तुजे कामदार, पूण आमी तुजे बरें मागते इश्ट न्हय.

गूंडः३ : तुज्या पैशांचेर आमी संवसार उबारल्यात हें खरें, पूण तेखातीर आमी घाम गळयला.

गूंडः१ : तुवें आमकां दुडू दिल्या जायत पूण तुवें आमकां मोग, आपुलकाय केन्नाच दिवंक ना. ती दिल्या तुज्या पुतान.

गूंडः२ : तुज्या पुताखातीरूच आमच्या संवसारांत सुखशांती नंदूक पावल्या.

गूंडः३ : तो सांगता तें करपाक आमी राजी आसात. ताचेखातीर

जीव लेगीत दिवपाक तयार आसांत.
(बापायक पश्चात्ताप जाता. तो मान सकयल घालता.)

बापूय : पुता, आयज म्हजे दोळे उक्ते जाले. दुडवांनी सगळें पैदासूं येता ह्या भ्रमांत हांव आयुश्यभर वावुरलां, पूण आयज म्हजी चूक म्हाका कळून आयली. (पुताक) तुजें म्हणणें खरें, हावें लाखांनी पैशे जोडले पूण लाखांतलो एक मनीस हांव जोडूंक पावलों ना. तें तुवें इतले ल्हान पिरायेर करून दाखयलें. जाती-पाती, पत-प्रतिश्ठा ह्यो सगळ्यो नकली वस्तू म्हणपाचें कळ्ळें म्हाका. हांव तुमची सगळ्यांची चूक मागतां. म्हाका गुन्यांव भोगोस! आयजसावन तूं सांगता तशेंच जातलें. आयजसावन म्हजे सगळे इस्टेटीची उस्तवारी तुजेकडेन सोंपयतां. तूंच ताचो धनी. म्हज्या समाधानाखातीर निमाण्यो दोनूच गजाली हांव करतां. पयली गजाल म्हळ्यार म्हज्या सगळ्या कामदारांक आयच्या दिसाचो उगडास म्हण हांव बोनस जाहीर करतां आनी दुसरी गजाल म्हळ्यार -
(तो आनी ती चे हात एकामेकाच्या हातांत दिता. सगळे ताळयो मारतात आनी घोशणां दितात - धाकलो धनी झिंदाबाद! - व्हडलो धनी झिंदाबाद! सगळीं पात्रां थीर रावतात. लेखक, दिग्दर्शक आनी प्रेक्षक तांच्या म्हऱ्यांत येतात. प्रेक्षक उमेदीन ताळयो मारीत येता तर लेखक आनी दिग्दर्शक मातशे चिंतेन.)

प्रेक्षक : अखेर जैत म्हजेंच जालें काय ना? तुमच्या नाटकाक म्हजोच शेवट मुदयेक थीक कसो बसलो काय ना?

दिग्दर्शक : पूण म्हजें मन आजून सांगता, हांवेंच सुचयिल्लो शेवट योग्य आशिल्लो.

लेखक : म्हजें मत हांव कित्याक बदलूं तें म्हाका आजून कळूंक ना.
(थीर देखाव्यांतलीं तो आनी ती मनशावरी वागपाक लागतात. तीं दोगांय लेखक, दिग्दर्शक आनी प्रेक्षक हांच्या म्हऱ्यांत येतात. ते तिगूय कांचवेतात.)

तो	: तुमी कितें चलयलां?
ती	: आमी कितें खामसुत्रीं बावलीं? तुमकां जाय तशीं नाचोवपाचीं?
तो	: आमचे जिणेक कितेंतरी संगती आसा काय ना? तुमचे तकलेंत येता तशीं आमकां माचयेर दाखोवप!
ती	: अखेर आमीय मनशांच न्हय? काय तुमचे लेखी आमी पाळीव जनावरां?
प्रेक्षक	: शे, अशें कशें जायत?
तो	: तूं?
प्रेक्षक	: प्रेक्षक.
दिग्दर्शक	: दिग्दर्शक.
लेखक	: लेखक.
ती	: म्हणटकूच हे कथेचो मूळ सुत्रधार तूं?
लेखक	: हांव सुत्रधार न्हय. हांव फक्त निमित्ताक कारण जालां इतलेंच.
तो	: म्हणजे?
लेखक	: ही कथा म्हळ्यार सत्य घटना. सामकी खरी.
तो	: ती घटना खरी देखूनच तर आमकां हें मान्य ना.
लेखक	: कितें मान्य ना?
तो	: तुमी जी आमचे जिणेची विटंबना चलयल्या तें आमकां मान्य ना.
ती	: आमची जीण तुमी लागसून पळयल्या? काय उखल्ली जीब लायली ताळ्याक ह्या न्यायान वयलेदारा जें कितें दिसलां ताचेर नाटक रचलां?
तो	: रचलां कसलें? कर्माचें! पाडलां. कोण आत्महत्त्या सुचयता. कित्याक म्हण आत्महत्त्या करप? संवसारांतल्या अश्या कितल्या लोकांक म्हण तुमी आत्महत्त्या करूंक लायतले? जल्मभर आंकवार रावप म्हणटा तें कसलें नस्तें फॅड? जल्मभर आंकवार रावप्यांच्यो भानगडी, तांचें आयुश्य सोंपूनय सोंपना म्हणपाचें खबर ना तुमकां? जल्मभर आंकवार

रावप म्हळ्यार एका दिसाचो उपास कसो दिसलो तुमकां? गरिबाकडल्यान गिरेस्तांक खोलतेपण हाडून त्या गरीबाक स्वप्नरंजनांत दवरून ताका दिसानदीस दुबळो करूंक सोदतात?

लेखक : तशें न्हय, म्हाका जें खबर आसलें ताचेरूच होंवें बरोवपाचो यत्न केलो.

तो : तुका खबर आसलें म्हणजे कितें? वर्तमानपत्रांतल्यो बातम्यो वाचून ताचेर घरबसल्या नाटकां बरोवपाचो धंदो चलयला तुमी?

ती : असली जीण केन्ना बारीकसाणेन पारखून घेवपाचो यत्न केला तुमी?

दिग्दर्शक : अशेंच कांय ना. लेखन हो एक अणभव. घरबसल्या लेगीत तो घेवं येता.

प्रेक्षक : पात्रांचो अभ्यास आसुंकूच जाय अशें बंधन लेखकाचेर कित्याक आसचें?

तो : तूं दिग्दर्शक आनी तूं प्रेक्षक. तुमी हांगां उलोवपाचो प्रश्नूच येना. कारण हांगां मूळ नाटकूच जावंना.

ती : गरजेभायर नाका थंय चुळबूळ करपाची वृत्ती आयचे मुस्तींत ह्या लोकांत बळावल्या हें खरें.

तो : तर आमची सत्यकथा तुमकां समजून घेवपाची आसा?

ती : आतां तर ती तांकां सांगपाकूच जाय. कारण हाचेआदीं आमचेविशींच्यो तीन कथा ताणी रचल्या, आनी तिनूय बोगस.

तो : ही खरी कथा. आमचे कथेक शेवट नाच. तिका फक्त सुरवात आसा. आनी ते कथेंत प्रेक्षकान हाडिल्ले लोक नात.

(लोक वतात.)

दिग्दर्शकान हाडिल्लो हो बापूयय ना.

(बापूय वता.)

हे कथेंत आसात आमी, आमचे कथेसयत.

(तो आनी ती हाणी सांगिल्ली कथा सुरू जाता. एका खाजगी ऑफिसाचो देखाव. फोन वाजता. प्यून फोन घेता.)

प्यून : हॅलो, हय. तांचो प्यून उलयतां. सायब येवंना आजून. आनी मातशान येवपाचे जाले. कित्याक तें तुमी सांगपाची गरज ना. म्हाका खबर आसा उडट्या सवण्यांचीं पाखां मेजपी आमी. तुमची चली-म्हणजे तुमी धाडिल्ली चली, आयज इंटरव्ह्यूक आयल्या. हय. पळयल्या हांवें. भायर उबी आसा. कितलीं जाणां आयल्यांत काय म्हणटा? आतां धा मेरेन इकरा जाणां आसलीं. आनिकूय येत. ऍप्लीकेशनां पंदरांवयर आसात. स्टेनोच्यो व्हॅकन्सी कितल्यो काय म्हणटा? हय. फक्त शंबरांतलीं दोन पुज्यां काडपाचीं. हय तर. फक्त एक. आदली सोडून गेली म्हणून तर दुसरी घेता न्हय? आतां आदलेन सर्विस कित्याक सोडली तें हांव कशें सांगूं? तुमी फोन केल्लो म्हण सांगतां. आनीक कोणाचे फोन आयिल्ले काय म्हण विचारता? तें तुमी विचारिना जाल्यार बरें आसलें. कारण सगळ्यांचे वतीन फोन आयिल्ले. तुमीच एकटे उरिल्ले. सकाळच्यान फोनूच घेवपाचें काम करतां हांव. तुमकां आशा ना? चलयेची टायपिंगाची स्पीड उणी आसल्यार कोंताक येता. पूण बाकिच्या कामाची स्पीड लक्षांत आयली नी तुमच्या? तुमचे स्वतःचे चलयेक धाडूं नाकात म्हणजे जालें. हय. हय. सांगतां. तश्शें सांगतां. बरें. ब ऽऽ रें. (फोन दवरता.)

(सुटा बुटांतलो मॅनेजर तो येता. कदेलीर बसता.)

प्यून : फोन आयिल्ले.

तो : कोणा कोणांचे?

प्यून : सगळ्यांचे. फ़ावोर मारपाचे. कोणाची भाची, कोणाची नात, कोणाची चली, कोणाची पुतणी, कोणा इश्टाली चली, कोणालीं सोयरीं धायरीं.

तो : कोणाल्या फावोराची दखल घेवपाची गरज ना. चल, इंटरव्ह्यू सुरू. एकले एकलेक धाड.

(प्यून भायर वता. भायरसून ती येता. तो कांचवेता.)

तो : तूं?

ती : इतलो कांचवेलो कित्याक? पयलेच खेप पळयता?

तो : तशें न्हय.

ती : मागीर?

तो : आयज अशें येवपाचें कारण?

ती : आयज येवपाचें न्हय?

तो : आयज तुजे रिते जाल्ले व्हॅकन्सीखातीर इंटरव्ह्यू घेतां.

ती : म्हजी अडचण जावंची ना.

तो : तुज्यान आजूनय सर्विसेर येवं येता.

ती : गेल्ली सर्विस परत मागापखातीर हांव आयलां म्हण समजलो?

तो : पूण सर्विस सोडपाक तुका कारण तरी कितें? काय बरी स्टेनोची नोकरी. वेळावेळ पगार.

ती : मुखावयलें सगळें सांगतलो काय कितें? (हांसता.)

तो : पूण तुवें सर्विस कित्याक सोडली? आनी सोडटना म्हाका कल्पनाय दिली ना. रेजिगनेशन पोस्टांतल्यान धाडून दिलें.

ती : चड वायट दिसलें?

तो : दिसपाचेंच.

ती : पूण कित्याक दिसूंक जाय? तुमी येद्या व्हडल्या फर्माचे धनी, हांव एक सादी स्टेनो.

तो : पूण हाचेभायरूय आमचें एक वेगळें नातें आसलें.

ती : चुकता तूं. नातें न्हय. संबंद. फक्त संबंद. आनी तेचखातीर म्हाका ही सर्विस सोडची पडली.

तो : घरा कळ्ळें? धुसफूस जाली?

ती : घरा कळ्ळांच जांवये. पूण धुसफूस जावची ना. कारण घरांत हांव एकटेंच जोडून आवय-बापायक पोसतां. म्हजेविशीं धुसफूस केल्यार तांकां म्हजी जोड मेळचीना ह्या भंयानूच

तीं तोंड धापून वगी रावतलीं.

तो : मागीर सर्विस सोडपाचें कारण?

ती : तुजो मोह सुटपाखातीर म्हाका सर्विस सोडचीच पडली.

तो : म्हणजे?

ती : म्हजें लग्न थारलां. न्हवरो पळोवनबी गेला. जवळजवळ सगळें जाल्ल्यांतूच जमा.

तो : तुका मानवलो? कसो आसा? बरो दिसता?

ती : आरे, न्हवरो म्हाका आनी उमळशीक तुका कित्याक?

तो : न्हवरो बरो आसल्यार म्हाका खोस भोगतली. तुज्या सुखाचे कल्पनेन.

ती : मागीर तूंच कित्याक लग्न जायना म्हजेलागीं?

तो : कसलीं फकाणां करता गो? लग्न जावपाचें आसल्यार आमी इतले लागीं कित्याक येतलीं आसलीं?

ती : कितले लागीं?

तो : आयज म्हाका परत चाळोवन घालूं नाका आं.

ती : आरे भित्र्या, लग्नाक आजून खूब दीस आसात.

तो : कोणाच्या?

ती : म्हज्या. तुजे कितें, तूं गिरेस्तालो कुंवर. आवयबापायन मनांत हाडल्यार तूं फाल्यां सव्यार चडशी. आमचें तशें ना. धा कडचे धा पोंत जुळून येवपाक जाय तेन्ना खरें.

तो : तुज्या लग्नाची हांवूच खटपट करतलो आसलों. पूण गरजेभायर दुबाव नाका म्हण वगीच रावलों.

ती : तेंच बरें.

तो : एक मात मनांक खाल्लेले भशेन दिसता.

ती : कितें?

तो : ही जातिची दोंड आमचेमदीं नाशिल्ली जाल्यार घडये... पूण मागीर दिसता, एके गरीबाले चलयेक एका गर्भश्रीमंताले थंय सून म्हण वावुरपाक बरीच आडखळ जातली आसली. हांव ताची कल्पनाच करूंक शकना.

ती : आरे, दादलो जावंनय तूं दुबळो! असो विचार म्हज्या मनांत केन्नाच आयलो ना. आमचे पयले भेटींतूय आनी आतांचे भेटींतूय. आमी खरीं वेवहारी मनशां. सत्याक पारखुपाची तांक आमकां आसली म्हणूनच आयज एकामेकांपासून पयस वचपाच्या खिणांतूय आमच्या मनांची थीरताय बिगडना.

तो : ह्या समाजाक फावसारकें आमी प्रेम केलें.

ती : ताका प्रेमबीम नांवां दिवन वगीच उतरांचो खेळ कित्याक मांडटा? आमी दोगांय एकठांय आयलीं. परिस्थितीची सुनशा घेवन एकामेकांक दिवं येतालें तें आमी दिलें, एकामेकाचेर अन्याय जावंक दिनासताना.

तो : आयज तोच वेवहारी उपाय आपणावन पयस सरूंया.

ती : आरे, पूण लग्नाक आजून दीस आसात.

तो : नाका. आतां हेंच मेळप निमाणचें. तूं लग्न जा. लग्नाआदीं कितें घडिल्लें तें विसरून वच.

ती : विसरपाचें काम काळूच बेस बरें करतलो. म्हणटकूच ही भेट निमाणी?

तो : हय निमाणी.

ती : एक सांगपाचें विसरलें, न्हय तेंच सांगपाक आयज आयिल्लें.

तो : कितें?

ती : म्हाका तुजेपासून दीस गेल्यात. दोन म्हयने जाल्यात.

तो : मागीर?

ती : मागीर कितें? ऍबोर्शन!

तो : ऍबोर्शन?

ती : इतलो कांचवेता कित्याक? ही काय पयलीच खेप न्हय.

तो : पूण मनांक पटना.

ती : कितें?

तो : आपलोच गर्भ -

ती : आपल्याच पैशांनी ना करप.

तो : हांव पैशांखातीर म्हणना. हांव पैशांचो पूत न्हय. (पैशे

काडून दिता.)

ती : तूं लक्ष्मीचो पूत!

तो : गिरेस्तांकूय भावना आसतात.

ती : आनी त्यो विकपाची आनी विकत घेवपाची तांकां संवंय आसता.

तो : तुजें कल्याण जांव!

ती : इतलो हळवो जांव नाका. तुजेकडसून म्हजेर अन्याय जाला ही भावना मनांत रिगोवन घेवं नाका. एके गरीबाले चलयेक आपणें फटयली असोय समज नाका. सुंदर चलयांक लुटचें अशें, जशें गिरेस्त चल्यांक दिसता तेचबशेन गिरेस्ताल्या राजबिंड्या चल्यान आपणांक लुटचें अशें गरीबांले चलयांकूय दिसता. आनी जगलोकाक कळटकूच मागीर ते गिरेस्तांनी गरीबांचेर केल्ले बलात्कार थारतात.

तो : कितलें निबर सत्य उलयता तूं?

ती : आयच्या काळांतलें, न्हय?

तो : चल तूं खऱ्यांनीच तुजें कल्याण जातलें.

ती : तुवें पैशांची वेवस्था केल्याच. आतां तें अवश्य जातलें. बाय. (ती हांसत वता. तो सुन्न जावन विचार करता. भानार येता. मेजावयली बेल मारता.)

तो : नेक्स्ट.
(दुसरी एक चली येता. तो तिका पळयत रावता. ताच्यो चित्तवृत्ती बदलतात.)

चली : म्हजें नांव ...

तो : नांव सांगपाची गरज ना. पास. (कांय नोटी काडून दिता.) हे घे.

चली : हे पैशे कित्याक?

तो : ऍडवान्स.

चली : ऍडवान्स?

तो : ऍडवान्स पगाराचे न्हय.

चली : मागीर?

तो : पयल्या ऍबोर्शनाचे.

चली : (किळांचून) ऍबोर्शन?

(तो हातांत नोटी घेवन आनी चली कांचवेवन थीर रावतात. लेखक, दिग्दर्शक आनी प्रेक्षक मानो सकल घालून तांचेमुखावयल्यान प्रेक्षक-घरांत वतात.)

(सोंपता.)


KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)